GIPARD
GOA INSTITUTE OF PUBLIC ADMINISTRATION & RURAL DEVELOPMENT

सत्यमेव जयते
Ministry of Panchayati Raj
Government of India

# तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां आनी ग्राम पंचायती










आरोग्यवान गांव

परिसराचो सांबाळ करात







झरी राखून दवरात

## प्रशिक्षक आनी ग्राम पंचायती खातीर पुस्तिका

सत्यमेव जयते

# तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां आनी ग्राम पंचायती

## प्रशिक्षक आनी ग्राम पंचायतीं खातीर पुस्तिका

Panchayati Raj

UNDP

## तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां (SDGs) आनी ग्राम पंचायती

हे पुस्तिकेचे आवृत्तीचे प्रकाशन हक्क राखून दवरिल्ले नात. हे पुस्तिकेचो खंयचोय वांटो पुनर्निर्माण, रूपांतरीत वा खंयच्याय रूपांत वा सादनां वरवीं प्रक्षेपीत करूं येता. इलेक्ट्रॉनिक फोटोकॉपी करून वा हेर फावो त्या तरांनी ताचो खंयचेय भाशेंत अणकार करूं येता. मात ही पुस्तिका बरोवपी आनी तिचे उजवाडावपी हांची फावो तशी दखल/ नोंद घेवप गरजेचें आसा. गांवगिऱ्या वाठारांतले जनतेमदीं तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां आनी ग्राम पंचायती हांचो उद्देश पातळावपा खातीर आनी जाणविकाय दिवपा खातीर ही पुस्तिका फुकट उपलब्ध करून दिवपाच्या उद्देशान उजवाडायल्या. म्हंटगीर हे पुस्तिकेची प्रत मेळोवपा खातीर ती विकप, उश्णी दिवप, परत घेवप, भोंवडावप, दुसऱ्याक विकप असले कसलेच अर्थीक वेव्हार जावंक फावना. हे पुस्तिकेंत उक्तायिल्लो दृश्टिकोण आनी मतां हीं स्वता लेखकाचीं जावन आसात. ताणीं सांगिल्ली वस्तुस्थिती शक्य आशिल्ल्या सगळ्या वटांनी तपासून घेतल्या. म्हंटगीर ही पुस्तिका उजवाडावपी वा मुद्रण करपी (छापपी) हांचेर कसलीच कारवाय जावंक शकना.

पयली उजवाडावणीः 2017

पंचायती राज संस्थांच्या क्षमतांचे सक्षमीकरण (एससीपीआरआय),
पंचायती राज मंत्रालय यूएनडीपी प्रकल्प,
सरदार पटेल भवन
नवी दिल्ली - 110001
हाणीं उजवाडायल्या

Translated and Printed in Konkani by:
GIPARD (SIRDPR), Old Goa.

# प्रस्तावना

युनोच्या वांगडी राष्ट्रांनी सप्टेंबर-2015त 17 तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां (SDGs) आनी तांच्यो 169 मोखी मानून घेतिल्ल्यो. हीं ध्येयां (SDGs) हातासपाक थळाव्या सरकारांची चड म्हत्वाची भूमिका आसता. ध्येयां हीं वैश्विक वा सार्वत्रिक आसलीं तरी घुसपावणी आनी हस्तक्षेपाच्यो शक्यता थळाव्यो आसतात.

थळाव्या लोकांचो अर्थीक विकास आनी समाजीक न्याय हीं दोन उद्दिश्टां पंचायती राज व्यवस्थेंत भारतीय संविधानांत निश्चित केल्लीं आसात आनी तांची खात्री दिल्या.

भारतीय संविधानाच्या इकराव्या परिशिष्टांत दिल्ले 29 विशयांचे वळेरे प्रमाण ग्राम पंचायतींच्यो येवजण्यो परिणामकारक रितीन चालीक लावपा खातीर भोव म्हत्वाची भूमिका आसा. चडश्यो एसडीजी मोखी ह्यो ह्या विशयांच्या आंवाठांत येतात.

देशांतल्यो ग्राम पंचायती (GPs) ग्राम पंचायत विकास येवजण्यो (GPDP) तयार करतात, ग्राम पंचायतींक तांच्यो येवजण्यो तगावक्षम विकासाच्या ध्येयां (SDGs) वांगडा जुळोवन हाडपाक संदी मेळटात. ग्राम पंचायत पावंड्यार केंद्रीय आनी राज्याच्यो खूबश्यो येवजण्यो संसाधनां वापरून प्रभावीपणान परिवर्तीत करूंक शकतात. उब्यो आनी समांतर अश्यो संलग्न संदी, परिवर्तनाच्यो संदी, संसाधनां चालीक लावपाची क्षमताय आनी ग्राम पंचायतींक शक्य आशिल्ली कृती हांचे पूर्ततायेची मेजणी करपा खातीर वा अदमास घेवपा खातीर सांकेतीक कुरू दाखोवपी वेवस्था करून ग्राम पंचायत पावंड्यार मोखी प्रस्थापीत करप हें खूब म्हत्वाचें आसा.

ग्राम पंचायतींचे लोकांनी वेंचून काडिल्ले प्रतिनिधी आनी कार्यवाहक, तळागाळांतल्या पावंड्यावेल्यो येवजण्यो तयार करपा खातीर तेंको

दिवपी ज्यो संसाधन व्यक्ती आसात अशा सगळ्यांक आयती संदर्भ पुस्तिका मेळची म्हण तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां आनी ग्राम पंचायती ही पुस्तिका तयार केल्या. नागरी समाजांतले भागीदार, शिक्षणीक, संसाधनसंबंदी आनी हेर संस्थां कडेन तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां थळाव्या पंचायतींक लागू करपाचे नदरेन पंचायती राज मंत्रालयान 2016 वर्सा सुरू केल्ले भासाभाशेचे प्रक्रियेचें फळीतम्हळ्यार ही पुस्तिका. हे भासाभाशेचे प्रक्रियेंतल्यान आयिल्ल्यो खूबश्यो सुचवण्यो हे पुस्तिकेंत आसपावन घेवपाक मेळ्ळ्यो.

ग्राम पंचायतींक थेट संबंद आशिल्ल्या तगावक्षम विकासाच्या ध्येयां (SDGs) विशींची म्हायती हे पुस्तिकेंत मेळटा. तिचो उपेग करून ग्राम पंचायतींच्यो येवजण्यो थारायतना प्राधान्यक्रमान भर दिवंक येता, पंचायतींच्यान हीं ध्येयां गांठपा खातीर कृती येवजण आखूं येता. त्याच प्रमाण तेंक्याचें मुळावण आनी संसाधनां चालीक लावंक येतात. तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां गांठपा खातीरच्यो येवजण्यो थारायतना ग्राम पंचायतींक मुळावी म्हायती मेळची हे नदरेन मारिल्लें हें एक ल्हानशें पावल जावन आसा.

# उपकार

तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां आनी ग्राम पंचायती ही पुस्तिका इंटरकोऑपरेशन सोशल डेव्हलपमेंट इंडियाचे डॉ. जॉय एलेमोन आनी श्रीमती मरिअम्मा सानू जॉर्ज (निर्मला) हांणीं तयार केल्या. तांकां श्री. विनोद कुमार पी., डॉ. प्रिता के.के. आनी श्री. राहुल थंपी हांचो ह्या वावरांत आदार जाला. तंत्रीक सुचवण्यो आनी मजकूर संपादनाच्या कामांत पंचायती राज मंत्रालयाच्या एससीपीआरआय (SCPRI) प्रकल्पाच्यो श्रीमती किरण ज्योती, श्री. राजेश सिन्हा, श्री. कृषानू भट्टाचार्य आनी श्री. शिबब्रत कार हांणीं आदार केला. श्री. राकेश हाणी हे पुस्तिकेंतलीं चित्रां काडल्यांत. पुस्तिकेचें प्राथमीक आरेखन मेसर्स वूडपॅकर हाणीं आनी निमाणें आरेखन श्री. महेंद्र सिंग बोरा हाणी केलां. ह्या वावुरपी पंगडाक तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां आनी ग्राम पंचायती ह्या विशयाचेर केरळ इंस्टिट्यूट ऑफ लोकल ॲडमिनिस्ट्रेशन (KILA) हांचे कडेन केल्ल्या मसलतींचो त्याच प्रमाण पंचायती राज मंत्रालयान घडोवन हाडिल्लीं चर्चासत्रां आनी कार्यशाळा आनी UNDP चीं तरेकवार कागदपत्रां हांचो भोव बरो आदार आनी फायदो जालो.

# NOTE

The Handbook on Sustainable Development Goals and Gram Panchayats has been prepared by Strengthening Capacities of Panchayati Raj Institutions (SCPRI), under MoPR- UNDP Project, New Delhi. This Handbook has been translated in local language (Konkani) by Goa Institute of Public Administration and Rural Development (SIRD&PR), Ella Farm, Old Goa-Goa for the purpose of wider dissemination at the Gram Panchayats and Community.

# Table of Contents

1. तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां परिचय: An Introduction — 9
The Concept of Development

2. तगावक्षम विकासाचें ध्येय-1 — 17
End Poverty in All its Forms Everywhere
Towards a Poverty Free Panchayat

3. तगावक्षम विकासाचें ध्येय-2 — 27
End Hunger, Achieve Food Security and Improved Nutrition
and Promote Sustainable Agriculture
Hunger free Village

4. तगावक्षम विकासाचें ध्येय -3 — 37
Ensure Healthy Lives and Promote Well-being For All at All Ages
Towards a Healthy Village

5. तगावक्षम विकासाचें ध्येय -4 — 49
Ensure Inclusive and Equitable Quality Education
and Promote Lifelong Learning Opportunities for All
Education for All

6. तगावक्षम विकासाचें ध्येय -5 — 58
Achieve Gender Equality and Empower All Women and Girls
Engendering Development

7. तगावक्षम विकासाचें ध्येय -6 — 66
Ensure Availability and Sustainable Management of
Water and Sanitation For All
Swachh Bharat, Swachh Village

8. तगावक्षम विकासाचें ध्येय -7 — 75
Ensure Access To Affordable, Sustainable and
Modern Energy For All
Sustainable Energy For All

# Table of Contents


9. **तगावक्षम विकासाचें ध्येय -8** 85
Promote Sustained, Inclusive and Sustainable Economic Growth,
Full and Productive Employment and Decent Work For All
Local Economic Development

10. **तगावक्षम विकासाचें ध्येय -13** 93
Take Urgent Action to Combat Climate Change
and its Impacts
Towards a Climate Resilient Panchayat

11. **तगावक्षम विकासाचें ध्येय -15** 100
Protect, Restore and Promote Sustainable Use of
Terrestrial Ecosystems, Sustainably Manage Forests,
Combat Desertification, and Halt and Reserve Land Degradation
and Halt Bio Diversity Loss
Restoring Our Eco-system For Future

12. **Other SDGs Goals 9, 10, 11, 12, 14, 16 & 17** 109

13. **Monitoring SDGs and Targets** 125

14. **Towards a Holistic Gram Panchayat Development Plan** 127

15. **Annexures-1** 128

16. **Annexures-2** 129

वैश्वीक ध्येयां

# तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां

## परिचय

## विकासाची संकल्पना


खूब जाणांनी खूबश्या तरांनी विकासाचे संकल्पनेची व्याख्या केल्या. पूण सर्वसादारणपणान अशें सांगूंक शकतातः

- मनशां आनी थळां हांचे अर्थीक आनी समाजीक परिस्थितीची उदरगत म्हळ्यार विकास.
- ताचो संबंद गरिबी, शिक्षण, भलायकी, रोजगार हांचे प्रस्न सुटावे करपा कडेन जुळिल्लो आसता.
- घर बांदणी, पिवपाचें उदक आनी नितळावणी हांचे सारक्या मुळाव्या सुखसुविधांचीं संसाधनां आनी सोयी-सुविधा.
- निश्पक्षपातीपण आनी मानवी तांक वाडोवपाचो विशय लेगीत हातूंत येता.

1990 च्या दसकांत मानव विकासा विशींचो आदर्श नमुनो मांडिल्लो. तेन्ना असो युक्तीवाद मुखार आयलो - विकास म्हळ्यार फक्त अर्थीक वाड न्हय. विकास हो लोक आनी तांची समर्थताय हांचे विशींचो आसता. तो आरोग्य संपन्न जीण, शिक्षण आनी जिणेचो सभ्य दर्जो हांचे कडेन जुळिल्लो आसता. हाका लागून एके गजालीचेर भर दिलो, तो म्हळ्यार राष्ट्रीय पावंड्यावेली येणावळ हो विकासाचो एकच निकश न्हय तर जनतेच्या आवडी-निवडीं मेरेन ह्या विशयाचो केंद्रबिंदू विस्तारत गेलो. अशे तरेन लोक हो केंद्रबिंदू मानून विकास प्रक्रियेचो विचार सुरू जालो.

1990 वर्सा युनायटेड नेशन्स डेव्हलपमेंट प्रोग्राम सादर जालो. ताचे प्रमाण लोकांची भलायकी आनी शिक्षण हांच्या सारक्या संकेतकांचो (इंडिकेटर) आसपाव करूंक देशाची वट्ट येणावळ आनी उदरगतीची मापणी करपा खातीर मानव विकासाचो सूचकांक (इंडेक्स) (HDI) हांचो विचार करून वैश्वीक मानव विकास अहवाल (HDR) मुखार आयलो.

भारतान हे मानव विकास संकल्पनेक येवकार दिलो. 1992 वर्साचे आठवे पंचवार्षीक येवजणेंत ते संकल्पनेचें पडबिंब दिसलें. ते प्रमाण "मानव विकास होच सगल्या येवजण्यांचें अंतिम ध्येय" म्हण मानलां.




आमच्या गांवचे येवजणेंत सुद्धां हें लागू जायना?
ग्राम पंचायत विकास येवजण मानव विकासाचेर भर दिवपी अशीच आसची न्हय?

## 1. गांव पावंड्यार विकास कित्या वयल्यान दिसतलो?

गांवांतल्या लोकांची जीण समृद्ध जावची म्हण थंयचो परिसर आनी थंय निर्माण केल्ल्यो सोयी-सुविधा हांतल्यान गांवाचो विकास दिसता. गांवांत उदक, नितळावणी, घरांची बांधणी, गरिबी नासप, ऊर्जा निर्मणी, आरोग्य, वाठार, शिक्षण, रोजगार आनी हेर अश्यो सोयी-सुविधा पळयतगीर गांवाची उदरगत दिसता. जेन्ना आमी गांवाचो विकास असो विचार करतात, तेन्ना सगल्यां खातीर समान न्याय, परिसर आनी थळावी जीवसृश्ट हांची राखण आनी स्त्री-पुरुश समानताय हांचो विचार मुजरत जावंक जाय.

## 2. ग्राम पंचायतच कित्याक?

भारतीय संविधानाचे 73वी आनी 74वी ह्या दुरुस्त्यां वरवीं देशाचे प्रशासन वेवस्थेंत आदर्श स्वरूपाचे बदल केल्यात. पयलींचे केंद्र आनी राज्य पावंड्यावेले प्रशासन वेवस्थेंत थळावें प्रशासन असो एक तिसरो पावंडो थारायला.

हे बदलिल्ले वेवस्थेंतलीं मुखेल आदर्श तत्वां अशीं आसातः

- थळाव्या प्रशासनाक स्वायत्तताय.
- थळाव्या प्रस्नांचेर निर्णय घेवपाचे अधिकार आतां थळाव्या प्रशासनाक दिल्यात आनी
- निधी, कार्यां आनी कार्यवाहक समिती/व्यक्ती हांचें हस्तांतरण करपाचे अधिकार.

ह्या संविधान दुरुस्त्यांचो मुखेल उद्देश म्हळ्यार समाजीक न्याय आनी थळावी अर्थीक उदरगत हांची खात्री करून घेवप. कारण हेच उद्देश मानव विकासाचे सगले घटक आसपावन घेतात हांतूंत दुबाव ना.

## 3. संविधान दुरूस्तींतलीं ठळक वैशिश्ट्यां

- दरेका राज्यांतल्या गांवगिऱ्या वाठारांत पंचायती आनी शारी वाठारांत नगरपालिका आसूंक जाय.
- वीस लाख लोकसंख्या आशिल्ल्या राज्यांत ही तीन पावंड्यांवेली प्रशासन वेवस्था आसूंक जाय.
- हेरांक मदलो पावंडो नासतलो. केंद्र आनी थळावी प्रशासन वेवस्था आसतली.
- पंचायती आनी नगरपालिका ह्यो स्वराज्य-संस्था म्हण स्थापन केल्यात.
- ह्या संस्थांनी आशिल्ल्या वट्ट वांगड्यांच्या उण्यात उणे तिसरो वांटो-इतल्यो सुवाती बायलां खातीर आरक्षीत आसात. अनुसुचीत जाती आनी जमातीं खातीर तांचे लोकसंख्येच्या प्रमाणांत जागे आरक्षीत आसतले.

- हांतल्या लोकांनी वेंचून काडिल्ल्या प्रतिनिधींचो थळाव्या प्रशासनांतलो कालावधी पांच वर्सां आसा.
- ह्या थळाव्या प्रशासनांनी थळाव्यो विकास येवजण्यो थारावप आसतात.
- कर, शुल्क, जकात, टोल टॅक्स, फी, भाडें, वापरा खातीरचें शुल्क, राज्य सरकारा कडल्यान मेळिल्लो निधी, राज्य सरकारान थळाव्या प्रशासनाक दिल्लो टॅक्साचो वा हेर रकमेचो वांटो आनी थळाव्या प्रशासनान निर्माण केल्ल्या साधन-सुविधांतल्यान मेळिल्ली येणावळ ह्या रूपांत थळाव्या प्रशासनाचीं संसाधनां आसतात. तातूंत राज्य आनी केंद्र सरकारा कडल्यान खासा उद्देशान दिल्लें अनुदान वा निधी, मेकळेपणीं मेळिल्लो निधी, उश्णो घेतिल्लो पयसो, देणगी आनी तसरिपो हांचोय आसपाव जाता. राज्य वित्त आयोगाचे अनिवार्य शिफारसीचेर आदारून राज्य सरकार ताची थारावणी करता. उंचेल्या पावंड्यांवेल्यो येवजण्यो, तेच परी शारी आनी ग्रामीण वाठारांतल्यो येवजण्यो एकठांय करून दरेका जिल्ह्यांतली जिल्हो येवजण समिती (DPC) त्या जिल्ह्या खातीर विकासाची येवजण तयार करता.
- दरेका थळाव्या प्रशासनांत गांवचे सगले सज्ञानी वांगडी ग्रामसभेचे वांगडी आसतात.
- ग्रामसभांक अधिकार आनी जापसालदारकी दिवप हें राज्य सरकारा खातीर अनिवार्य आसता.
- राज्य सरकारान स्वतंत्र असो राज्य निवडणूक आयोग स्थापन करूंक जाय
- थळाव्या प्रशासना कडेन 29 विशय हस्तांतरीत केल्ले आसात. तांचो तपशील आनी व्याख्या राज्य सरकारान थारावपाची आसता.

## 4. थळाव्या प्रशासना कडेन हस्तांतरीत केल्ले विशय

भारतीय संविधानाचे 73 वे दुरुस्तेंतल्या कलम 243-जी मदल्या इकराव्या परिशिश्टा वरवीं मुखार दिल्ले 29 विशय थळाव्या प्रशासनाचे जापसालदारकेखाला येतातः

1. कृषी आनी कृषी विस्तारीकरण.
2. जमीन सुदारणा, सुदारणेचो वावर चालीक लावप, भूंय एकठावीकरण आनी माती/मातयेच्या कसाची राखण/सांबाळ करप.
3. ल्हान (लघु) शिंपणावळ, जल वेवस्थापन आनी उदकाच्या प्रभावाखाला आशिल्ल्या वाठाराचो राखणेचे नदरेन विकास.
4. पशूपालन, दूद वेवसाय आनी कुकड-पालन.
5. नुस्तेंकारी/मत्स्य संवर्धन.
6. समाजीक वनीकरण आनी वन-निर्माणी.
7. लघु वन निर्मणी.

8. लघु उद्येग आनी खाद्य-प्रक्रिये खातीरचे उद्येग.
9. खादी, गांव आनी कुटिरोद्येग.
10. ग्रामीण घर निर्मणी.
11. पिवपाच्या उदकाची वेवस्था.
12. इंधन/जळव आनी चरव.
13. रस्ते, गटारां, पूल, फेरी-येरादारी, जल वाहतूक आनी येरादारेचीं हेर साधनां.
14. ग्रामीण विद्यूतीकरण आनी विजेची वितरण वेवस्था.
15. गैर पारंपारीक ऊर्जेचीं संसाधनां.
16. गरीबी निर्मूळण कार्यावळ.
17. प्राथमीक आनी माध्यमीक शिक्षण.
18. तंत्रीक शिक्षण आनी वेवसायीक शिक्षण.
19. प्रौढ आनी अनुपचारीक शिक्षण.
20. वाचनालयां.
21. सांस्कृतीक वावर.
22. बाजार आनी जात्रा, फेस्तां.
23. भलायकी आनी नितळावणी.
24. कुटुंब कल्याण.
25. महिला आनी बाल विकास.
26. समाज कल्याण-अपंगूळ आनी मानसीक अपंगूळ हांच्या सयत.
27. दुर्बळ घटकांचें कल्याण-खासा करून अनुसूचीत जाती आनी जमातींचें.
28. भौशीक वितरण प्रणाली.
29. सामुदायीक संपत्तीची सांबाळणी. मानव विकासाचे भोवतेक सगले निर्णायक विशय हातूंत आसपावल्यात.

## 5. मानव विकासाची मापणी

मानव विकासाची मापणी करपा खातीर मानव विकास सूचकांक (HDI) मुखावेल्यो गजाली मतींत घेतात. भलायकी (हातूंत भुरगें जल्माक येतना जातल्या मृत्यूंची मेजणी येता), शिक्षण (25 वर्सां मेरेन वा चड वर्सां शाळेंत गेल्ल्या वर्सांची सरासरी/शेंकड्यांतलें प्रमाण. हीं वर्सां शाळेंत प्रवेश करपाचे पिराये पसून शाळा-शिक्षण पुराय करपाचे अपेक्षीत तुलने वयल्यान करतात) आनी

जिणेचो दर्जो वा जिवनस्तर (राष्ट्रीय पावंड्या वयली प्रतिव्यक्ती येणावळ.) संवसारीक पावंड्यार तुळा करपा खातीर ही पद्धत आसता. हाच्याकय चड निकश मतींत घेवं येतात. विशमताय, स्त्री-पुरुशां मदली असमानताय आनी मनशांची गरिबी वा दळिद्री अवस्था असल्या सूचकांकांचो विचार हे मापणेंत करूं येता.

## 6. सहस्त्रकांतल्या विकासाचीं ध्येयां

सूचकांकच पळोवन जावचें ना. मानव विकासाची थोडीं तरी ध्येयां पुराय जावपाचे नदरेन आमची कृती वा कार्य जावंक जाय. त्या खातीर सहस्त्रकांतलीं विकासाचीं ध्येयां (MDGs) थारावप जालें. राष्ट्रसंघांतल्या (United Nations) वांगडी देशांनी 2015 वर्सा मेरेन हीं ध्येयां गांठपाचें मान्य केलें. तांतलीं आठ ध्येयां आनी तांच्यो मोखी अश्यो आशिल्ल्योः गरिबीचें निर्मूळण, संवसारीक पावंड्यार सगल्यां खातीर प्राथमीक शिक्षण, महिला सक्षमीकरण, बालमृत्यू उणे करप, परिसराचे तगावक्षमतेची खात्री करून घेवप आनी मानव विकासा खातीर नवे भागीदार सोदप.

## 7. तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां

सहस्त्रकांतलीं विकासाचीं ध्येयां (MDGs) हांची मुजत सोंपतगीर संवसारभरांतलीं राष्ट्रां आतां तगावक्षम विकासाच्या ध्येयां वटेन चलतात.

राष्ट्रसंघांत (युनायटेड नेशन्स) संलग्न आशिल्ले संवसारांतले 193 देश राष्ट्रसंघाच्या फुडारपणाखाला संघटीत रितीन तगावक्षम विकासाच्या ध्येयां वटेन (SDGs) ध्येयां, मोखी आनी सूचकांक हीं मानून घेवन वावराक लागल्यात. मुखावेल्या 15 वर्सां भितर (2030 मेरेन) संवसारांतल्या लोकां मदली गरिबी ना करप. समेस्त पृथ्वीची राखण करप आनी सगल्यां खातीर समृद्ध जीण मेळोवन दिवप ही विशय-वळेरी आनी धोरण आपणायतले अशी अपेक्षा आसा.

भारता सयत 193 देशांनी सप्टेंबर 2015 त 'आमच्या संवसाराचें परिवर्तनः तगावक्षम विकासाची विशय-वळेरी-2030' हो संवसारीक उदरगतीचो दिश्टावो आपणायला. 2030 ची विशय-वळेरी म्हळ्यार "लोक, पृथ्वी आनी समृद्धी हांचे खातीरची कृती-येवजण" जावन आसा. 2030 चे हे वळेरेंत 17 नवीं तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां (SDGs)आनी 169 मोखी आसात. फुडल्या 15 वर्सांत मनीस जात/मानवता आनी पृथ्वी हांचे विशींच्या आणीबाणीच्या प्रस्नांचेर संवसारीक पावंड्यार वावर चालीक लावप ही तांची मोख आसा. जानेवारी-2016 पसून हीं लागू जाल्यांत. तांची मुजत 2030 मेरेनची जावन आसा.

तगावक्षम विकास, रिओ + 20 (RIO +20) ही संकल्पना 2012 वर्सा राष्ट्र संघाचे परिशदेंत (United Nations Conference) जल्माक आयली. तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां (SDGs)चें यश सहस्त्रकांतल्या विकासाच्या ध्येयांचेर आधारिल्लें आसा आनी सहस्त्रकांतल्या विकासाच्या ध्येयांची (MDGs) प्रगती तांकां शक्य जावं नाशिल्लें कर्तूब पुराय करपाचेर निंबून आसा.

हे विशय-वळेरेच्या बुन्यादी फातराचे लोक, समृद्धी, शांतीकाय, भागीदारी आनी पृथ्वी हे घटक जावन आसात. (People, Prosperity, Peace, Partnership and the Planet)

SDGsच्या थारावाचेर सय करपी देशां मदलो भारत एक देश जावन आसा. म्हण आमच्या देशान तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां (SDGs) ही येवजण राष्ट्रीय पावंड्यार चालीक लावपाचें अशें थारावन वावर सुरू केला. ते नदरेन मुखेलपणान नीती आयोगा वरवीं धोरण दस्तावेज 2030 हातांत घेतला. नीती आयोगाच्या मार्गदर्शना प्रमाण राज्य सरकारांनी SDGs येवजण चालीक लावपाची प्रक्रिया सुरू केल्या. राज्य प्रशासनाच्या पावंड्या वयल्या वावरा वांगडाच थळाव्या प्रशासनाच्या पावंड्यार ही येवजण चालीक लावपाची भोव गरज आसा. हांगा थळाव्या प्रशासनाचें भोव म्हत्व आसा, म्हळ्यार खासा करून ग्राम पंचायतीक चड म्हत्व आसा.

## 8. ग्राम पंचायती आनी SDGs

- भारतीय संविधानान मानिल्लीं पंचायती राज वेवस्थेंतलीं दुहेरी उद्दिश्टां आसात. थळावी अर्थीक उदरगत आनी समाजीक न्याय हीं तीं उद्दिश्टां जावन आसात.
- भारतीय संविधानाच्या इकराव्या परिशिश्टांत अपेक्षा केल्ले प्रमाण पंचायतींचीं जीं 29 कार्यां आसात तांच्या आशयाचे नदरेन प्रभावाखाला येवपी वावरांत ताणीं मुखेल भूमिका घेवची. निश्चित अशे नेम आनी सक्षमताय हांचे नदरेन दरेक राज्यांतल्या थळाव्या प्रशासनांत फरक आसलो तरी तशी भूमिका गरजेची आसा.
- इकराव्या परिशिश्टांत दिल्ले कार्यांचे वळेरेंत चडश्यो SDG मोखी आसपावतात.
- स्वच्छ भारत अभियान, मेक इन इंडिया, डिजिटल इंडिया, स्कील इंडिया आनी जन धन योजना अश्यो तरेकवार मुखेल कार्य येवजण्यो आसात. तांचो उद्देश म्हळ्यार SDGsचो गाभो जावन आसा. तांतल्या चडश्या कार्य-येवजण्यां मदीं थळावें प्रशासन मुखेल भूमिका निभायता.

चौदाव्या वित्त आयोगाचे इतिहासीक शिफारसी प्रमाण ग्राम पंचायत विकास येवजण (GPDP) चालीक लागली. ती येवजण SDGsचे येवजणेचो दुवो कसो वाट दाखयता.

पंचायतीराज मंत्रालयान (MoPR) SDGsचे पूर्तताये खातीर धोरणात्मक दस्तावेजाचो मसुदो तयार केला. ताचो उद्देश SDGsचें थळावीकरण जावन आसा. त्या मसुद्यांत SDGs आनी केंद्र सरकारान प्रायोजीत केल्ल्या येवजण्यां मदीं (CSS) पंचायतींची भूमिका सांगल्या.

SDGs चे पूर्तताये खातीर येवजण्यो आंखपा खातीर पंचायतींक सक्षम करप. निधी शोशून घेवन आनी सेवा पावोवपांत सुदारणा हीं पंचायतींक संबंदीत अशीं आव्हानां आसात. SDGs च्यो मोखी सामक्यो स्पश्ट करून सांगप हें म्हत्वाचें आसा. तातूंत येवजण्यांचे नदरेन थळाव्या प्रशासनाचो दृश्टकोण आनी त्यो थळाव्यो येवजण्यो कश्यो चालीक लावच्यो हें तांकां कळप म्हत्वाचें.

तगावक्षम विकास




## हाका जगाचें परिवर्तन अशें म्हणटात: तगावक्षम विकासाचें 2030 चें धोरण.

### 17 तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां (SDGs)






## तगावक्षम विकासाचें ध्येय-1

### सगल्या कडांनी आशिल्ली सगल्या तरांची गरिबी सोंपोवप

# गरिबी नाशिल्ले ग्राम पंचायतीचे दिकेन

### 1. परिचयः गरिबीक विविधांगी परिमाणां आसतात

गरिबी निवारण हें जगांतल्या कठीण आव्हानां मदलें एक आव्हान जावन आसा.

गरिबे आडच्या ह्या प्रदीर्घ झुजांत अजून आमकां यश मेळिल्लें ना. त्या विशीं आमी कितें करूंक शकतात तें पळोवया.

गरिबी म्हळ्यार भोव परिमाणां आशिल्ली परिघटना. तिका खूबशीं अर्थीक, समाजीक, स्त्री-पुरुश असमानताय आनी हेर वंचीत करपाच्यो करण्यो कारणीभूत आसतात. गरिबी आनी बेरोजगारेच्यो समस्या परस्परां कडेन जुळिल्ल्यो आसतात. म्हण त्यो सोडोवपाक निश्चित अशी कृती येवजण गरजेची आसता. तगावक्षम रोजगार आनी गरिबी निवारण करपा खातीर आमकां मनशांच्या रूपांतल्या भांडवलाची गुंतवणूक करप गरजेचें आसा. अशे गुंतवणुकेचे नदरेन आमच्या नागरिकांक मुखार दिल्ल्यो गजाली उपलब्ध जातल्यो हाची खात्री करूंक जायः

अ) शिक्षण- आमचीं सगलीं भुरगीं शाळेंत वतलीं आनी अर्दार शाळा सोडचीं नात हाची खात्री करूंक जाय. हाचोच अर्थ म्हळ्यार ग्राम पंचायतींत ह्यो मुळाव्यो सुविधा म्हळ्यार शिक्षक, पुस्तकां, रस्ते आनी शाळांनी प्रसाधनगृहां आसात आनी तीं चालू स्थितींत आसात हाची खात्री करून घेवप.

आ) भलायकी - पिडेस्त जिणेक लागून संसाधनां व्हाळा वरी व्हांवन वतात. रोजगाराची लुकसाणी आनी वैजकी उपचाराचो खर्च आसपत आशिल्ल्या घराब्याक निराशिरीत करून सोडटा.

इ) घर-बांदणी, नितळावणी, समाजीक सुरक्षा- ह्यो मुळाव्यो सेवा-गरजो. तांचो परिणाम आरोग्य, समृद्धी आनी अनिवार्यपणान गरिबेचेर जाता.

ई) रोजगाराच्यो संदी - मजुरांची पतपेढी, यांत्रिकीकरणा खातीर कुशळ शेतकामती तयार करप अश्या मार्गांनी रोजगाराच्यो संदी तयार करूं येतात.

उ) काटकसर आनी पत, ल्हान प्रमाणांत अर्थीक मदत, बँकेंत खातें उगडप आनी बँकां कडेन संबंद जोडप - उण्यांत उण्या वेळा भितर ल्हान उद्येग वा प्रकल्पां खातीर अर्थीक मदत मेळप अदीक सोपें आनी सुटसुटीत जातलें. हाचो म्हत्वाचो परिणाम म्हण गांवांत ल्हान रीण दिवपी सावकार ना जावंक पावतले. हाचो सामको दृश्य परिणाम म्हळ्यार ग्रामीण वाठारांतली गरिबी उणी जावंक पावतली.

ऊ) जमनीची निर्मणी क्षमताय सुदारप - ताका लागून सुरक्षीत आनी पौश्टीक अन्नाची उपलब्धताय जातली आनी पर्यायान गरिबांचे भलायकेंत आनी येणावळींत सुदारणा जातली




वयर सांगिल्ल्यांतल्यो कांय गजाली वा सगल्यो जर मेळूंक शकल्यो तरी कांय हेर पयसुल्ल्यो गजाली आसतल्योच. त्या खातीर अनुसूचीत जाती आनी जमाती आनी बायल मुखेली आशिल्ले घराबे, ल्हान भुरगीं आशिल्ल्यो वा निराधार विधवा बायलो, अपंगूळ आनी मानसीक नदरेन अपंगूळ व्यक्ती, दीर्घकालीन पिडेस्त आनी दुयेंत/ हांतुणारच आशिल्ल्यो व्यक्ती हांचें सगल्या आघातक्षम घटकांची म्हायती घेवपा खातीर सर्वेक्षण करूंक जाय.

आमच्या गांवांतल्यान गरिबेचें निर्मूळण करप हें आमचें सपन आसा न्हय? थळावें गांवचें प्रशासन म्हण ग्रामपंचायतीक ह्या संबंदान आपली भूमिका आनी जापसालदारकी हांची खात्री करूंक जायशी दिसना?


## 2. ग्राम पंचायतच कित्याक?

भारतीय संविधानाचे ७३ वे दुरुस्तेंतल्या इकराव्या परिशिश्टा वरवीं गरिबी उणी करपाची कार्यावळ, समाज कल्याण (हातूंत विशेश क्षमतायेच्यो व्यक्ती आनी मानसीक नदरेन अपंगूळ आशिल्ल्या व्यक्तींचें कल्याण आसपावता), दुर्बळ घटक, अनुसूचीत जाती आनी जमाती हांचें कल्याण आनी असले वट्ट २९ विशय ग्राम पंचायतीं कडेन हस्तांतरीत केल्यात. ग्राम पंचायतींची भूमिका आसा अशीं आनीक खूबशीं क्षेत्रां आसात. तातूंत गरिबी निवारण करपाची भोव क्षमताय आसा.




| गरिबी उणी करपाचे कार्यावळींत ग्राम पंचायती (GPs) असो वावर करूंक शकतात | |
|---|---|
| सोंपें करप | • समाजीक सुरक्षेचे उपाय आनी येवजण्यांत रिगाव करपा खातीर.<br>• कार्यकुशळ तरेन मनरेगा (MGNREGS)चो वावर चालीक लावंक.<br>• कुशळटाय प्रशिक्षण. उद्येजकता विकास, रोजगार, स्वयं सहाय्य पंगड घडोवप, हांतल्यान येणावळ वाडोवप, ल्हान प्रमाणांतलीं रिणां मेळोवन दिवपाच्या अर्थीक येवजण्यांत रिगाव, शेतकाम आनी पशूपालन ह्या वेवसायांत कुशळटाय वाडोवप.<br>• जमनीची निर्मिती क्षमताय सुदारप - शिंपणावळ, दर्जेदार बियाणीं, जैवीक सारें, नव्या फावोश्या तंत्रज्ञानाचो सोद घेवप.<br>• मुळाव्या सेवा-सुविधांत रिगाव - घर बांदणी, पिवपाचें उदक, नितळावणी, वीज पुरवण, इंधन/जळव, शिक्षण, शाळांत मध्यान आहार/उपार. |
| लोक-सहभागाचो पत्कर घेवप - | • कुशळटाय आनी रोजगार हांच्या खातीरच्या गरजांचो आढावो.<br>• गरीब, निराशिरीत आनी कसल्याय सैमीक धपक्याक वा आपत्तीक आघातक्षम आशिल्ले लोक सोदप.<br>• समाजीक सेवां मदीं गुणवत्तेचे नदरेन जाल्ल्या सुदारणांचो लाब मेळप आनी त्यो आंखपा खातीर रिगाव.<br>• निराशिरीत आनी आघातक्षम लोकांची जतनाय आनी सुरक्षेचे नदरेन परिचालनाची पद्धत तयार करप/स्वीकारप ह्या वावरांत रिगाव.<br>• ग्राम पंचायत विकास येवजणे (GPDP) खाला आशिल्ल्या निधीचें परिवर्तन. |

## 3. ग्राम पंचायतींत गरिबी निवारणाची येवजण कशी सुरू करूंया?




### 3.1. गरिबी निवारणाची येवजण आंखतना आमची ग्राम पंचायत खंयच्या मुद्यांचेर भर दिवंक शकता?

- गरिबी निवारण करपा खातीर आघातक्षम लोकांची समाजीक आनी अर्थीक जोखीम उणी करूंक जाय. तातूंत बेरोजगारी, पोटभर अन्न मेळप ना, इबाडिल्ली भलायकी आनी अपंगूळपण हीं उणीं करून तसल्या लोकांची असल्या जोखमींक तोंड दिवपाची क्षमताय वाडोवपाचे नदरेन वेवस्थापन करप.
- खास करून गरीब आनी आघातक्षम व्यक्तींक मुळाव्यो सेवा आनी सुविधा, सैमीक संसाधनां, वित्तीय आनी अर्थीक सेवा हातूंत रिगाव मेळटलो हाची खात्री करून घेवप.
- सगल्या लोकांक, खासा करून गरीब आनी आघातक्षम लोकांक समाजीक जतनाय आनी समाजीक सुरक्षेचें जाळें (नेटवर्क) मेळटलें हाची खात्री करून घेवप.

**हीं आमचीं ध्येयां आसूंक फावतात**

### 3.2. आमी आमचीं ध्येयां साध्य करपा खातीर आमच्यो मोखी कश्यो थारावच्यो?

हीं जर आमचीं ध्येयां आसात, जाल्यार तीं केन्ना मेरेन साध्य करपा खातीर खंयचे गजालींची निश्चितपणान आंखणी करची पडटली? आमचे ग्राम पंचायतीच्यान मुखार दिल्ल्या गजालींतल्या कांय गजालींची आंखणी करूं येत?

| | | |
|---|---|---|
| मुखार दिल्ल्या येवजण्यांचो लाब घेवपाक पात्र आशिल्ल्यो व्यक्ती निश्चित करप- समाजीकसुरक्षेच्यो येवजण्यो (जाणटेपण निवृत्ती वेतन, विधवा निवृत्ती वेतन, अपंगूळ निवृत्ती वेतन आनी हेर) आनी जिविका येवजण्यो - देखीक मनरेगा (MGNREGS). | आघातक्षम अशे सगले लोक PDS (सार्वजनिक वितरण येवजण) आनी ICDS आनी हेर समाज कल्याणाच्या येवजण्यांखालाआयल्यात /घेतल्यात हाचीखात्री करून घेवप. | उद्येजकताविकासआनी उद्येगी व्यक्ती वापंगड हांकां आपलें मुळावण घालपाकआदारदिवनयेणावळ वाडोवपाक उत्तेजन दिवप. |
| अर्थीक सेवा-सुविधांक रिगाव मेळपाची खात्री करून घेवप. त्या खातीर कोणाकोणाक आधार, आरोग्यका र्ड, बँकेंत खातें उगडूंक जायअस ल्या लोकांचो आंकडो मेळोवप. | कृषिकाम आनी पशू पालनाकडेन संबंदीत कामगारांची तंत्रज्ञाना विशींची कुशळटायवाडोवपाचीखात्री करून घेवप आनीत्या वरवीं शेत-पिकाचो दर्जो वाडोवप. | घरदारनाशिल्ले लोक, घराबो चलोवपी बायलो, दीर्घ कालीन पिडेस्त. हांतूण धरिल्ल्यो व्यक्ती, त्याच प्रमाण शारिरीक वा मानसीक अपंगूळ अश्यो व्यक्ती, आघातक्षम व्यक्ती वा घराबे ज्यांकां कसलोच आदार ना, अश्या लोकांची चडांत चड जतनाय घेवन तांकां सुरक्षेचीपुरवण करप हे नदरेन खात्री करून घेवप. |
| भलायकी, नितळसाण आनी पोशण हांच्या संबंदान आशिल्ली प्रवृत्ती बदलपा खातीर उत्तेजन दिवपाकखर मोहीमहांतांत घेवपाची रणनीती थारावप. | शाळांत वचपाचेपिरायेचीं सगलीं भुरगीं शाळांनी वतातआनी तींमदीं शाळा सोडनात हाची खात्री करून घेवप. त्यासगल्या भुरग्यांक शिश्यवृत्ती, पाठ्यपुस्तकां, गणवेश आनी शाळेंत वचपा खातीरचेयेरादा रेचीवेवस्था चालंत आसा हाची खात्री करून घेवप. | |

**म्हंटगीर, हांचेर आदारून आमी आमच्यो मोखी विकसीत करूंक शकतात. मोखीं खातीर निश्चित काल मर्यादा थारोवन आमच्यांनी वावर चालीक लावं येता!**

## 3.3. ग्राम पंचायत कितें करूंक शकता? कृती करपाचे मुद्दे

- पंचायत समिती आनी हेर समाज-स्वयंसेवक हांचे कडेन भासाभास करून 'गरिबी' हें उतर खोलायेन समजून घेवपा खातीर पावलां उखलप.
- 'आशा' वावुरपी (ASHA workers), आंगणवाडी वावुरपी आनी शाळांतले शिक्षक हांच्या माध्यमांतल्यान गरीब आनी आघातक्षम लोकां खातीर आशिल्ल्या तरेकवार येवजण्यांची म्हायती सगल्यां मेरेन पावोवप.
- स्वयं सहाय्य पंगडांची स्थापणूक जावप, तांणीं हांतांत हात घालून वावर करप आनी तांकां प्रशिक्षण दिवप ह्या वावरा खातीर आदार दिवन उत्तेजन दिवप.
- समाजीक-अर्थीक जातीची जनगणना (SECC) हांतूंतले म्हायती प्रमाण चडश्या सोयी-सुविधां पसून वंचीत आशिल्ल्या गरीब लोकांक सोदून आनी तांची वळेरी करून तिचें वैधकरण करप.

- गरीब, निराशिरीत आनी आघातक्षम अशे लोक कोण हें थारावपा खातीर निकश वा मापदंड थारावन ते विकसीत करप.
- तांकां सोदून काडपा खातीर आनी तांच्या गरजांचो अदमास घेवपा खातीर तांच्या वांगडा रावन सर्वेक्षण करपा खातीर (Participatory Survey) पावलां मारप.
- तांचे निवड प्रक्रियेंत/तांकां लाब मेळोवन दिवपाच्या वावरांत पारदर्शकताय आसतली हाची खात्री करून घेवप.
- ग्राम पंचायती खातीर ध्येयां आनी मोखी थारावप.
- गरजांचो अदमास, ध्येयां आनी मोखी हांच्या आदाराचेर समावेशक अशी कार्यावळ विकसीत करप.
- सगल्यो सेवादिण्यो संस्था, तांच्यो कार्यावळी आनी येवजण्यो आनी जमाती/समाज हांची सांगड घालप



शाळेंत वचपाचे पिरायेचीं सगलीं भुरगीं शाळेंत वतात आनी कोणेंच शाळा सोडिल्ली ना.

- सार्वजनीक वितरण वेवस्थेंत (PDS) नोंदणी करपाक आदार दिवप.
- वावराचेर देखरेख करपी यंत्रणा विकसीत करप.

## 4. संसाधनांची प्रतीक्षा

- दीन दयाळ अंत्योदय योजना (DAY-NRLM)
- मनरेगा (MGNREGS)
- दीन दयाळ उपाध्याय ग्रामीण कौशल्य योजना (DDU-GKY)
- राज्य गरिबी निवारण मोहीम
- राष्ट्रीय समाजीक साहाय्य कार्यावळ (NSAP)
- प्रधान मंत्री आवास योजना (PMAY)
- सार्वजनीक वितरण वेवस्था (PDS)
- राष्ट्रीय स्वास्थ्य बिमा योजना (RSBY)
- स्वच्छ भारत मिशन (SBM)
- दीन दयाळ उपाध्याय ग्राम ज्योती योजना
- राज्य सरकार आनी केंद्र सरकाराच्यो हेर येवजण्यो

## 5. आमकां तेंको दिवपी लोक/मनशां

स्वयं साहाय्य पंगड (**SHGs)** आनी तांचे महासंघ, साक्षरता वावुरपी, आशा (**ASHAs)** शिक्षक, राष्ट्रीय ग्रामीण जिविका अभियान (**NRLM),** समाजांतल्यो संसाधन व्यक्ती (**CRPs)** आंगणवाडी वावुरपी, रोजगार सेवक**.**




**शाळेंत वतल्या सगल्या भुरग्यां खातीर दर्जेदार माध्यान आहार मेळटलो हाची खात्री करून घेयात**

## 6. एक उदाहरण

जर ग्राम पंचायतीन निराशिरीतांची जतनाय आनी पुनर्वसन करपाची येवजण हातांत घेतली जाल्यार फुडें दिल्यात तशे तरेचे उपाय घेवप जातलें:

- स्वयं साहाय्य पंगडांक हे कार्यावळी विशीं शिटकावप.
- निराशिरीत आनी आघातक्षम घराब्यांचो प्राथमीक पावंड्यार सोद घेवपा खातीर संकेतक (indicator) विकसीत करप.
- सहभागी सर्वेक्षणा खातीर स्वयंसेवकांची निवड आनी तांकां प्रशिक्षण.
- सामके पात्र आशिल्ल्यांची निवड करपा खातीर संकेतकांचो दुसरो सट विकसीत करप.
- शाळेंत वतल्या सगल्या भुरग्यांक दर्जेदार माध्यान आहार मेळटलो हाची खात्री करून घेवप.
- विकसीत केल्ल्या संकेतकांचो वापर करून सगल्यां मदीं चड पात्रताय/गरज आशिल्ल्यांची निवड करप.
- अशी निवड केल्ल्यांची वळेरी ग्राम सभेंत जाहीर करप.

- असुरक्षीत घरांचो विशिश्ट वस्तुगत अभ्यास (case-study) करपा खातीर स्वयंसेवकांची निवड आनी तांचें प्रशिक्षण.
- दरेके व्यक्तीच्या/घराब्याच्या तरेकवार क्षेत्रांशांतल्या गरजांची मोलावणी - जशी घर बांदणे विशीं, उदका पुरवणे विशीं, नितळावणी, वीज पुरवण, अन्न, वैजकी जतनाय, येणावळ, भुरग्यांचें शिक्षण, समाजीक सुरक्षा, समुपदेशन आनी हेर विशिश्ट वस्तुगत अभ्यास करप.
- दरेका मनशा खातीरचो विकास प्रकल्प.
- ग्राम सभेंत तांचो अहवाल परिस्थितीजन्य विश्लेशण म्हण सादर करप.
- व्यक्तीगत प्रकल्प सामान्य प्रकल्पाच्या रूपांत एकठावप.
- तो एकठावीत प्रकल्प ग्राम पंचायत विकास येवजणेंत (GPDP) आसपावप.
- फावो तो निधी आनी कार्यावळ हांचे एकवटावणेची (एककेंद्रीतपणाची) खात्री करून घेवप.
- स्वयं साहाय्य पंगडांचो महासंघ पंचायत पावंड्याचेर हे कार्यावळीची देखरेख करता हाची खात्री करून घेवप.

## 7. तगावक्षम विकासाच्या ध्येयां कडेन हो प्रयोग कसो जुळटा?

तगावक्षम विकासाचें ध्येय-1 सगळ्या कडांनी आशिल्ली सगळ्या तरांची गरिबी सोंपोवप.



## 8. विश्वव्यापक मोखी

- राष्ट्रीय पावंड्यार योग्य अशी समाजीक सुरक्षा वेवस्था आनी सगल्यां खातीर उपाय चालीक लावप आनी 2030 वर्सा मेरेन गरीब आनी आघातक्षम अश्या चडांत चड लोकांक आसपावन घेवप.
- 2030 मेरेन खासा करून गरीब आनी आघातक्षम अश्या सगल्या दादल्यांक आनी बायलांक समान अर्थीक आनी सैमीक संसाधनांचे हक्क मेळटले हाची खात्री करप आनी मुळाव्या सेवा-सोयी-सुविधांत, त्याच प्रमाण जमीन आनी हेर रूपांतली मालमत्ता हांची मालकी आनी ताबो, वारसो हक्क, फावोशें नवें तंत्रज्ञान आनी ल्हान प्रमाणांतल्यो अर्थीक सेवा धरून वित्तीय सेवा हातूंत सगल्यांक रिगाव मेळ्ळा हाची खात्री करून घेवप.
- वातावरणा कडेन संबंद आशिल्ले प्रसंग आनी हेर वित्तीय, समाजीक आनी वाठाराचे धपके आनी आपत्ती हांची शक्यताय उणी करून आनी तांचे आघातक्षम परिस्थितींत फावो तशे बदल घडोवन गरीब आनी आघातक्षम व्यक्तींची 2030 वर्सा मेरेन जिणेंतली खुशालकाय वाडटली अशें पळोवप.

**आतां तुमचे ग्राम पंचायतीन थारायिल्लीं ध्येयां आनी मोखी पळयात –** तुमी विश्वव्यापी ध्येयां आनी मोखी हांचे खातीर योगदान दितात. तो वावर जावन आसा सगल्या कडांनी आशिल्ली सगल्या तरांची गरिबी सोंपोवप. समाजीक सुरक्षा वेवस्था चालीक लावप आनी खासा करून गरीब आनी आघातक्षम अश्या सगल्या लोकां खातीर उपाय करप.

तुमचे ग्राम सभेक गतिमान करात, तुमचे पंचायतीच्यो निश्चित अश्यो मोखी थारायात, सरकारी आनी बिन-सरकारी एजन्सीं कडेन समन्वय करात, केंद्र सरकार आनी राज्य सरकाराच्या तरेकवार येवजण्यांतल्यान संसाधनां सोदून काडात. समाजांत ह्यो सेवा-सुविधा पावतल्यो हाची खात्री करून घेयात.

तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां गांठपा खातीर फुडारी जायात!




## तगावक्षम विकासाचें ध्येय-2
### भूक सोंपोवप, अन्न सुरक्षा आनी पोशण सुदारप आनी तगावक्षम शेतकामाक फाटबळ

# भूक मुक्त ग्राम पंचायत

### 1. परिचयः तगावक्षम शेतीचो उदेव होच भुकेचेर उपाय

मनीसजातीन वाठारांतल्या तरेकवार घटकांचो नाजूक असो ताळमेळ राखून आपणे थारायिल्लो दाणोगोटो मेळटलो हाची खात्री जातगीर मनशान शेतकामाक वेंग मारली.






जेन्ना परिसरा कडलो ताळमेळ सुट्टा भुकेचो प्रस्न, तेन्ना अन्न सुरक्षा आनी कुपोशण हे प्रस्न उप्रासतात. वातावरण बदलाची परिस्थिती आनी जागतिकीकरण हांच्या संदर्भांत आमच्यांनी ही परिस्थिती कशी जाग्यार घालूं येत? सूर्य प्रकाश, वारो आनी दमट वातावरणाचो ताबो राखप शक्य नासता. पूण उदक आनी पोशक घटक, अन्नाची निर्मणी हांच्या फावोश्या वापरा वरवीं हाचेर परिणाम करपा इतलो आजापाचो बदल घडूंक शकता

पूण बाजारांतले चडाव-उतार हे सगले यत्न इबाडटात. पीक-पिकावळी उपरांत त्या पिकाचें वेवस्थापन करपा खातीर भाजीपालो, फळां, दूद, मांस, तांतयां, नुस्तें, हीं सांठोवपा खातीर कोल्ड स्टोरेजा सारकीं संसाधनां आनी सोयी खूब म्हत्वाच्यो आसतात. तांचो दर्जो वाडोवपा खातीर फळांचो लगदो करप, भाजीपालो सुकोवप, प्रक्रिया केल्लो दाणो-गोटो पाकिटांत बंद करप, दाळ, कड्डण आनी मसाले भरसून ते वापरा खातीर तयार करपाक चड भांडवल वा तंत्रीक ज्ञानाची गरज नासता. दर्जो वाडोवपाच्यो ह्यो गजाली आनी कोल्ड स्टोरेजा सारक्यो सामक्यो गरजेच्यो सोयी मेळ्ळ्यार, अदमासा भायली बाजाराची परिस्थिती आयल्यार सुद्धां तिचेर मात करूं येता.

आमच्यांनी तरेकवार मार्गांनी अन्न सुरक्षा आनी पोशणाची खात्री दिवं येता. शेतकामांतली सुदारणा आनी गांवांतली अन्न सुरक्षा सुदारपाचीं साधनां आनी कांय उपाय मुखार दिल्यातः

अ) ठिबक शिंपणावळ आनी बिनचूक शेतकाम हांच्या वरवीं उदकाचो शास्त्रीय पद्धतीन वापर करपाची खात्री करून घेवप!

ब) पिकांचेर धाम येवं नये म्हण trichogramma सारक्यो उपकारी कृमी/किटक आनी pseudomonas सारक्या इश्टागतीच्या जंतूंची (बॅक्टेरिया) जतनाय घेवन ते वाडोवप, जैवीक

सारीं वापरप, आलटून-पालटून तरेकवार पिकां काडप अश्या तरांनी फावो तशें वातावरण निर्माण करप. ताका लागून हाचो परिणाम म्हण भोव पौश्टीक अन्न आनी फावोसो परिसर मेळून पिकांवेल्या रोगांची धाम उणी जावन खर्चय वांचतलो.

क) पॉली हावस, ग्रीन हावस, शेड हावस आनी हेर आधुनीक यंत्रणांचो वापर करचो. ताका लागून सूर्यप्रकाश, पावस, वारो, दमट आनी किडीची धाम हांकां आळाबंद करूं येता. हाचो परिणाम म्हण थारायिल्ले जमनींतल्यान उण्या प्रयत्नांनी दर्जेदार आनी चड प्रमाणांत अन्नाची निर्मणी जातली.

ड) शेत-कामगाराचे हक्क सांबाळून, फावोशे येणावळीचें विस्वासपूर्वक उतर दिवन, समाजीक सुरक्षा आनी प्रतिश्ठा दिवन कृषी क्षेत्रांत यांत्रिकीकरण चालीक लावप. उणो पगार आनी स्वाभिमानाचो प्रस्न अश्या कारणांक लागून शेत-कामगारांचे उणाव जावंक लागला. ही परिस्थिती तगावक्षम कृषी क्षेत्रा खातीर चड म्हत्वाची जाल्ली आसा.

इ) जमीन पेडयेची (Land bank) स्थापणूक करची. जे जमीन मालक शेत रोवंक सोदनात वा जमीन पडंग दवरतात त्यो जमनी लागवडी खाला हाडपा खातीर असल्या जमीन पेडयांचो वापर करूं येता.

ई) पशूपालनाचो उपेग - गायो-म्हशी, बोकडां, कुकडां - तांचें शेण, मूत हांचो सारें म्हण वापर करप, पिकांवेल्या धामींचेर उपाय म्हण वापरप आनी भुरगीं-बाळां, तरणाटीं, गुरवार आनी भुरग्यांक आंगार दुदाक धरपी बायलो त्याच प्रमाण जाणटे हांकां भरपूर सत्वयुक्त आनी पौश्टीक अन्नाची खात्री मेळोवन दिवप.

उ) पिकावळ येतगीर तिचें वेवस्थापन - भाजीपालो, फळफळावळ, दूद, णांस, तांतयां, नुस्तें हांचे सांठवणे खातीर कोल्ड स्टोरेजाची पुरवण.

ग्राम पंचायत वाठारांतल्या लोकांनीच गांवांत पिकतल्यो वस्तू पुरायेन वापरल्यो/सोंपयल्यो जाल्यार बाजारांतल्या मोलांच्या चडाव-उताराचेर तो उपाय थारतलो. असली अर्थ-वेवस्था आनी कृषी-वेवस्था आसल्यार भविश्यांतलीं चडांत चड वादळां आमी थोपोवंक शकतले आनी आमच्या लोकांक भूक आनी कुपोशण हांचे पसून मेकळे करूंक शकतले. ह्या वावरांत भर म्हणून कुपोशण आडावपा खातीर आमच्यांनी म्हायती - शिक्षण - कळोवणी ही पद्दत (IEC) फावो तशी वापरूंक येतली. तांतल्यान लोकांक सार्वजनीक वितरण वेवस्था (PDS), भुरग्याक आंगार दुदाक धरपाक उत्तेजन दिवप आनी तरणाटे आनी गुरवार आवयो हांच्या पोशणाचो दर्जो सुदारप आनी जाणटे तेच परी गरीब लोकांक थेट अन्न पावोवपाच्या येवजण्यांचो वापर करप.

सुदारीत पोशण वेवस्था आनी सगल्यां खातीर अन्न सुरक्षा आशिल्लो गांवच भूक-विरयत आसतलो असो आमी विचार करूंक शकतात न्हय? गांवचें प्रशासन/सरकार म्हण ग्राम पंचायतीक ह्या वावरांची खात्री दिवंक भूमीका आनी जापसालदारकी आसा अशें दिसना?

## 2. ग्राम पंचायतच कित्याक?

वयर सांगिल्ल्यो सगल्यो गजाली/मुद्दे/विशय भारतीय संविधानाचे 73वे दुरुस्तेंतल्या इकराव्या परिशिश्टाप्रमाण ग्राम पंचायतीक लागू पडटात. कृषी (कृषी विस्तारणी आनी सुदारणा, भूंय सुदारणांची अंमलबजावणी, भूंय एकठावणी आनी माती तिगोवणी, ल्हान शिंपणावळी, उदकाचें वेवस्थापन आनी उदकाच्या प्रभावाखाला आशिल्ल्या वाठारांचो विकास, ह्या वावरा सयत) आनी पशूपालन (दुदा धंदो आनी कुकड पालन, ल्हान उद्येग आनी अन्नाचेर प्रक्रिया करपी उद्देग) हे कांय विशय ग्राम पंचायतीच्या आंवाठांत येतात.




| भूक मुक्त ग्राम पंचायत जावपा खातीर ग्राम पंचायतीच्यान मुखार सांगिल्ल्यो गजाली करूं येतात. | |
|---|---|
| नोंदणी करप | • सार्वजनीक वितरण वेवस्थे खाला आशिल्ले घराबे.<br>• भुरगीं, गुरवार बायलो आनी तरणाट्यो चलयो ज्यो एकठावीत बाल विकास येवजणे खाला (ICDS) येतात. |
| खात्री करून घेवप | • 6 वर्सां सकयल्या भुरग्यांची वाड कशी जाता ताचेर देखरेख करप.<br>• एकठावीत बाल विकास येवजणेचे (ICDS) पूरक कार्यावळी खाला येवपी गुरवार आनी भुरग्यांक दुदाक धरपी बायलो, तेच भशेन तरणाट्यो चलयो हांकां आसपावप.<br>• शाळांनी दर्जेदार माध्यान आहार. |

| | |
|---|---|
| | • 3 वर्सां सकयलीं भुरगीं, गुरवार आनी भुरग्यांक द्दाक धरपी बायलो हांकां रेशन घरा पावोवप.<br>• जैवीक शेतकामाच्या उत्पादनाच्या बाजाराक तेंको दिवप<br>• माती परिक्षण कार्डांतल्यो **(Soil Health Card)** सुचवण्यो मानून घेवपा खातीर शेतकामत्यांक सादूर करप.<br>• शेतकामती बायलांक सोदून काडून तांकां तरेकवार येवजण्यां खाला धारक-तांक वाडोवपाक आनी फायदो मेळोवन दिवपाक प्राधान्यक्रम दिवप. |
| वेवस्था उबारात | • म्हायती, शिक्षण आनी कळोवणी **(IEC)** धोरण. ताचो उपेग पोशणा विशीं शिक्षण आनी शेती विशींच्या सुदारणांचें धोरण थारावपाक जावं येता.<br>• निराशिरीत आनी जाणटेल्यांक खात्रीन पोशणा विशीं समाजाचो तेंको मेळपाची वेवस्था.<br>• ल्हान प्रमाणांत उत्पादन घेवप्यां खातीर समावेशक उत्पादन येवजण.<br>• वातावरणांतलो बदल स्वीकारपाची समुदायांची तांक. |
| प्रोत्साहन दियात | • समुदायांच्या पोशणाचो दर्जो वाडोवपा खातीर बाळकांक आंगार द्दाक धरप.<br>• पोशणयुक्त अशें अन्न गांवांतच उपलब्ध करप.<br>• शेतकामती आनी ल्हान प्रामाणार अन्नाचें उत्पादन करप्यांक खुशालकाय दिवपी अश्यो सोप्यो शिंपणावळीच्यो पद्दती- ठिबक-शिंपणावळ, स्प्रिंकलर्स आदी - वापरपाक सुचोवप, शिटकावप. |




म्हंटगीर, आमी आमच्यो मोखी अशें तरेन विकसीत करूंक जातात! मोखी म्हंटगीर तांकां वेळेचें बंधन थारावन, तो वेळ मेरेन आमची मोख पुराय करूंक जाय!

| | | | |
|---|---|---|---|
| दिल्ल्या वेळा भितर थरावीक प्रमाणांतले शेतकामती थंयच्या वातावरणांतलो बदल बादिकारक जायना अशीं आनी थंयच्या परिसराक फावोशीं पिकां, बियाणीं, तरवो हांचो वापर करतले हाची खात्री करून घेवप. | थरयिल्ल्या वर्साभितर कामगारांच्यो थराविकच पेडयो (Labour Banks) घडोवन यांत्रिकीकरण सुरू करप | ग्राम पंचायतींत उदकाची उत्पादन क्षमताय वाडोवपा खातीर निश्चित आनी बिनचूक अशी शेती आनी त्या खातीर ठिबक शिंपणावळी सारकें जाय तितले शिंपाणावळीचें तंत्रज्ञान विकसीत करप | थरावीक कालावधींत थळाव्या लोकांमदल्या थरावीक प्रमाणांतल्या लोकांनी गांवांत तयार जाल्ल्या/ मेळिल्ल्या पौश्टीक अन्नाचो उपेग करप |
| थळावे लोकसंख्ये मदल्या थरावीक प्रमाणा वयल्या लोकांनी गांवांतच मेळपी पौश्टीक अन्न खावप.<br>- सगल्या शाळांतल्यान माध्यान आहार मेळटा हाची खात्री करून घेवप. | थरिल्ल्या वर्सा भितर आघातक्षम व्यक्तींचें थरावीक प्रमाण PDS आनी ICDS तेच परी हेर राज्य आनी केंद्र सरकाराच्या येवजण्यां खाला आसपावीत जालां हाची खात्री करून घेवप. | कृषी उत्पादनाचो दर्जो वाडोवपी अश्यो सोयी-सुविधा आनी माल सांठोवपाची फावो तितली आनी तशी वेवस्था करप. | कृषी उत्पादकां मदल्या थरावीक प्रमाणावेल्या उत्पादकांनी प्रतिकूल परिस्थितींत सुद्धां उण्या खर्चा भितर चड आनी स्वच्छ तेच परी दर्जेदार अन्नाची निर्मणी करपा खातीर पॉली हावस, ग्रीन हावस अश्यो नव्यो पद्दती आपणावप. |
| उण्या खर्चा भितर पौश्टीक अन्न आनी नितळ परिसर मेळपा खातीर आलटून पालटून तरेकवार पिकां घेवपा खातीर उपकारी अश्या कृमी, किटक आनी बॅक्टेरिया हांचो वापर करून पिकां वयले किडीचें/ धामीचें एकठावीत वेवस्थापन करप. | उण्या मोलांत पौश्टीक अन्न आनी नितळ परिसराचो परिणाम सादपा खातीर थरावीक प्रमाणांतल्या शेतकारांनी चडांत चड जैवीक सार्‍यांचो वापर करून एकठावीत अशें पौश्टीक अन्नाचें वेवस्थापन करप. | जाण्टीं मनशां, गुरवार आनी भुरग्यांक आंगार दुदाक धरपी बायलो, तरणाट्यो चलयो, 5 वर्सां सकयलीं भुरगीं आनी बाळकां हीं IEC धोरणांतल्या पौश्टीक अन्ना विशींच्या शिक्षणाची मोख आसा. | उणी आनी जाय तशी पडंग जमीन दवरपाचे नदरेन पिकावळीचे वट्ट जमनीची थरावीक टक्के जमीन लागवडी खाला येतली हाची खात्री करून घेवप. |

## 2.2. ध्येयां गांठपा खातीर आमी मोखी कश्यो थारावप?

ह्यो जर आमच्यो मोखी आसात जाल्यार त्यो केन्ना पुराय करपाच्यो हाच्या खातीर खंयच्या निश्चित गजालींची आंखणी करूंक जाय? आमची ग्राम पंचायत मुखार दिल्ल्यो गजाली आंखूंक शकता?

म्हंटगीर, हांचेर आदारून आमी आमच्यो मोखी थारांवक शकतात! मोखीं खातीर निश्चित अशी काल मर्यादा थारावन आमी वावर चालीक लावं येता!

## 2.3. ग्राम पंचायत कितें करूंक शकता? कृती करपाचे मुद्दे

- ग्राम सभेंत शास्त्रशुद्ध शेतकामाच्यो शक्यतायो आनी त्या विशींच्यो येवजण्यो हांच्या संबंदान म्हायतीचो प्रसार करप.
- गांवांतल्यो मुखेल अश्यो संसाधन व्यक्ती सोदप/थारावप आनी तांकां कृषी पद्दतीं विशीं भरपूर म्हायती आनी प्रशिक्षण दिवन सक्षम करप.
- तगावक्षम कृषी वेवस्थे खातीर तरेकवार लोकांचे गट, जशे - शेतकामत्यांचो गट, कामगारांचे गट, स्वयं सहाय्य गट (SHGs) आनी तरण्या धडाडेच्या ल्हान उद्देजकांचो गट स्थापन करप.

- तांकां येवजण्यां विशीं म्हायती त्याच प्रमाण एजन्सी, जाणकार व्यक्ती, हांची म्हायती दिवन उर्बा दिवप. म्हंटगीर ते गट फुडें दिल्ल्या प्रमाण योग्य अशी कृती येवजण विकसीत करूंक शकतले.
    - पिकां वयल्या धामींचें एकठावीत वेवस्थापन, पौश्टीक अन्नाचें एकठावीत वेवस्थापन, आलटून पालटून पिकां घेवन पौश्टीक धान्य निर्मणी, पॉली/ग्रीन हावस हांचो वापर आनी बिनचूक शेतकाम.
    - कामगार पेडयेची (Labour bank) स्थापणूक आनी जाय तितली/ फावो तशी यंत्र सामग्री तेच प्रमाण कुशळटाय विकास.
    - जैवीक साऱ्यांची निर्मणी, जैवीक जंतू नाशकां, उंचेल्या दर्जाचीं बियाणीं आनी रोंपां तयार करपा खातीर आनी ठिबक शिंपणावळ, बिनचूक शेतकाम, पॉली हावस वेवस्था ह्या वावरांत स्वयं सहाय्य गटांची क्षमताय वाडोवप.
    - उद्देजकां वरवीं कोल्ड स्टोरेज, अन्न प्रक्रिया आनी पॅकेजिंग उद्देगांचो आरंब.
- अन्न सुरक्षेंत सुदारणा करपा खातीर आनी त्या वावरांत फावो तसो आदार दिवपा खातीर उद्देग, वीज, पशूपालन आनी शेतकामां विशींच्यो वित्तीय संस्था आनी कृषी विद्यापीठां, कॉलेजां आनी बिन सरकारी संस्था असल्या संसाधन एजन्सीं कडेन संपर्क सादप.
- जमनी विशींची एक नोंदपटी (रजिस्टर) तयार करात. तातूंत पिकां, उत्पादकताय, यांत्रिकीकरणाची स्थिती हांचेर देखरेख करप आनी गरज पडटा थंय हस्तक्षेप करून तफावती भरून काडपा खातीर गरजेची सगळी म्हायती नोंद करप.
- भूक आनी कुपोशणाक बळी पडपाची शक्यताय आशिल्ल्या लोकां खातीर मोखींची नोंदपटी (Target Register) करची. संबंदीत खातीं आनी एजंसी हांच्या आदारान तश्या लोकांचे स्थितीचेर देखरेख दवरप.

## 3. संसाधनांचो सोद

- **नॅशनल मिशन फॉर सॉइल अँड अग्रिकल्चर (NMSA) राष्ट्रीय कृषी विकास योजना (RKVY)**
- **इंटिग्रेटेड वॉटरशेड मॅनेजमेंट प्रोग्राम (IWMP) प्रधान मंत्री कृषी सिंचाई योजना (PMKSY)**
- **सार्वजनीक वितरण वेवस्था (PDS)**
- **एकठावीत बाल विकास येवजण (ICDS)**
- **नॅशनल हेल्थ मिशन (NHM)**
- **राज्य सरकाराच्यो आरोग्य आनी पोशण विशयक येवजण्यो आनी कार्यावळी**
- **कृषी, पशूपालन, बागकाम आनी जिविका**

## 4. खंयच्या लोकांचो आमकां तेंको आसतलो?

आशा **(ASHAs)**, स्वयं साहाय्य पंगड **(SHGs)**, आंगणवाडी वावुरपी, साक्षरताय वावुरपी, शिक्षक, **NRLM**, **CRPs**, सोशल ॲक्टिविस्ट, पालक-शिक्षक संघ **(PTAs)**, शाळा वेवस्थापन समिती, **(SMCs)**, आरोग्य सेवा वावुरपी, डॉक्टर, थळावे तज्ञ, कृषी संबंदीत कार्यवाहक खातीं आनी एजंसी, कृषी आनी बागकाम कार्यवाहक, **PMKSY**-वॉटरशेड कंपोनंटा खाला वॉटरशेड डेव्हलपमेंट टीम, दूद वेवसायांतले कार्यवाहक आनी पशू चिकित्सा वेवसायीक.




## 5. एक उदाहरण

### ग्राम पंचायत आनी कामगार पेडी

- ग्रामपंचायत जर कामगार पेडी घडोवपाचें थारायता जाल्यार गरजेचीं पावलां अशीं आसतलीं.
- शेतकामत्यांची बसका आपोवप. ते बसकेंत मुखार दिल्ल्या विशयांचेर, समस्यांचेर भासाभास करून निर्णय घेवपाचे, कामगारांची उपलब्धताय, तांची उत्पादक क्षमताय आनी विस्वासार्हताय. कामगार मुखावेल्या काळांत मेळपा विशींचे प्रवाह, शेतकामांच्या यांत्रिकीकरणाक वाव आनी थळाव्या संदर्भांतल्यो मर्यादा, शेत रोवपा खातीर जमीन तयार करप, तरवो लावप, नडणी आनी हेर वावराक दर एकराक ह्या हिशबान कंत्राटी कामगार कितले लागतले हाचेर एकमत घडोवन हाडून मागीर हो सगलो वावर अंतीम स्वरूपांत समसारको घडोवन हाडपा खातीर एक समिती नेमप.

- कामगारांची बसका घेवन तातूंत मुखार दिल्ल्या मुद्द्यांचेर भासाभास करप. कामाची/वावराची उपलब्धताय, वेवसायाची सुरक्षा आनी समाजीक सुरक्षा, मुखावेल्यो/फुडाराच्यो संदी, यांत्रिकीकरणाक वाव आनी ताच्यो मर्यादा, कामगारांचे शेतकामा खातीर दिवपाच्या मोबदल्याचे दर भासाभास करून एकमतान थारावप, कामगारांचे मान्यतायेची खात्री करून घेवप त्याच प्रमाण कुशळटाय सुदारणे खातीर तांची मान्यताय घेवप, म्हंटगीर ते आधुनीक पद्धतीन शेताचीं कामां करूंक शकतले. तो वावर फुडें चालीक लावपा खातीर समिती घडयात.
- कामगारांच्या मोबदल्याचे दर, कामगारांच्या गटांच्यो सुचोवण्यो, तांणी मान्यताय दिल्ले मोबदल्याचे दर, कुशळटाय सुदारणे खातीर दिल्ली मान्यताय, हें सगळें मतींत घेवन शेतकामत्यांच्या गटान यांत्रिकीकरणा खातीरचे कामगारांचे दर थारावप.
- यांत्रिकीकरणाचें प्रमाण थारावप, कितलीं आनी कसल्या तरेचीं यंत्रां जाय हाचो आनी त्या संबंदांतल्या खर्चाचो आंकडो, कितल्या कुशळ कामगार व्यक्तींची तीं यंत्रां चलोवपाक गरज आसा हें थारावप. पूण हें सगळें तगावक्षम मुळावणाचेर जावंक जाय.
- कामगारांची कुशळटाय सुदारणा, यंत्रांची खरेदी, गॅरेज बांदप आनी यंत्रांची दुरुस्ती करपा खातीर, ती चलोवप हाच्या खातीर कृती येवजण तयार करप.
- तें करपा खातीर संबंदीत खातीं आनी एजन्सीं कडेन संपर्क सादप.
- कामगार पेडयेचो (labour bank) नमुनो थारावप, तिचें काम हें दरेका प्रकारच्या कामाचे दर थारावप आसतलें. तें थारायतना उत्पादकक्षमताय, चडावत उत्पादकते खातीर प्रोत्साहन, यंत्रांची दुरुस्ती-सांबाळणी, समाजीक सुरक्षा- निवृत्ती वेतन, आरोग्य विमो, आनी अपघाताचो विमो, राखीव दवरप, पारदर्शकताय हे मुद्दे मतींत घेवप गरजेचें आसता.
- हे सगले मुद्दे आनी निधी हाताळपाचो मुद्दो मतींत घेवन कामगार पेडयेचे पोटनियम तयार करप.
- राज्यांत लागू आशिल्ल्या नेमां खाला कामगार पेडयेची नोंदणी (registration) करप.
- मान्य केल्ल्या दरान आनी वावर केल्ले पुराय जमनी खातीर शेतकार कामगारांक पयशे फारीक करतात. ते पयशे शेतकार कामगार पेडयेच्या खात्या वरवीं कामगारांच्या खात्यांत जमा करतात हाची खात्री करून घेवप.
- कामगाराची उत्पादकता क्षमताय आनी यंत्र हाचेर मोबदल्याची फारकाय बँके खात्यांतल्यान जाता हाचेर, समाजीक सुरक्षे संबंदांतलें वेतन वेळा वेळार मेळटा, यंत्रांचो फावो तसो सांबाळ (सर्व्हिसिंग) जाता आनी उण्यांत उणे गरजेपुरतीं राखीव दवरतात हाचेर देखरेख करप.
- कामगार पेडी आनी शेतकारांची समिती, थरावीक कालावधींत पंचायत समिती, ग्राम सभा आनी संबंदीत खातीं हांकां आपलो अहवाल दितात हाची खात्री करून घेवप.

## 6. तगावक्षम विकासाच्या ध्येयां कडेन हो प्रयोग कसो जुळटा?

तगावक्षम विकासाचें ध्येय-2 भूक सोंपोवप, अन्न सुरक्षा आनी पोशण सुदारप आनी तगावक्षम शेतकामाक फाटबळ.

## 7. विश्वव्यापक मोखी

- 2030 मेरेन सगल्या लोकांक आनी खासा करून गरीब आनी आघातक्षम अश्या लोकांक आनीक बाळकांक सुरक्षीत, पौश्टीक आनी पोटभर अन्न वर्सय भर मेळटलें हाची खात्री करून घेवप.
- 2030 मेरेन सगल्या तरांचें कुपोशण सोंपोवप. 2025 मेरेन आंतर राष्ट्रीय पांवड्यार मान्य केल्ल्या ध्येया प्रमाण 5 वर्सां सकयल्या भुरग्यांची खुंटपी वाड आनी तांचो ऱ्हास/नाश थांबोवप, तरणाट्यो चलयो, गुरवार आनी भुरग्यांक आंगार दुदाक धरपी बायलो तेच परीन जाणटे हांच्यो पोशणा विशींच्यो गरजो भागोवप हें ध्येय गांठप.
- 2030 मेरेन कृषी उत्पादन दुपेटीन वाडोवप. तातूंत ल्हान प्रमाणार अन्न पिकोवपी आनी खासा करून बायलां, थळावे लोक, शेतकारांचे घराबे, दुदाचो वेवसाय करपी, नुस्तेकार हांचो मुखेलपणान आसपाव जाता. तशें करतना तांकां जमीन, हेर उत्पादक संसाधनां, तेच परी ज्ञान आनी तातूंत भर, वित्तीय सेवा, बाजार आनी दर्जो वाडोवपाच्यो संदी आनी बिगर शेती रोजगार हातूंत सुरक्षीत रिगाव मेळोवन दिवप.
- तगावक्षम अश्यो अन्न उत्पादनाच्यो पद्दती आनी उमेदीन करपाच्यो कृषी कामाच्यो रिती ज्यो उत्पादकताय आनी उत्पादन वाडयतात, जीवसृश्ट सांबाळटात, हवामान बदलांक तोंड दिवपाची क्षमताय वाडयतात. पराकोटीच्या वातावरणांत, दुकळ आसल्यार, हुंवार आयल्यार आनी हेर आपत्तीच्या काळांतलो बदल आपणावपाची क्षमताय वाडयतात आनी भूंय आनी माती हांचो कस सदांकाळ वाडयतात हाची खात्री करून घेवप.

**आतां तुमचे ग्राम पंचायतीन थारायिल्लीं ध्येयां आनी मोखी पळयात** – तगावक्षम कृषी वेवसायाक प्रोत्साहन दिवन - सगल्यां खातीर अन्न सुरक्षा आनी पौश्टीक अन्न मेळोवन दिवपाच्या विश्वव्यापी ध्येयाक आनी ताच्या मोखीं खातीर तुमी योगदान दितात.

तुमचे ग्राम सभेक गतीमान करात. तुमचे पंचायतीच्यो निश्चित अश्यो मोखी थारायात, सरकारी आनी बिन सरकारी एजंसीं कडेन समन्वय करात. केन्द्र सरकार आनी राज्य सरकार हांच्या तरेकवार येवजण्यांतल्यान संसाधनां सोदून काडात. समुदायांत ह्यो सेवा-सुविधा पावतल्यो हाची खात्री करून घेयात.

तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां गांठपा खातीर फुडारी जायात!

3 बरें आरोग्य आनी समृद्ध जीण

### तगावक्षम विकासाचें ध्येय-3

### आरोग्य संपन्न जिणेची निश्चिती आनी सगल्यांचें सगल्या पिरायांचेर कल्याण

# आरोग्य संपन्न ग्राम पंचायतीचे वटेन

## 1. परिचयः सगल्यां खातीर आरोग्य

मनशाचें आरोग्य इबाडलें म्हंटगीर तो काम करूंक शकना आनी दुसरे वटेन उपचाराचो वखदांचो खर्च, हॉस्पिटलाचो खर्च, म्हऱ्यांत रावपी मनशाच्या वेळचो इबाड आनी नोकरी-धंदो बंद जाल्ल्यान अर्थीक लुकसाण जावप हें थरिल्लेंच आसा. जर ग्राम पंचायतींतल्या दरेक नागरिकाचें आरोग्य बरें उरतलें अशी आमी तजवीज केली जाल्यार पंचायतीचे सगले उपक्रम यशस्वी जातले आनी ताचो दीर्घ काळ मेरेन फायदो पंचायतीक जावंक पावतलो.



## 1.1. आरोग्य म्हळ्यार कितें?

आरोग्य म्हळ्यार मनशाचें शारीरिक, मानसीक आनी समाजीक नदरेन आशिल्लें स्वास्थ्य/कल्याण. आरोग्य म्हळ्यार फक्त मनशाक रोग नासप वा शारीरिक आनी मानसीक अशक्तताय नासप असो अर्थ न्हय. ही आरोग्याची व्याख्या विश्व आरोग्य संघटनेन (WHO) थारायल्या.

- समाजीक, अर्थीक आनी शारीरिक नदरेन पूरक अशें वातावरण, आनी
- व्यक्तीचे गुणधर्म आनी आचरण.

सकयल दिल्ले घटकांची निश्चितपणान हातूंत म्हत्वाची भूमीका आसताः





## 1.2. संवयी/संवकळी आनी तांचो आरोग्याचेर परिणाम

खंयच्याच घरा खातीर योग्य अशी नितळावणी, उदक आनी वीज आनी ताच्या बराबर आरोग्याक पूरक अश्यो स्वच्छ संवयी घराब्यांत आसूंक जाय. रांदपाक लागून जातलो धुंवर घरा भायर वचूंक/सोडूंक जाय ही जशी सामकी मुळावी गरज तशीच म्हेळ उदक व्हावन वचपाचे उपाय, कोयराची वेगळावणी करून योग्य तरेन ताचो विलो लावप, उदक आडोवन रावं नये, सांठयिल्ल्या उदकांत वा आडून उरिल्ल्या उदकांत जळारांची पैदास जावं नये, म्हण उपाय करप ह्यो गरजो म्हत्वाच्यो आसतात. ताच्या बराबरच सदांच शाबू लावन हात धुवप, बाळकां खातीर खावोवप-पिवोवप हाका वापरतात ती आयदना जंतू विरहीत करप, शिजोवन घेतिल्लें उदक पिवप, अन्न पदार्थ शिजोवचे पयलीं धुवप, अन्न पदार्थ गरजे परस चड शिजोवप ना, स्वताचे नितळसाणीची खात्री करून घेवप, थरावीक वेळे उपरांत नाकटां काडप, केंस कापून घेवप, सदांच न्हावप, स्वच्छ कपडे घालप, निवळसाणी खातीर वापरिल्ले नॅपकीन, पॅड असल्या वस्तूंचो योग्य तरेन विलो लावप ह्यो संवयी आरोग्य संपन्न जिणे खातीर खूब गरजेच्यो आसतात.

## 1.3. गांवांतल्यो आवयो आनी भुरगीं हांचें आरोग्य

गांवांतल्यो बायलो आनी भुरगीं हांकां बरें आरोग्य लाबचें म्हण फावो त्या समर्थनीय परिसराची निर्मणी करप गरजेची आसता. गुरवार जातले दरेक बायलेक वासीनाची सोय



मेळूंकच जाय. त्याच बराबर बरें पौश्टीक अन्न आनी बेगोबेग नेमान आरोग्याची तपासणी जावपाची सोय आसूंक जाय. गुरवार बायलां शिवाय नवजात बाळक आनी हेर बाळकां हांकां सगल्यांक वासीना दिवप आनी आवयचें दूद दिवप हाची खात्री करून घेतना कसलीच तडजोड करूंक उपकारची ना. लग्नाची पिराय जावचें पयलींच भुरगेपणांत लग्न आनी भुरगेपणांत गुरवारपण आयल्यार तें आवय आनी जातलें नवजात बाळक हांच्या आरोग्याच्यो खूबश्यो समस्या उप्रासूंक शकतात. फाटोफाट गुरवारपण येवपाक लागल्यार आवय आनी जल्माक येवपी भुरगें हांकां बरें आरोग्य मेळप कठीण जाता. कुटुंब नियोजनाचे उपाय आनी घोव-बायलेक समुपदेशनाची सेवा पुरवण करून आनी हेर येवजण्यांचो वापर करून हो प्रस्न हलको करूं येता.

## 1.4. रोगांचेर नियंत्रण

चडशे संसर्गजन्य रोग प्रतिबंध करपा सारके आसात. जीवनशैलीक लागून जावपी पिडा (गोड्या मुताचें, रक्तदाब, चड प्रमाणांतलें कॉलेस्टरोल, आर जावप) गांवगिऱ्या वाठारांतय वाडत आसता. ह्या सगल्या रोगांक सर्वसादारणपणान संसर्गान जायनाशिल्ले रोग अशें म्हणटात. तरणाटे आनी मध्यम पिरायेच्या मनशांक मरण येवपाक हे रोग चड कारणीभूत

आसतात. सोरो आनी तंबाकूजन्य पदार्थांचो फाजील उपेग (खावप, पिवप) होवय आरोग्याचो एक प्रस्न जावन आसा. बऱ्याच वेळार अपघात आनी रोग हांकां लागून घराब्याची स्थिती बदलूंक शकता. संपन्न घराबो निराशिरीत जावंक पावता. ह्या रोगांचेर नियंत्रण हाडपा खातीर एकवठीत उपाय आनी शिक्षण जाय आसता.

जर लोक शारीरिक, मानसीक आनी समाजीक नदरेन आरोग्य संपन्न आसत जाल्यार गांवांत व्हडा प्रमाणार उदरगत जावं येता. गांवाचें प्रशासन म्हण ग्राम पंचायतीची आरोग्य संपन्न गांव जावपा मदीं भूमीका आनी जापसालदारकी आसा अशें तुमकां दिसना?

## 2. ग्राम पंचायतच कित्याक?

भारतीय संविधानाचे ७३वे दुरुस्तेंतल्या इकराव्या परिशिश्टा प्रमाण वयर सांगिल्ले सगले विशय ग्राम पंचायतीक लागतात. कुटुंब कल्याण, आरोग्य आनी नितळावणी, हॉस्पिटलां, प्राथमीक आरोग्य केंद्रां आनी दवाखाने ग्रामपंचायतीच्या आंवाठांत येतात.

### 2.1. ग्राम पंचायत मुखार दिल्ल्या प्रमाण वावर करूंक शकता

| | |
|---|---|
| सांबाळणी आनी देखरेख | • आरोग्या विशींच्या सेवांचो दर्जो.<br>• मलेरिया, पिवपाच्या उदकाक लागून जावपी आनी संसर्गाक लागून जावपी रोगांक प्रतिबंध करपा खातीर सर्वांगीण स्वच्छता. |
| खात्री करून घेवप | • गांवांच्यो आरोग्य, नितळसाण आनी पोशण समिती, आनी रोगी कल्याण समिती हांच्या वावरांतली परिणामकारकता.<br>• परामर्शी केंद्र आनी आपत्कालीन सेवांची उपलब्धता आनी 24x7 अशी पावोवणी खातीर जुळणी.<br>• GPDP वरवीं थळावे भौशीक आरोग्या विशींचे प्रस्न सोडोवप.<br>• कुटुंब नियोजनाचे सेवे खातीरचो रिगाव.<br>• मानसीक आरोग्याची जतनाय घेवपा खातीर आरोग्य खात्याचो सहयोग. |
| सोपें करप | • बाळंतपणातल्या मरणांचे समाजीक लेखा परिक्षण सोशल (ऑडिट).<br>• आघातक्षम व्यक्तींची आरोग्य विमा येवजणे खाला नोंदणीकरण.<br>• संसर्ग जायनाशिल्ल्या रोगां विशीं जाणविकाय घडोवप.<br>• घरांत पिडेस्ताक पिडेची तीव्रता उणे करपा खातीर आरोग्य सेवकां वरवी दिवपाची सेवा.<br>• रोग व्हांवोवन व्हरपी प्रसारण जावपी रोगांचेर प्रतिबंध. |

| | |
|---|---|
| प्रोत्साहन दियात | • आरंबाकच रोगाचें निदान करून घेवन उपचार सुरू करप.<br>• मदीं-मदीं नितळसाण आनी नितळावणी संबंधीच्यो मोहिमो सुरू करप.<br>• धुंवर-विरयत चुली/रान्नी, सुदारीत स्टोव्ह आनी रांदचे कुडींत वारें खेळपाची वेवस्था.<br>• आरोग्याक फावोश्यो जिणेच्यो शैली/तरा. |
| IEC धोरणाचो वापर | • नवजात बाळक आनी गुरवार बायलांच्या घराब्यांक आदार दिवप.<br>• वासीनां करून घेवपाक आनी आवयचें द ूद भुरग्याक पाजपाक प्रोत्साहन दिवप.<br>• घुंवळी वखदां आनी सोरो हांच्यो फाजील उपेगाचेर उपाय काडप. |




**नवजात बाळक आनी हेर ल्हान भुरगीं हांकां वासिना दिल्यांत हांची खात्री करून घेयात.**

## 3. ग्राम पंचायतींतल्या लोकां मर्दीं आरोग्य मेळोवन दिवपाक आमी कसो आरंब करप?

1. ग्राम पंचायतीच्या ध्येयांच्या प्राधान्यक्रमाचीं क्षेत्रां मतींत घेवन खंयच्या क्षेत्राचेर भर दिवपाचो तें पयलींथाराया त.
2. जींध्येयां थारायल्यांत तांच्यो मोखी थारायात.
3. थारायिल्ल्या वेळे भितरमो खी पुरायकरपा खातीर कृती येवजण तयार करात.
4. कृती येवजण चालीक लावपा खातीर संसाधनां सोदून काडात.
5. कृती येवजणेक आदारदिवपाची तांक आशिल्ल्यो व्यक्ती आनी मानव संसाधनां सोदात.

## 3.1. आरोग्य संपन्न गांव ह्या ध्येयाचेर येवजण आंखतना आमची ग्राम पंचायत खंयच्या मुद्द्यांचेर भर दिवंक शकता?

- संसर्गाच्या रोगांच्या बाबतींत प्रतिबंधक उपाय, आरंबाकच रोगाचें निदान करप आनी उपचार करपाक प्रोत्साहन दिवप.
- बाळांतपणांत जावपी मृत्यू नवजात बाळकां आनी 5 वर्सां सकयल्या भुरग्यांचो मृत्यू थांबोवपा नदरेन प्रतिबंधक उपाय करपाची सुविधा निर्माण करप आनी मृत्यूचो दर शून्याचेर हाडप.
- सगल्या जाणांक लिंगीक आनी पुनर्जनना विशींच्यो आरोग्याचो सांबाळ करपाच्यो सेवा आनी कुटुंब नियोजनाची सेवा-सवलतींक रिगाव आसतलो हाची खात्री करून घेवप.
- संसर्गान जायनाशिल्ल्या रोगां पसून जावपी अकालीक मृत्यू वा येवपाच्या अपंगूळपणाचो आंकडो शून्याचेर हाडपा खातीर पावलां मारप.
- सगल्यां खातीर मानसीक आरोग्य आनी कल्याणकारी जीण जावच्या खातीर प्रोत्साहन.
- हानी जावपा सारके रितीन सोरो पिवप आनी घुंवळी वखदांच्या फाजील वापराचेर प्रतिबंध हाडप आनी तांचेर उपचार करपा खातीर पावलां मारप.
- रस्त्याच्या येरादारीक लागून जावपी अपघाती मृत्यू आनी दुखापती उण्यो करपाक उपाय करप.
- आघातक्षम लोकांक गरजेच्यो आनी दर्जेदार आरोग्य सेवा त्याच प्रमाण सुरक्षित, परिणामकारक आनी परवडपा सारकीं गरजेच्या वखदां खातीर रिगाव मेळोवन दिवप.

**हीं आमचीं ध्येयां आसूंक फावतात!**

## 3.2. आमी आमचीं ध्येयां गांठपाच्यो मोखी कश्यो थारावच्यो?

| | | |
|---|---|---|
| गांवांतल्या सगल्या कुटुंबांक, सार्वजनीक संस्था, शाळा आनी आंगणवाडींक सुरक्षित पिवपाचें उदक, नितळावणी आनी वीज पुरवण वेवस्थेची खात्री करून घेवप.<br>धुंवर विरयत चुली, सुदारीत स्टोव्ह आनी रांदचे कुडींत तेच परी सार्वजनीक इमारतींनी मेकळें वारें खेळटलें हाची खात्री करून घेवप. | वेगवेगळ्या तरांचो कोयर एकठांय करपाचीं केंद्रां स्थापन करून दरेक घराबो आनी शेजार अश्या पावंड्यार जावपी जैवीक कोयराचें वेवस्थापन. | सगल्या तरांचें प्रदूशण आनी घाण (रसायनां, वायू, उदक) खंय जातात ताची पळोवणी करून प्रदूशण उणें करपा खातीर पावलां उखलल्यांत हाची खात्री करून घेवप. |
| सगल्या बायलांक नेमान वैजकी उपचारांची वेवस्था आनी गुरवार बायलांच्या आरोग्याची तपासणी, आपतकाळांत सल्लो घेवपाची आनी येरादारी खातीर तेंको दिवप आनी बाळंटेरा खातीर संस्थात्मक पालव दिवपाची खात्री करून घेवप. | सगल्या आघातक्षमां खातीर आरोग्याचो विमो, परवडपाचीं वखदां, थळावी आरोग्य तपासणेची वेवस्था/सेवा आनी आरोग्य सेवा हांकां रिगाव मेळपाची खात्री करून घेवप. | वयार आयिल्ल्यो बायलो आनी दादले हांच्या खातीर आरोग्या विशीं शिक्षण-कुटुंब नियोजन सेवा, ताचे वांगडा पुनर्जनन, आरोग्य सेवा, सुरक्षित लिंगीक उपभोग, गुरवारपणांतले धोके पोशण आनी आरोग्यदायी आचरण, नवजात बाळकाची जतनाय आनी भुरग्यांक आवयचें दूद दिवप. |
| सगल्या भुरग्यांक वासीना.<br>उणें वजन आशिल्ल्या वा जिवाक हेर तरेचो धोको आसल्यार नवजात बाळकाक विशेशज्ञा कडल्यान उपचार मेळपाची वेवस्था करप. | पोशणा संबंधी IEC चें धोरणा प्रमाण 5 वर्सां सकयलीं भुरगीं, तरणाट्यो चलयो, गुरवार आनी भुरग्यांक आंगार दूद पाजपी बायलो आनी जाण्टीं मनशां हांकां पोशण विशीं शिक्षण, मानसीक आरोग्या खातीर IEC. | संसर्ग जायनाशिल्ल्या रोगांचीं कारणां आनी आरोग्य सांबाळपाचे संवकळीचे मार्ग हांचे विशीं जागृताय वाडोवप. |

हीं जर आमचीं ध्येयां आसात, जाल्यार तीं केन्ना मेरेन साध्य करपा खातीर खंयच्या गजालींची निश्चितपणान आंखणी करची पडटली? आमचे ग्राम पंचायतीच्यान मुखार दिल्ल्या गजालींतल्यान कांय गजालींची आंखणी करूं येत?

म्हंटगीर, हाचेर आदारून आमी आमच्यो मोखी विकसीत करूंक शकतात/मोखीं खातीर निश्चित काल मर्यादा थारोवन आमच्यानी वावर चालीक लावं येता!

## 4. ग्रामपंचायत कितें करपाक शकता? कृती करपाचे मुद्दे

- समुदाय आनी समुदायांचेर आदारिल्ल्या संघटणांक आरोग्या विशींच्या कार्यावळींत सहभागी जावपा खातीर सशक्त करूंक पावलां उखलप.
- आघातक्षम लोकसंख्येचो पिराय, पुनर्जनन, वेवसाय, वाठार हांचेर आदारिल्लो आराखडो तयार करप आनी दरेक प्रकारा खातीर तांच्यो आरोग्या विशींच्यो गरजो तपासप.
- ग्राम पंचायतींत आशिल्ल्यो येवजण्यो, संसाधनां आनी मानव संसाधनां हांचो आराखडो तयार करप.
- आरोग्य खात्याच्या सहयोगान ग्राम पंचायतीन थळवीं आरोग्या विशींचीं ध्येयां आनी मोखी थारावप.
- ध्येयां आनी मोखींचेर आदारून दरेक गटा खातीर निश्चित अशी येवजण विकसीत करप, सामान्य येवजणेच्या भायर सदचे वरी जतनाय, सेवा, जण एकल्याक मेळपाची खात्री करप.

- राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय एजंसींच्यो आनी सरकाराच्यो तरेकवार येवजण्यो हांतल्यान मेळपी संसाधनां सोपेपणान मेळपा सारकीं करप.
- तरेकवार आरोग्याचो सवलती आनी विस्तार सेवा हांच्या दर्जाचेर देखरेख करप आनी तांचो समन्वय आनी परिवर्तन हांची खात्री करून घेवप.
- पंचायतीन फुडें हाडिल्ल्या आरोग्या विशींच्या मोहिमांत IEC च्यो कार्यावळी एकठावीत करप.
- आशा (ASHA), ANM आनी AWW जतनाय घेवप्यांचेर देखरेख दवरप.
- गांवाची आरोग्य, नितळावणी आनी पोशण समिती (VHSNC) आनी रोगी कल्याण समिती (RKS) हांच्या परिणामकारक वावराची खात्री करून घेवप.
- ग्राम पंचायतीत जाल्लो दरेक बाळंतपणातलो मृत्यू/जल्मा उपरांतच्या 4 सप्तकां भितर जाल्लो भुरग्याचो मृत्यू (neonatal death) / भुरग्याचो मृत्यू हांचो नियाळ घेवप आनी फुडारा खातीरची कृती थारावप.
- गांवाचे आरोग्य येवजण थारावणेंत ग्राम सभा/आनी समुदाय हांचो सहभाग आनी देखरेख आसतली हाची खात्री करून घेवप.
- पोशण आनी अन्न सुरक्षा हे विशींच्यो वेगवेगळ्यो येवजण्यो आनी कार्यावळी हांचे व्यापन करून एक सर्वव्यापी येवजण तयार करप. तातूंत पोशणा विशींच्यो गरजो बाळकां, भुरगीं, तरणाट्यो चलयो, पुनर्जनन वयोगटांतल्यो बायलो, गुरवार आनी आंगार दूद पाजपी आवयो त्याच प्रमाण जाण्टीं मनशां हांची निश्चितपणान नोंद करप.
- तंबाकूचो वापर/सोरो पिवप/निशिद्ध वखदां हांचे विशीं जागृताय मोहीम चलोवप आनी तांचेर नियंत्रण आनी बंदी हाडपाक उपाय करप.
- गांव पावंड्याचेर मानसीक आरोग्याचे प्रस्न आशिल्ले, वस्तूंच्या आहारीं गेल्ले, निशिद्ध वखदां आनी सोऱ्याचो फाजील उपेग करपी लोक हांचो आराखडो तयार करप आनी तांकां उपचार, समुपदेशन आनी पुनर्वसन करप, प्रभावीत लोक आनी तांचे घराबे हांकां ही सवलत दिवप.
- रस्तो अपघातांतल्या व्यक्तींक आदार दिवप आनी तांची जतनाय घेवप हाच्या खातीर आपतकाळ मदत केंद्रां स्थापन करप, थंयच्या वावुरप्यांक प्रशिक्षण आनी लागतात तीं सगलीं साधनां दिवप आनी आपत्ती काळांत वाहतुकीची सशक्त वेवस्था करप.
- पंचायतींतल्या आरोग्या विशींच्या संस्थां मदीं आपत्ती काळांत दिवपाची सेवा-सुविधा सक्षम करप आनी वेळच्या वेळार ही आपत्ती सेवा. सगल्यांकच मेळटली हाची खात्री करून घेवप

## 5. त्या खातीर संसाधनांचो सोद

- नॅशनल हेल्थ मिशन (NHM)
- जननी सुरक्षा योजना (JSY)
- नवजात शिशू सुरक्षा कार्यक्रम (NSSK)
- एकवठीत बाल विकास येवजण (ICDS)
- राष्ट्रीय स्वास्थ्य बिमा योजना (RSBY)
- हेर राज्य आनी केंद्र सरकाराच्यो येवजण्यो



## 6. आमकां मदत करपी लोक

**Auxiliary Nurse Midwives (ANMs), डॉक्टर, आशाचे आनी आंगडवाडी वावुरपी.**

## 7. एक उदाहरण

**ग्राम पंचायतीन जर सगल्या भुरग्यांक वासीनां करपाचीं त्याच प्रमाण गुरवार बायलांक (रोकड्यो आवयो जावपाची शक्यताय आशिल्ल्यांक) वासींना दिवपाची थारायलीं जाल्यार पंचयतीक करपाक लागपाच्या वावराची शक्यतायः**

- ग्राम पंचायत विकास येवजणेचो (GPDP) वांटो म्हण वासीनां केल्ल्यांचें परिस्थितीजन्य विश्लेशण करप.
- वासीनां करपाची मोहीम हातांत घेवप. ती मोहीम GPDP मदीं आसपावप.
- एक नोंदणी कार्यालय सुरू करून ग्राम पंचायतींतल्यो सगल्यो गुरवार बायलो आनी भुरगीं हांचीं वासीनां संबंधी नोंदणी करप.
- ग्राम पंचायतींतलीं सगलीं भुरगीं आनी तांची वासीनां केल्ल्या संबंधीची अद्यावत म्हायती स्थितीची वळेरी तयार करप.
- ज्याणीं वासीनां घेवंक नात तांची वेगळी गटवारी सयत वळेरी संबंधित कारणा प्रमाण करप, जशी खबर नाशिल्ल्यान वासीन घेवंक ना वासीन निशिद्ध म्हण घेवंक ना, वासीनाची सोय मेळूंक पावली ना, वासीन घेवचें वा नाका हें थारावपी नाशिल्ल्यान आनी हेर.
- त्या कारणांची समस्या सुटावी करपाक धोरण/मांडणी थारावप.
- हे प्रस्न सुटावे करपाक शकपी अशे स्वयंसेवक सोदून काडप आनी तांकां प्रशिक्षण दिवप.
- असल्या दरेक घराब्याक मेळून तांचो प्रस्न सुटावो करप.
- हें रजिस्टर थरावीक काळा उपरांत तपासून अद्यावत करपाचें. खासा करून थळांतरीत भुरग्यांचो आसपाव करप.
- टारगेट लोक समुदायां खातीर आधार कार्ड मोबायल नंबराक जुळोवन दिवपाची सोय करप

## 8. हो प्रयोग तगावक्षम विकासाच्या ध्येयां कडेन कसो जुळिल्लो आसा?

तगावक्षम विकासाचें ध्येय-3 आरोग्य संपन्न जिणेची निश्चिती आनी सगल्यांचें सगल्या पिरायेचेर कल्याण.

## 9. विश्वव्यापक मोखी

- 2030 मेरेन संवसारातल्या बाळंतपणातल्या मृत्यूंचें प्रमाण एक लाख जित्या मनशां फाटल्यान 70 इतलें उणें करप.
- 2030 मेरेन नवजात बाळकां आनी पांच वर्सां सकयल्या भुरग्यांचो सगल्याच देशांत जावपी मृत्यू आनी जल्माच्या 4 सप्तकां मेरेन जावपी मृत्यू (neonatal mortality) हांचे प्रमाण एक हाजारांक 10 मृत्यू आनी 5 वर्सां सकयल्यांच्या मृत्यूचें प्रमाण 1000 फाटल्यान 25 वा ताच्या परस उणें करप.




- 2030 मेरेन AIDS, क्षयरोग, मलेरिया आनी दुर्लक्ष केल्ल्या थळाव्या रोगांच्यो सांथी, त्याच प्रमाण हेपेटायटीस (hepatitis), उदकाक लागून जावपी दुयेंसां आनी हेर संसर्गान जावपी रोग पुरायेन सोंपोवप.
- 2030 मेरेन संसर्गाक लागून जायनाशिल्ल्या रोगांक लागून जे अकाल मृत्यू जातात ते उणे करून तांचो आंकडो तिसऱ्या वांट्याचेर हाडप. त्या खातीर प्रतिबंध करप आनी मानसीक आरोग्य आनी कुटुंब कल्याणाक प्रोत्साहन दिवप.

- घुंवळे वखदां, सोरो आनी हेर वेसनांक उपचार करून आळाबंदा हाडपाची वेवस्था सक्षम करप.
- प्राथमीक आरोग्य केंद्र
- रस्तो अपघातांत जावपी मृत्यू आनी दुखापती ह्यो 2020 मेरेन अर्दान उणे करप.
- लिगींक आनी पुनर्जनन आरोग्या विशींच्या सेवांक विश्वव्यापी रिगाव मेळोवन दिवप, तातूंत कुटुंब नियोजन, IEC आनी पुनर्जनन आरोग्या विशींचे राष्ट्रीय धोरणां आनी कार्यावळी हांचें एकवठीकरण
- संवसारीक पावंड्यार सगल्यांक बरें आरोग्य मेळचें, अर्थीक धोक्यां पसून सुरक्षा, दर्जेदार अश्या अत्यावश्यक आरोग्य सेवां खातीर सगल्यांकच रिगाव मेळोवन दिवप आनी सुरक्षीत, परिणामकारक, दर्जेदार आनी परवडपा सारकीं अत्यावश्यक वखदां आनी वासीनां सगल्यांक मेळचीं म्हण रिगाव दिवपाची वेवस्था पुराय करप.
- जोखमीच्या रसायनां पसून, हवेक लागून, उदक तेच परी मातयेचें प्रदूषण आनी घाणयारेंपण हांकां लागून जावपाच्या दुयेसांक बळी पडपी लोकांचो आंकडो व्हडा प्रमाणान उणो करप.
- सगल्या देशांतल्यान योग्य ते तरेन संवसारीक आरोग्य संघटनेची (WHO) तंबाकूच्या वापराचेर नियंत्रण हाडपा विशींची थरयिल्ली चौकट सक्षम तरेन कार्यवाहींत हाडप..

**आतां तुमचे ग्राम पंचायतीन थारायिल्लीं ध्येयां आनी मोखी पळयात** – तुमी विश्वव्यापी ध्येयां आनी मोखी हांचें खातीर योगदान दितात. तो वावर जावन आसा - आरोग्य संपन्न जिणेची निश्चिती आनी सगल्यांचें सगले पिरायेचेर कल्याण!

तुमचे ग्राम सभेक गतीमान करात. तुमचे पंचायतीच्यो निश्चित अश्यो मोखी थारायात आनी सरकारी, बिनासरकारी एजंसीं कडेन समन्वय करात. केंद्र सरकार आनी राज्य सरकाराच्या तरेकवार येवजण्यांतल्यान संसाधनां सोदून काडात. समुदायांत ह्यो सेवा-सुविधा पावतल्यो हाची खात्री करून घेयात.

तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां गांठपा खातीर फुडारी जायात!




तगावक्षम विकासाचें ध्येय - 4
समावेशक आनी सम प्रमाणांतल्या गुणवत्ता शिक्षणाची निश्चिती आनी सगल्यां खातीर आयुश्यभर शिक्षणाच्या संदींक फाटबळ दिवप

# समेस्तां खातीर शिक्षण

## 1. परिचयः जिणेंत शिक्षणाची भूमीका

उदरगतीच्या तरेकवार घटकांसंबंधान शिक्षणाक म्हत्वाची भूमीका आसता. मागीर ती उदरगत, रोजगार, आरोग्य, नितळावणी, नितळसाण, गरिबी उणी करप असलीं क्षेत्रां आसूं वा बऱ्या रोजगारा खातीर नवी कुशळटाय आपणावपाचें क्षेत्र आसूं तें सगलें शिक्षणाचेर अवलंबून आसता.

भारतीय संविधनाच्या कलम 21 अ प्रमाण संसदेन देशांतल्या 6 ते 14 वर्सां मदल्या भुरग्यांक सक्तीच्या शिक्षणाचे कायदे केल्यात. तातूंत 'भुरग्यांक फुकट आनी सक्तीचें शिक्षण मेळपाच्या हक्काचो कायदो' वा 'शिक्षणाच्या हक्काचो कायदो' भारतान चालीक लायला. जरी शिक्षणा कडेन, तांतल्या तातूंत प्राथमीक शिक्षणाकडेन चड लक्ष दिवपाची गरज आसा.



शिक्षणीक उदरगतीचो दर स्थिरतायेन राखून दवरपा खातीर जर खंयची गरज आसत, जाल्यार ती मुखार दिल्ली आसाः

1. भुरग्यांचो नांव नोंदणीचो दर/वेग वाडोवप
2. तो दर तिगोवन दवरून तातूंत वाड करप
3. अर्थार शिक्षण सोडून दिवप्यांचो दर उणे करप

**नांव नोंदणीचो दर**

थरवीक वयोगटांतल्या पूणसगल्या तरांच्या शिक्षणांत नोंदणी जाल्ल्याभुरग्यां च्या आंकड्यान ह्या वयोगटांतल्यासगल्या भुरग्यांच्याआंक ड्याक भाग दिवनहो नोंदणीचो दर थारायतात.

**तिगोवणेचो दर**

नोंदणी तिगोवन दवरपाचो दर शाळेंत पयले फावट नोंदणी जाल्लोभुरगो दुसर्‍या वर्सा त्याच शाळेंत तिगिल्ल्याची टक्केवारी काडून थारायतात.

**गळटीचो दर**

विद्यार्थ्यांच्या संख्येचे गळटीचो दर त्या शाळेंतलें शिक्षण पुराय करूंक शकनाशिल्ल्या विद्यार्थ्यांची टक्केवारी काडून थारायतात.


आमच्या गांवान सगल्यां खातीर शिक्षण आनी सगल्यां खातीर साक्षरताय मेळटली हाची खात्री करून घेवंक जाय अशें तुमकां दिसना? थळावें प्रशासन ह्या नात्यान ग्राम पंचायतीची हातूंत भूमीका आनी जापसालदारकी आसा अशें तुमकां दिसना?

## 2. ग्राम पंचायतच कित्याक?


भारतीय संविधानाचे 73 वे दुरुस्तींतल्या इकराव्या परिशिष्टा वरवीं शिक्षण हो विशय ग्राम पंचायतीं कडेन दिल्ल्या 29 विशयांत आसपावता. तातूंत शाळेंतले प्राथमीक आनी माध्यमीक शिक्षण, तंत्रीक प्रशिक्षण आनी वेवसायीक शिक्षण, प्रौढ आनी अनुपचारीक शिक्षण आनी ग्रंथालयां हे सगले विशय येतात.

| सगल्यांक शिक्षण मेळपाची खात्री करपा खातीर ग्राम पंचायत हो वावर असो करूंक शकता. | |
|---|---|
| सोपें करात | • शिश्यवृत्ती, गणवेश, पाठ्य पुस्तकां, माध्यान आहार आनी हेर सुविधा मेळप.<br>• खास गरजांच्या भुरग्यांच्या शाळेंत वचपाची सोय.<br>• चली विद्यार्थ्यांनी शिक्षणांत तिगून रावचें म्हण तांच्या खातीर शौचालयां बांदप.<br>• अर्दार शाळा सोडपी, विद्यार्थी आनी शाळेच्या भायर आशिल्ल्या भुरग्यां खातीर सांजवेळची/भोंवती शाळा, शिकपाचीं केंद्रां आनी निवासी शिबिरां घेवन सेतू वावर करप.<br>• शिक्षकांच्यो रिकम्यो सुवाती संबंधित खात्याच्या सहयोगान बेगोबेग भरप.<br>• वेगळायीत वाठारांत (isolated areas) भुरग्यां खातीर येरादारीची आनी वसतीगृहाची सोय करप. |
| प्रोत्साहन दियात | • शिक्षण हक्काच्या कायद्यांतल्या (RTE Act) भुरग्यांच्या हक्कां विशीं जागृताय करपाक.<br>• शाळांनी 100 टक्के नांव नोंदणी करपाक आनी तो दर तिगोवपा खातीर वातावरण निर्माण करपाक.<br>• प्रत्यक्ष शाळेंतल्यो सोयी सुविधा/समाजीक वातावरण/भुरग्यांची पारखणी ह्यो मुळाव्यो गजाली सुदारपा खातीर व्यापक सहभागाच्या शिक्षणाची येवजण तयार करपाक.<br>• आंगणवाडीच्यो साधन-सुविधा सुदारणेक म्हण येवजण तयार करपाक. |
| घटाय दियात | • पूर्व प्राथमिक आंगणवाडी कल्याण समितीक.<br>• शिक्षण हक्क कायद्याचे (RTE). अंमलबजावणीचेर देखरेख करपी शिक्षण समितीक.<br>• साक्षरता कार्यावळीत तेंको दिवपा खातीर वाचनालयांक.<br>• सरपंचाच्या अध्यक्षते खाला स्थापन केल्ले पंचायत लोक शिक्षण समितीचो वावर चालीक लावन 'संपूर्ण साक्षरता कार्यावळ मोहीम' (TLC) चलोवपाक. |
| देखरेख करात | • शिक्षणाची गुणवत्ता.<br>• चलयो आनी चल्यांची शाळेंतले गळटीचो दर आनी कारणां फुडले कृती खातीर विचारांत घेवप.<br>• फुडली कृती करपा खातीर शाळेंतल्यो चलयो आनी चल्यांचे गैर हजेरींचीं कारणां समजून घेवप. |

## 3. ग्राम पंचायतींतल्या शिक्षणांत सुदारणा करपा खातीरची येवजण आमी कशी सुरू करूं येत?




### 3.1. सगल्यां खातीर शिक्षण ही येवजण चालीक लायतना आमची ग्रामपंचायत खंयच्या मुद्द्यांचेर भर दिवंक शकता?




**हीं आमचीं ध्येयां आसूंक फावतात!**

## 4. हीं ध्येयां गांठपा खातीर आमी कश्यो मोखी थारावंक शकतात?

हीं जर आमचीं ध्येयां आसात जाल्यार तीं केन्ना मेरेन साध्य करपा खातीर खंयच्या

गजालींची निश्चितपणान आंखणी करची पडटली? आमचे ग्राम पंचायतीच्यान मुखार दिल्ली येवजण करूं येता?




- 3 ते 6 वर्सां भितरलीं सगलीं भुरगीं आंगणवाडींत वतात हाची खात्री करप.
- शाळेंत वचपाचे पिरायेचीं सगल्या भुरग्यांची नांव नोंदणी जाल्या हाची खात्री करप.
- शाळेंत नोंद जाल्लीं सगलीं भुरगीं शिक्षण पुराय करतलीं (गळटी जावची ना) हाची खात्री करप.
- हायस्कूल पावंड्यावेलें शिक्षण पुराय केल्ल्या भुरग्यां मदल्या थरावीक टक्के भुरग्यांनी हायर सेकंडरी स्कूलांत शिक्षण चालू दवरलां हाची खात्री करप.
- गांवांतले थरावीक टक्के विद्यार्थी उच्च पावंड्यावेलें शिक्षण घेतात हाची खात्री करप.
- ग्राम पंचायतींत 100 टक्के साक्षरता आसा हाची खात्री करप.
- ग्राम पंचायत वाठारांतल्या सगल्या आंगणवाडींत आनी शाळांनी वेगवेगळीं शौचालयां/चलयो आनी चल्यां खातीर आसात हाची खात्री करप.
- केन्नाच शिक्षकाचो जागो (post) खाली उरचो ना हाची खात्री करप.

म्हंटगीर हाचेर आदारून आमी आमच्यो मोखी विकसीत करूंक शकतात! मोखीं खातीर निश्चित काल मर्यादा थारोवन आमच्यानी वावर चालीक लावं येता!

## 5. ग्राम पंचायत कितें करपाक शकता? कृती करपाचे मुद्दे

- शाळेंतल्या विद्यार्थ्यांचे गळटीची आनी अनियमीत हाजरीची तपासणी करप.
- PTAs/SMCs वरवीं शिक्षणाचे गुणवत्तेचेर देखरेख करप.
- भुगोलीक नदरेन वेगळायीत वाठारांत रावपी भुरग्यां खातीर येरादारीची/वसतीघराची सोय करपाची तजवीज करप.
- भुरग्यां खातीर तांच्या हकदारी प्रमाण शिश्यवृत्ती/विद्यावेतन, फुकट गणवेश, पाठ्य पुस्तकां, विमो, शिकोवपा-शिकपा खातीरचीं साधनां, स्टेशनरी, माध्यान आहार असल्यो सवलती सोंपेपणान मेळटल्यो हाची खात्री करप.
- विशेश भुरग्यां खातीर शाळा/स्पेशल स्कूलांची तजवीज.



- चलयां खातीर बांदिल्लीं शौचालयां नासल्यार तीं बांदप आनी बंद जाल्लीं शौचालयां सुरू करपाचो वावर संबंधित एजंसींच्या सहयोगान करप.
- शाळेंत जावपी विद्यार्थ्यांची गळटी आनी अनियमीत हाजरी हांच्या कारणांचें विश्लेशण करून तांचेर लोकसहभागान शक्य आशिल्ले उपाय चालीक लावप.
- गळटी जाल्लीं आनी शाळे भायल्या भुरग्यां खातीर सांजवेळची शाळा, भोंवती शाळा, थळावीं शिक्षण केंद्रां आनी निवासी शिबिरां वरवीं सेतू अभ्यासक्रम चलोवप.

- भुरग्यांक जाहीर कार्यावळींत पुरस्कार/प्रोत्साहन /प्रमाणपत्रां/तसरिपो दिवन तांच्या शिक्षणातल्या खेळ, क्रीडासर्ती हांतल्या कर्तूबाची दखल घेवन तांकां प्रोत्साहन दिवप.
- शिक्षकाची सुवात रिकामी जाल्यार संबंधित खात्या कडेन संपर्क सादून ती बेगोबेग भरप.
- प्रत्यक्ष सुविधा/प्रत्यक्ष वातावरण/समाजीक वातावरण आनी प्रोत्साहन/वर्गांतली शिक्षण प्रक्रिया/देखरेख/विद्यार्थ्यांची पडताळणी/समुदायीक तेंको हांतूंत सुदारणा करपा खातीर व्यापक शिक्षण येवजण चालीक लावप.
- आंगणवाडींतल्यो सोयी आनी संसाधनां सुदारपा खातीर संबंधित खात्या कडेन संपर्क दवरप.
- पूर्व प्राथमीक शाळा/आंगणवाडींत नांवनोंदणी जाल्ल्या भुरग्यां खातीर प्रोत्साहन, शिकोवप-शिकप हाच्या खातीर साधनां, स्टेशनरी दिवन प्रोत्साहन दिवप.
- पूर्व प्राथमीक आंगणवाडी कल्याण समितीक सशक्त करप.
- गांवांतल्या वाचपघरांक घटाय दिवन साक्षरता कार्यावळींक तेंको दिवप.

## 6. त्या खातीर संसाधनांचो सोद

- **इंटेग्रेटेड चायल्ड डेव्हलपमेंट स्कीम (ICDS)**
- **सर्व शिक्षा अभियान (SSA)**
- **नॅशनल स्कील डेव्हलपमेंट प्रोग्राम (NSDP)**
- **नॅशनल डिजिटल लिटरसी मिशन**
- **दीन दयाळ उपाध्याय ग्रामीण कौशल्य योजना (DDU - GKY)**
- **दीन दयाळ अंत्योदय योजना (DAY-NRLM)**

## 7. आमकां तेंको दिवपी लोक

**शिक्षक**, SMCs, **आंगणवाडी**, **आशा**, **साक्षरता वावुरपी**, **हेर खात्यांचे कर्मचारी**, ICDs **सुपरवायर्स**.

## 8. एक उदाहरण

### ग्राम पंचायतीन जर सगल्या भुरग्यांची नांव नोंदणी करपाची थारायली जाल्यार कशीं पावलां उखलचीः

- ग्राम सभा आपोवप.
- शाळांनी 100 टक्के नांवनोंदणी करपाची कल्पना ग्राम सभे मुखार दवरप.
- जाहीर मोहीम आनी घरा-घरांनी वचून ती मोहीम चलोवपाचें थारावप.

- ही कार्यावळ ग्राम पंचायत विकास येवजणेंत (GPDP) आसपावप.
- शाळेंत वचपाचे पिरायेच्या भुरग्यांचें सर्वेक्षण करप.
- सध्याचे नांवनोंदणीचो अदमास घेवप.
- शाळांतले गळटीचीं कारणां/नांव नोंदणी जायनासतना रावपाच्या कारणांचें विश्लेशण करप.
- सामान्य वा खासा अश्या कारणांचेर उपाय काडप.
- घरा-घरांनी वचून नांवनोंदणी करपाची मोहीम चलोवप.
- समुदायाची प्रतिनिधीक देखरेख समिती नेमप.
- नांवनोंदणी, हाजरी आनी तिगोवणी हांचेर नेमान देखरेख करपाची वेवस्था करप

## 9. हो प्रयोग तगावक्षम विकासाच्या ध्येयां कडेन कसो जुळिल्लो आसा?

तगावक्षम विकासाचें ध्येय - 4 - समावेशक आनी सम प्रमाणांतल्या गुणवत्ता शिक्षणाची निश्चिती आनी सगल्यां खातीर आयुश्यभर शिक्षणाच्या संदींक फाटबळ दिवप.

## 10. विश्वव्यापी मोखी

- 2020 मेरेन चलयो आनी चले हांणीं फुकट, सम प्रमाणांतलें आनी गुणवत्तेचें प्राथमीक आनी माध्यमीक शिक्षण घेतलां आनी त्या शिक्षणाची परिणामकारक अशी निश्पत्ती जावंक जाय.
- 2020 मेरेन सगल्यो चलयो आनी चले भुरग्यांक गुणवत्तेची आरंबाच्या भुरगेपणांतली उदरगत, जतनाय आनी पूर्व प्राथमीक शिक्षण मेळूंक पावलां आनी तीं सगळीं भुरगीं प्राथमीक शिक्षण घेवपाक तयार जाल्यांत हाची खात्री करून घेवप.
- 2020 मेरेन सगळीं बायलां आनी दादल्यांक परवडपा सारकें आनी दर्जेदार तंत्रीक, वेवसायीक आनी तिसऱ्या पावंड्यावेलें म्हळ्यार विद्यापीठ पावंड्यावेलें शिक्षण मेळूंक पावलां हाची खात्री करून घेवप.
- 2020 मेरेन तंत्रीक आनी वेवसायीक कुशळटाय, रोजगार, सभ्य नोकऱ्यो आनी धडाडीची उद्येजकता ह्या क्षेत्रांतल्या तरणाटे आनी प्रौढ लोकांचो आंकडो फावो तसो वाडोवप.
- 2020 मेरेन शिक्षणांतलो लिंगभेद सोंपोवप आनी अपंगूळ, देशी लोक आनी भुरगीं जी आघातक्षम परिस्थितींत आसात तांकां उंचेल्या शिक्षणांत आनी वेवसायीक शिक्षणांत समान संदी मेळोवन दिवप.
- 2030 मेरेन तरणाट्यो व्यक्ती आनी लोकसंख्येचो चडसो वांटो (बायलो आनी दादले) साक्षर जातले आनी आंकड्यांची गणिताची साक्षरताय मेळयतले अशी खात्री करप.



**आतां तुमचे ग्राम पंचायतीन थारायिल्लीं ध्येयां आनी मोखी पळयात –** तुमी विश्वव्यापी ध्येयां आनी मोखी हांचे खातीर योगदान दितात. तो वावर जावन आसा - समावेशक आनी सम प्रमाणांतल्या गुणवत्तेच्या शिक्षणाची निश्चिती आनी सगल्यां खातीर आयुश्यभर शिक्षणाच्या संदींक फाटबळ दिवप!

**तुमचे ग्राम सभेक गतीमान करात. तुमचे पंचायतीच्यो मुखेल अश्यो मोखी थारायात आनी सरकारी बिन-सरकारी एजंसीं कडेन समन्वय करात. केंद्र सरकार आनी राज्य सरकाराच्या तरेकवार येवजण्यांतल्यान संसाधनां सोदून काडात. समुदायांत ह्यो-सुविधा पावतल्यो हाची खात्री करून घेयात.**

**तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां गांठपा खातीर फ़ुडारी जायात!**

5 लिंगीक समानता


## तगावक्षम विकासाचें ध्येय - 5

### स्त्री-पुरुश समानता प्रत्यक्षांत हाडून अस्तुऱ्यो आनी चली भुरग्यांक सक्षम करप

# स्त्री-पुरुश समानता विकास

## 1. परिचयः लिंगीक समानता आनी अस्तुऱ्यांक सक्षम करप

भारतीय संविधान भेदभाव-विरयत भारताचो विचार करता. लिंगीक समानता आनी बायलांक समान हक्क मेळ्ळे बगर समाजीक आनी उदरगती मदली विशमताय पैस जावची ना.






## 1.1. समाजा मुखार लिंगीक समानताये संबंधी आशिल्लीं आव्हानां

- बायलांची शारीरिक आनी मानसीक हिंसा.
- भुरगेपणांत केल्लीं लग्नां, लग्नाचे पिराये पयलीं जातलीं लग्नां, सक्तीन केल्लीं लग्नां.
- अनीतीक वेपारा खातीर बायलांचो वापर, वेठ बिगारी आनी सक्तीचें थळांतरण.
- अपंगूळ आनी जाण्ट्या बायलांचो दुरुपेग आनी तांचें आरोग्य, पोशण आनी समाजीक आदान-प्रदान ह्या बाबतींत तेंको नासप.
- किशोर वयांतल्या चलयांचें शिक्षण, आरोग्य आनी पोशण हांच्या बाबतींत तेंको नासप.
- सर्वसामान्यपणान बायलांनी केल्ल्या घरगुती कामाचो मोबदलो फारीक करनात आनी त्या वावराक किंमतय दिनात. संवसारीक पावंड्यार दादलो मनीस घरगुती कामां खातीर जितलो फुकट वेळ दिता ताचे परस तीन पटींनी चड वेळ बायल मनीस घरगुती कामा खातीर फुकट वेळ दिता. भारतांत तर ती 9.8 पटीन चड वेळ घरच्या वावराक दिता.

ही तरेकवार असमानताय पैस करपा खातीर थळाव्या पावंड्यार विकास आनी हस्तक्षेप जावप खूब म्हत्वाचें आसता. कारण थळाव्या समाजीक संस्थांची बायलांक आनी चलयांक सक्षम, सबळ करपाच्या वावरांत समाजीक रिवाजांत म्हत्वाची भूमिका आसता. थळावें समाजीक नेटवर्कय हातूंत

म्हत्वाची भूमीका करता. लिंगीक असमानतायेंत धोरणात्मक हस्तक्षेपा वरवीं नव्यो कल्पना, आनी प्राशसकीय चालीरितींत बदल करून अपेक्षे प्रमाण परिणाम सादूं येता.

**आमच्या गांवाच्या सर्वंकश विकासाचे नदरेन स्त्री-पुरुश समानता प्रत्यक्षांत हाडून अस्तुऱ्यो आनी चली भुरग्यांक सक्षम करप हाची खात्री करून घेवप. गांवांचें प्रशासन म्हण ग्रामपंचायतीची हातूंत भूमीका आनी जापसालदारकी आसा अशें तुमकां दिसना?**


## 2. ग्राम पंचायतच कित्याक?

भारतीय संविधानाचे 73 वे दुरुस्तेंतल्या इकराव्या परिशिश्टा प्रमाण महिला आनी बाल विकास ग्राम पंचायती कडेन हस्तांतरीत केला.

| लिंगीक समानताय आनी महिलांचें सबळीकरण हाच्या खातीर ग्राम पंचायत हो वावर करूंक शकता | |
|---|---|
| प्रोत्साहन दिवप | • बेटी बचाओ-बेटी पढाओ हें तत्वज्ञान.<br>• लिंगीक असमानतायेचे विरुद्ध जागृती करप.<br>• चली भुरग्यांची शाळांनी नांवनोंदणी करप आनी तांची तिगोवणी.<br>• सार्वत्रिक जल्म नोंदणी |
| सोंपें करप | • भुरगेपणांतल्या लग्नांक प्रतिबंध करप, लिंग भेदावेले गर्भपात आनी बायलां आनी भुरग्यांच्या अनीतीक वापराक प्रतिबंध करप.<br>• समुदायांतल्या बायलांच्यो प्रतिनिधी, तळागाळांतले कार्यावाहक हांची ग्राम समन्वय समिती स्थापन करप.<br>• सहभागी पद्धतीन लिंगीक समानतायेचे स्थितीचो अभ्यास करप आनी ग्राम सभेच्या निर्णयांची म्हायती सगल्यां मेरेन पावोवप.<br>• आंगणवाडींत सगल्या चली भुरग्यांची नांव-नोंदणी करप आनी नियमीत हाजरी आसतली अशें पळोवप.<br>• स्वयं सहाय्य पंगडाच्या (SHGs) वित्तीय कार्यावळींनी बायलांक वांटेकार करप.<br>• ग्राम पंचायत पावंड्याचेर बायलांक सार्वत्रिक स्वरूपाचें ‘पूर्ण शक्ती केंद्र’ नांवांचें सेवा केंद्र सुरू करप. |

| | |
|---|---|
| खात्री करप | • किशोरवयांतल्या चलयांक जिविका आनी कुशळटाय विकास कार्यावळींत आसपावन घेवन वावराक लावप.<br>• बायलां आनी भुरगीं हांच्या खातीरच्या मुळाव्या सोयी-सवलतींक रिगाव.<br>• थळांतरण करपी बायलो आनी चलयो हांची नांव नोंदणी करून तांचो माग दवरप.<br>• भुरगेपणांतलीं लग्नां, चली भुरग्याची शक्यताय आसल्यार गर्भपात करप असल्या भेदभाव करपी आनी बेकायदेशीर घडणूको गांवांत जावच्यो नात.<br>• थळावी विकास समिती, वावुरपी गट आनी थळावें प्रशासन हातूंक बायलांक वांगडी करून घेवप आनी तांकां सहभागी जावंक लावप. |
| सबळीकरण करप | • चलयांक उच्च शिक्षण आनी तंत्रीक कुशळटायो हातासपाक आनी चलयांक कामगार बाजारांत दैंवपाक. |

## 3. ग्राम पंचायतींत लिंगीक समानतायेची येवजण कशी सुरू करची?




### 3.1. लिंगीक समानताय आनी महिलांचें सबळीकरण ही येवजण चालीक लायतना आमची ग्राम पंचायत खंयच्या मुद्द्यांचेर भर दिवंक शकता?

- महिला आनी चली भुरगीं हांचे विशीं आशिल्ली सगल्या तरांची असमानताय पुरायेन सोंपल्या हाची खात्री करपा खातीर पावलां उखलप.
- गांवांक कसलेय तरेची महिला आनी चली भुरगीं हांचे विशीं हिंसा जायनाशिल्लें सुरक्षीत वातावरणाचें गांव जावचें म्हण वावर चालीक लावप.

- समान कामा खातीर समान मोबदलो/दिसवडो मेळटा हाची खात्री करून घेवप.
- थळाव्या प्रशासनांत आनी निर्णय घेवपाच्या वावरांत महिलांचो समान वांटो आसा हाची खात्री करप.
- गांवांतल्या दरेक महिला आनी चली भुरगें हाका शिक्षण आनी आरोग्य सेवा हातूंत रिगाव मेळटा हाची खात्री करप.

**हीं आमचीं ध्येयां आसूंक फावतात!**

## 3.2. हीं ध्येयां गांठपा खातीर आमी कश्यो मोखी थारावंक शकतात?

हीं जर आमचीं ध्येयां आसात जाल्यार तीं केन्ना मेरेन साध्य करपा खातीर खंयच्या गजालींची निश्चितपणान आंखणी करची पडटली? आमचे ग्राम पंचायतीच्यान मुखार दिल्ली येवजण करूं येत?

| | | |
|---|---|---|
| गांवांतल्या सगल्या चली भुरग्यांचीं आंगणवाडी आनी शाळेंत नांव नोंदणी करप आनी ती तिगून रावतली हाची खात्री करून घेवप. | गांवांतल्या भुरग्यांचीं लग्नां आनी लिंगीक निवडी प्रमाण गर्भपात करप हाका पुरायेन प्रतिबंध करप. | ग्राम सभेंत किमान 50 टक्के बायलांची उपस्थिती आसतली हाची खात्री करून घेवप. |
| गांवांत फारीक करपाचो दिसवडो दादल्यांक आनी बायलांक समान आसतलो अशें पळोवप. | स्वयंसहाय्य गटांतल्या महिला वांगड्यांचो भोवमान करप. | |

**म्हंटगीर हाचेर आदारून आमी आमच्यो मोखी विकसीत करूंक शकतात! मोखीं खातीर निश्चित काल मर्यादा थारोवन आमच्यानी वावर चालीक लावं येता!**

## 3.3. ग्राम पंचायत कितें करपाक शकता? कृती करपाचे मुद्दे

- लिंगीक भेदाभेद आनी हिंसेच्यो घडणुको हांचेर कारवाय करपा खातीर त्यो पंचायत समिती मुखार हाडप.
- गांवाच्या लिंगीक सद्यस्थितीचो अभ्यास करपाक वा फाटल्या कांय वर्सांत लिंगीक स्तराचेर उदरगतीचो अणभव आनी तातूंत हस्तक्षेप करपाक आशिल्लो वाव (स्थितीदर्शक विश्लेशण) करपाक प्रोत्साहन दिवप.

- लोकांच्या प्रवृत्तींत बदल करपा खातीर प्रोत्साहन दिवपाक ग्राम पंचायत समिती कडेन सतत चर्चा आनी प्रशिक्षण दिवपाचो वावर जातलो हाची खात्री करून घेवप.
- लिंगीक समानतायेचे दिकेन प्राधान्यक्रमान थारायिल्लो वावर पुराय करपा खातीर समितीची नियुक्ती करप.
- लिंगीक समानताये विशींचो वावर करपी तरेकवार खातीं/एजंसी/समुदाय संघटणा हांकां एकठांय येवन वावर फुडें व्हरपा खातीर एकत्रित बसका जावच्यो म्हण आदार करप.
- थारायिल्लीं ध्येयां आनी तिच्यो मोखी पुराय करपा खातीर मोहिमो चालीक लावपाक प्रोत्साहन दिवप.
- लिंगीक मुद्द्यांचेर कृती करपा खातीर देखरेख करपी वेवस्था विकसीत करप.



## 4. त्या खातीर संसाधनांचो सोद

- **नॅशनल मिशन फॉर एम्पॉवरमेंट ऑफ वीमेन (NMEW)**
- **बेटी बचाओ बेटी पढाओ**
- **जननी सुरक्षा योजना (JSY)**
- **राष्ट्रीय बाल स्वास्थ्य कार्यक्रम**

- **इंटेग्रेटेड चायल्ड डेव्हलपमेंट स्कीम (ICDS)**
- **सुकन्या समृद्धी योजना (गर्ल चायल्ड प्रॉस्पॅरिटी स्कीम)**
- **राजीव गांधी स्कीम फॉर एंपॉवरमेंट ऑफ अॅडोलेसंट गर्ल्स (SABLA)**
- **स्वच्छ भारत मिशन**
- **नॅशनल हेल्थ मिशन (NHM)**
- **सर्व शिक्षा अभियान (SSA)**

## 5. आमकां तेंको दिवपी लोक

आयसीडीएस सुपरवायझर्स, आंगणवाडी वावुरपी, शिक्षक, आरोग्य-सेवे खातीर वावुरपी, आशा वावुरपी, थळावे पोलीस, वकील, स्वयं सहाय्य गट आनी हेर.

## 6. एक उदाहरण:

### भौशीक आनी खाजगी क्षेत्रांत महिला आनी चली भुरगीं हांचेर जावपी सगल्या तरांची हिंसा ना करपा खातीर येवजण करप

1. महिलांचेर जावपी सगल्या तरांच्या हिंसेचो मुद्दो ग्राम सभेमुखार दवरप.
2. ग्राम पंचायत विकास येवजणेंत (GPDP) ह्या मुद्द्याचो आसपाव - महिला आनी भुरगीं हांचेर जावपी हिंसे आड प्रतिबंध करपा खातीर खासा समिती स्थापन करून घेवप.
3. लिंगीक समानताये विशींची जागृताय कार्यावळ तरेकवार पावंड्यांर घडोवन हाडप,
4. दरेक शाळांत एक लिंगीक प्रस्ना खातीर आनी समुपदेशना खातीर एक सुवात दवरप
5. महिला आनी भुरगीं हांचेर जावपी अत्याचारांचेर दक्षतायेन दखल घेवपा खातीर समुदायीक पावंड्यावेलो एक जतनाय पंगड स्थापन करप.
6. भौशीक थळां राखणेची वेवस्था आशिल्ल्यो सुरक्षीत सुवाती आसात हाची खात्री करून घेवप.
7. मजुरी खातीर वा हेर कारणांक लागून गांवांतल्यान थळांतर करपी महिला आनी चली भुरगीं हांची नांव-नोंदणी करून तांचो सारो-पुरो माग दवरप.
8. गांवांतल्यान थळांतर केल्ल्या सगल्यांची नोंदणी ग्राम पंचायतींत जाल्या हाची खात्री करून घेवप.
9. अत्याचाराक बळी पडिल्ल्यां खातीर कुशळटाय विकास कार्यावळ सुरू करपा खातीर थळाव्या शिक्षण संस्थांक प्रोत्साहन दिवप.
10. महिलांचेर जावपी अत्याचारां विशींचे नेम आनी कायदे हांची जाणविकाय समुदायाक करून

दिवप, आनी अत्याचारांच्या घटनेआड कोणा कडेन कागाळ करप/संपर्क साधप हाचे विशी जागृताय करप.

11. महिला काम करतात अश्या संस्थां मदीं अंतर्गत तक्रार समिती स्थापन करप आनी तांकां थळावी कागाळ समिती, जिल्लो आनी खात्या कडेन जोडून दिवपाची वेवस्था आसा हाची खात्री करप.

## 7. हो प्रयोग तक्षावक्षम विकासाच्या ध्येयां कडेन कसो जुळिल्लो आसा?

तगावक्षम विकासाचें ध्येय-५ स्त्री-पुरुष समानता प्रत्यक्षांत हाडून अस्तुऱ्यो आनी चली भुरग्यांक सक्षम करप.

## 8. विश्वव्यापी मोखी

- सगल्या कडच्या महिला आनी चली भुरग्यां आड आशिल्ली सगल्या तरांची असमानताय सोंपवप.
- भौशीक आनी खाजगी क्षेत्रांत महिला आनी चली भुरगीं हांचेर जावपी सगल्या तरांची हिंसा आनी महिलांची अनैतिक व्यापार, लिंगीक आनी हेर तरांचें शोशण ना करप.
- भुरगेपणांतलीं लग्नां, सक्तीन केल्लीं लग्नां आनी महिलांच्या प्रसवशक्तीचें खच्चीकरण असल्यो वायट चालीरिती ना करप.
- दरेक घरांत आनी घराब्यांत कसल्याच मोबदल्याविणे जातल्या घरगुती वावर आनी जतनायेची दखल घेवन मोल थारावप. ताच्या खातीर भौशीक सेवेच्यो तजविजो, साधन-सुविधा आनी सुरक्षा धोरण आनी कुटुंबांत आनी घरांत जापसालदारकी तेच परी वावर वांटून घेवपाच्या राष्ट्रीय पावंड्यावेल्या समजिकाये प्रमाण तें थारावप.
- राजकीय, अर्थीक आनी भौशीक जिणेंत सगल्या पावंड्यार फुडारपण करपाक महिलांचो पुरायेन आनी परिणामकारक सहभाग, समान संदी उपलब्ध आसात हाची खात्री करप

आतां तुमचे ग्राम पंचायतीन थारायिल्लीं ध्येयां आनी मोखी पळयातः तुमी विश्वव्यापी ध्येयां आनी मोखीं खातीर योगदान दितात, तो वावर जावन आसा स्त्री-पुरुश समानता आनी महिला आनी चली भुरग्यांक सबळ करप!

तुमचे ग्राम सभेक गतीमान करात. तुमचे पंचायतीच्यो मुखेल अश्यो मोखी थारायात, आनी सरकारी, बिन सरकारी एजंसीं कडेन समन्वय करात. केंद्र सरकार आनी राज्य सरकाराच्या तरेकवार येवजण्यांतल्यान संसाधनां सोदून काडात. समुदायांत ह्यो सेवा, सुविधा पावतल्यो हाची खात्री करून घेयात.

तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां गांठपा खातीर फुडारी जायात!

6 स्वच्छ उदक आनी नितळावणी

## तगावक्षम विकासाचें ध्येय - 6
### सगल्यां खातीर उदक आनी नितळावणी हांचे खातीर तगावक्षम वेवस्थापनाची निश्चिती

# स्वच्छ भारत स्वच्छ गांव

### 1. परिचय:

## उदकः जिणेचो परीस! नितळावणीः आरोग्यसंपन्न जिणेची निकड !

मनीस-जिणे खातीर उदक सामकें गरजेचें. उदकाचे पावस, झरी, न्हंयो, तळीं, तळयो, बांयो, बोर-वेल, ट्यूब-वेल अशे तरेकवार स्त्रोत आसात. दरेक घराब्याची रांदपाक, पिवपाक, कपडे उमळपाक, आयदनां घांसपाक, घर निवळ करपाक, न्हावपाक-धुवपाक, स्वताचे नितळावणे



खातीर, जनावरां खातीर, पोरसांतल्या झाडां खातीर, अश्यो तरेकवार गरजो भागोवपा खातीर उदकाची गरज आसता. त्या खातीर फावो ते निवळसाणेचें आनी गरजांक फावो तितलें उदक मेळ्ळ्यार जिणेचो दर्जो सुदारता.

स्वच्छ उदक आनी नितळावणी हांतलो सामको म्हत्वाचो मुद्दो म्हळ्यार उदक वापरून जातगीर उरिल्लें उदक इबाडून ताचें कोंड जावप तें दूशीत जावप. तें जावं नये हाचे खातीर भोव जतनाय घेवन उपाय करप गरजेचें आसता. अशे तरेन, नितळावणेचे उपाय हे माती आनी उदकाच्या स्तोत्रांचें प्रदूशण टाळपाच्या उद्देशीं केल्ले आसतात. स्वच्छ भारत राखपा खातीर. 'स्वच्छ भारत अभियाना'खाला खूबश्यो कार्यावळी चालू केल्यात. पुराय भारतांत हगणदारी पसून मुक्त अशीं सगळीं गांवां अशी मोख दवरिल्ली आसा.

आमच्याय गावान सगल्यांक उदक मेळटलें आनी पुराय गांव स्वच्छ आसतलो हाची खात्री करून घेवं नाका? गांवचें थळावें प्रशासन ह्या नात्यान ग्राम पंचायतीची हातूंत भूमीका आनी जापसालदारकी आसा अशें तुमकां दिसना?

## 2. ग्राम पंचायतच कित्याक?

भारताच्या संविधानाचे 73वे दुरुस्तींतल्या इकराव्या परिशिश्टा प्रमाण पिवपाचें उदक, आरोग्य आनी नितळावणी हे विशय ग्राम पंचायतीचे अशें थारायलां.

| स्वच्छ ग्राम पंचायत जावपा खातीर ग्राम पंचायतीच्यान फुडें दिल्लीं कामां करप शक्य आसा | |
|---|---|
| खात्री करून घेवप | • शौचालयाची सुविधा नाशिल्लीं घरा सोदून तें निवळापाचे उपाय करप.<br>• शौचालयांचो वापर आनी तांची देखरेख वेवस्था.<br>• घन आनी द्रव कोयराचो विलो लावपाच्या सुविधांचें वेवस्थापन.<br>• तर्कीकरणा प्रमाण उदकाच्या वापराची क्षमता दवरप.<br>• उदक आनी नितळावणीचे मुद्दे ग्राम विकास येवजणेंत (GPDP) आसपावन घेवप.<br>• ग्राम विकास येवजणेंतल्यो (GPDP)सगल्यो कार्यावळी तडीक व्हरतना पर्यावरणीय संरक्षणाक पाळो दिवप. |
| प्रोत्साहन दिवप | • आरोग्यशास्त्राचें (नितळसाण) शिक्षण.<br>• सगळीं घरां आनी संस्था हांच्या खातीर शौचालयां.<br>• उदकाच्या संवर्धना खातीर आधुनीक शेतकामाची तरा आनी उदकाच्या वापरा विशींचें तंत्रज्ञान वापरप.<br>• उदकाच्या वापरा विशीं तर्कीकरण करून फावो तसलीं पिकां घेवप. |

| | |
|---|---|
| प्रोत्साहन दिवप | • आरोग्यशास्त्राचें (नितळसाण) शिक्षण.<br>• सगलीं घरां आनी संस्था हांच्या खातीर शौचालयां.<br>• उदकाच्या संवर्धना खातीर आधुनीक शेतकामाची तरा आनी उदकाच्या वापरा विशींचें तंत्रज्ञान वापरप.<br>• उदकाच्या वापरा विशीं तर्कीकरण करून फावो तसलीं पिकां घेवप. |
| संस्थापन | • थळाव्या पर्यावरणाचे राखणेचे उपाय.<br>• उदकाच्या स्त्रोतांचेर पाळत दवरप.<br>• उदकाच्या स्त्रोतांची राखण करप. |
| थारावणी आनी प्रत्यक्ष वावुरप | • पर्यावरण वेवस्थेची चौकट.<br>• उदका पुरवणेच्यो येवजण्यो |
| आदार दिवप | • योग्य शिंपणावळ पद्धती.<br>• पिकाक फावो तितलेंच उदक काडपाचे नेम.<br>• थळाव्या लोक समूहांचो उदक आनी नितळावणी सुदारपाच्या कार्यावळींत सहभाग. |



## 3. ग्राम पंचायतींत सगल्या कडांनी उदक आनी नितळावणीचे वेवस्थे खातीर ग्राम पंचायतीच्यान कशी येवजण सुरू करूं येता?

### 3.1. उदक आनी नितळावणी हांची येवजण तयार करतना आमचे ग्राम पंचायतीचो भर कित्याचेर आसचो?

- वर्सयभर वातावरणांत आनी हवामानांत बदल जाले तरीकय सगल्या घरांनी मुळाव्या वापरा खातीर फावो तितलें निवळ उदक मेळटलें हाची खात्री करप.
- गांवांतल्या उदकाच्या स्त्रोतांची राखण करप. त्या खातीर सुरक्षीत नितळावणीचे उपाय आपणावप आनी प्रदूशीत उदकाचेर प्रक्रिया करप.
- गांवांतल्या समुदायांक उदकाचो सुरक्षीत वापर, प्रदूशण टाळप आनी आरोग्या विशींच्यो बऱ्यो संवयी हांचे विशीं शिक्षीत करप.
- सगलीं घरां, सार्वजनीक कार्यालयां, संस्था आनी भौशीक थळांचेर सुरक्षीत नितळावणी आशिल्ल्याची खात्री करून घेवप. चलयो आनी बायलांची फावो तशी सोय जातली अशी आंखणी वेवस्था करप.
- दरेक घरांत आनी संस्था मदीं उदकाचो इबाड जावचो ना हें आमचें ध्येय आसतलें.

### 3.2. हीं ध्येयां गांठपा खातीर मोखी कश्यो थारावच्यो?

हीं जर आमचीं ध्येयां आसात, जाल्यार तीं केन्ना मेरेन साध्य करपा खातीर खंयच्या गजालींची निश्चितपणान आंखणी करची पडटली? आमचे ग्राम पंचायतीच्यान फुडें दिल्ली येवजण करूं येत?

गांवांतल्याबांयचें मेळटा तें पिवपाचें उदक आनी नितळावणी हांची टक्केवारीघे वप. दरेक घरआनी संस्था हांतल्यानवापरिल्ल्या उदकाचो दर्जोआनी ताचेर प्रक्रिया करून, गाळून ताचो उपेगशिंपणावळ , पोरसूं आनी धुवपा खातीरची शक्यताय तपासून घेवप.

गांवांतल्या दरेक घरांत दर दिसा दर मनशा फाटल्यान40 लिटरउदक वर्सय भर नळांतल्यान दिवपाची वेवस्था जातली हाची खात्री करून घेवप.

लोकांक सुरक्षीत उदकाचो वापर आनी उदकाच्या इबाडाकप्रतिबंध तेंच प्रमाण आरोग्याच्योबऱ्यो संवयी हांचे संबंदान शिक्षीत करप..

लोकांचे टक्केवारी प्रमाणात घरां आनी सार्वजनीक संस्था हातूंत भुरगीं आनी महिला हांकां फावो तश्या शौचालयांची आंखणी करून चालीकलावप .

जमीनीचो भूभाग, भूगर्भांतलो जलस्तर, मेळपा सारकें आशिल्लें उदक, हवामान हांचो विचार करून आनी गरजेपुरतोच उदकाचो वापर जातलो आनी शौचालयांक लागून गांवांतले उदकाचे स्त्रोत इबाडचे वा प्रदूशीत जावचे न्हय म्हण गांवांत तरातरांच्यो शौचालय सुविधा मेळोवन दिवप.
देखीकः सेप्टीक टँक, बायोगॅस टँक, ड्राय पिट, शॅलो डबल पिट, सिवेज ट्रिटमेंट प्लांट. गांवच्या वाठाराची गरज आनी उदकाची पुरवण हांचो विचार करून ही वेवस्था करप.

घर आनी शेजार पावंड्यारबायो डिग्रेडेबल कोयर/घराघरांनी एकठांय करून ताचो विलो लावपाचें वेवस्थापन करप. हो कोयर सुको आनीओलो असो वेगळावपाची वेवस्था आनी तशी संवय लागची अशें वेवस्थापन करप.

पंचायतपावंड्यार संसाधन पंगड स्थापन करप. त्या पंगडाक प्रशिक्षण दिवप, संसाधनांनिर्माण करप, समुदायाक शिक्षीत करप, थारायिल्ल्या घरांनी भेटी दिवप, संस्थांक भेटी दिवप आनी आरोग्या विशीं शिक्षीत करप.

म्हंटगीर हांचेर आदारून आमी आमच्यो मोखी विकसीत करूंक शकतात! मोखीं खातीर निश्चित अशी काल मर्यादा थारोवन आमच्यानी वावर चालीक लावं येता!

## 3.3. ग्राम पंचायत कितें करूंक शकता? कृती करपाचे मुद्दे

- सहभागी सर्वेक्षणा वरवीं गांवांच्यो उदका संबंदींच्या गरजांचो हिशोब करप, उदकाची गरज, उदकाचे स्त्रोत, हातांत घेतिल्ल्यो येवजण्यो, गांवांत निर्माण जावपी घन आनी द्रव कोयर (दोनय बायो डिग्रेडेबल आनी नॉन-बायो डिग्रेडेबल) हांचो. म्हंटगीर उदका पुरवणेचो गरजेचो अदमास, नितळावणी, पर्यावरणीय नितळावणी आनी कोयराचो विलो लावपाच्या वेवस्थेचो आंवाठ कळटलो.
- ग्राम पंचायतीच्यो उदक आनी नितळावणीची ध्येयां आनी मोखी निश्चित करप.
- सहभागी पारखणी उपरांत ग्राम पंचायती खातीर उदका पुरवण आनी नितळावणी खातीर योग्य अशें तंत्रज्ञान आपणावप.
- शाळा आनी आंगणवाडींत (दादले आनी चलयां खातीर वेगळीं) चालू स्थितींतलीं फावो तितलीं शौचालयां आसात हाची खात्री करून घेवप.
- ग्राम पंचायतीच्या प्राकारांतलीं आनी बाजारा सारक्या सार्वजनीक थळावेलीं शौचालयांची सांबाळणी आनी देखरेख जाता हाची खात्री करून घेवप.
- उदका पुरवणेची उपलब्धता, स्त्रोतांची तगावक्षमता, उदकाच्या प्रदूशणांत उणाव हाडप,

नितळावणी आनी कोयराचो विलो लावपाचें वेवस्थापन हांकां आदार दिवंक शकतात अश्यो येवजण्यो राज्य/राष्ट्रीय/आंतरराष्ट्रीय एजंसी, तांच्यो येवजण्यो आनी कार्यावळी, निम सरकारी एजंसी  आनी कंपन्यो सोदप आनी तांचो आदार घेवप.

- फावो तितली उदकाची पुरवण, स्वच्छता आनी पिवपाचें उदक तेच परी नितळावणी सुविधा हांच्या खातीर संबंदित एजंसी कडेन संपर्क करून खात्री करून घेवप.
- उपलब्ध आशिल्ले आनी तयार करपाक घेतिल्ले मालमत्तेचें वेवस्थापन करपा खातीर आनी तशी तांक निर्माण करपा खातीर लोकांची समिती स्थापन करप.
- उदक आनी नितळावणे संबंदींचे मालमत्तेचें वेवस्थापन करपा खातीर कळीचे मुद्दे लोकांक सांगून शिक्षीत करप.
- दर वर्सा कितलें उदक मेळटलें हाचो अदमास घेवन तो लोकांक कळीत करप आनी ताचे वयल्यान फावो तसलीं पिकां घेवप.
- ही कार्यावळ चालीक लायतना येतल्या आडमेळ्यांचेर देखरेख करप आनी तीं सुटावीं करप.

## 4. त्या खातीर संसाधनांचो सोद

- **ॲक्सलरेटेड रूरल वॉटर सप्लाय प्रोग्राम (ARWSP)**
- **स्वच्छ भारत अभियान**
- **इंटेग्रेटेड वॉटरशेड मॅनेजमेंट प्रोग्राम (IWMP)**
- **नॅशनल वॉटर ड्रिंकिंग रूरल प्रोग्राम**
- **हेर केंद्र सरकार आनी राज्य सरकाराच्यो येवजण्यो आनी कार्यावळी**

## 5. आमकां तेंको दिवपी लोक

उदका पुरवण येवजणेतले वावुरपी, गवंडे, मनरेगा सकयल जॉब कार्ड दिल्ले घराबे, स्वच्छता दूत, आरोग्य सेवा वावुरपी, शिक्षक, स्वयंसेवी संघटणा.

## 6. एक उदाहरणः

### ग्राम पंचायतीन जर सगल्या घरांनी उदका पुरवण करपाचें थारायलें जाल्यार घेवपाच्या वावराची येवजणः



- ग्राम सभा आपोवन सगळ्या खातीर उदका पुरवणेचो जितली गरज आसा ती सांगप आनी चर्चा करप.
- ग्राम विकास येवजणेचो (GPDP) वांटो म्हण ह्या विशयाचें परिस्थिती अनुरूप विश्लेशण करप.
- ही येवजण ग्राम विकास येवजणेंत आसपावन घेवप.
- सगल्या गांवाक उदक पावोवपाचे येवजणेची काल मर्यादा थारोवप.
- एक सहभागी सर्वेक्षण करून ज्या वाठारांत उदका पुरवण जाल्ली ना त्या वाठाराची फावो तशी आंखणी करप, ताका लागपी उदकाचे गरजेचो अदमास घेवप, गरज, घरांचो आंकडो, उपलब्ध आशिल्ल्या उदकाच्या स्रोतांचो दर्जो आनी तांची संख्या, शक्य आशिल्ल्या चडावत स्रोतांचो विचार आनी प्रदूशणकारी स्रोतांचो विचार करप.
- सध्याच्यो उदका पुरवणीच्यो येवजण्यो, तांचे खाला कितले वाठार येवं येत, उत्पादन कितलें जावं येत, दर्जो, कालावधी, स्रोतांची तांक आनी तगावक्षमताय हांचो अदमास अभ्यास करून घेवप.
- तगावक्षमताय राखून दवरप, मातयेचें संवर्धन आनी उदकाचें पुनर्निर्माण करपा खातीर हस्तक्षेप करून जे उपाय करूं येत तांचो आराखडो, नकाशो तयार करप
- सगल्या मोसमांनी आनी हवामानांतल्या बदलाचो विचार करून, उपलब्ध आशिल्ल्या उदकाच्या स्रोतां वांगडा ताची जुळणी करप आनी तांतली तफावत वा फरक भरून काडपा खातीर फावो तसले उपाय करप.
- उदका खातीर तरेकवार योग्य तंत्रज्ञानांची निवड/वापर करून, उदक उसपुपाची(पंपींग), उर्जा स्रोतांचो वापर करून दरेका घरा खातीर पुरोशें उदक मेळपाची तजवीज करप.

- देखीक - पावसाचें उदक सांठोवपाची वेवस्था. तिका लागून सुके जमनीकय एकाच बराबर वापर करपाक उदकाची वेवस्था पावसाळ्यांत उक्ताडार आशिल्ल्यो उथळ बांयो भरून घेवप, गिमाळ्यांत आनी खर गरमेंत बोर वेलीचें उदक वापरप, त्याच वांगडा भूभागावेले उदकाचे स्रोत - झरी, न्हंयो, तळीं, बांयो, सोडून दिल्ल्यो खणी, हांतल्या उदकाचो वापर करप.
- ह्या स्रोतांतल्यान उदक गाळून घेवप, येवजणे प्रमाण प्रक्रिया करप आनी तें फावो ते उंचायेर चडोवन घेवप (पंपींग), ताचे खातीर सैमीक उंचायेचो वापर करप वा जाय त्या सुवातींनी वारो, सौर ऊर्जा आनी वीज हांचो वापर करून घेवप शक्य आसा थंय तांचो वापर करप.
- खर्चाचो अदमास घेवप, उदका पुरवणेची येवजण मुखार व्हरपा खातीर संबंदीत खातीं आनी एजंसी हांचो तेंको मेळोवप.
- सोदून काडिल्ल्या एजंसीं कडेन संपर्क सादप आनी जाय थंय हस्तक्षेप करून वेळा भितर येवजण/प्रकल्प पुराय करप.
- उदकाचो वापर करप्यांचो गट स्थापन करप. तांकां ह्यो येवजण्यो चालीक लावपाक आनी चालू दवरपा खातीर जाय तसलें प्रशिक्षण दिवन मार्गदर्शन करप.
- ह्या वावराचेर देखरेख करपाची वेवस्था करप.

## 7. हो प्रयोग तगावक्षम विकासाच्या ध्येयां कडेन कसो जुळिल्लो आसा?

तगावक्षम विकासाचें ध्येय-6 - सगल्यां खातीर उदक आनी नितळावणी हांच्या खातीर तगावक्षम वेवस्थापनाची निश्चिती.

## 8. विश्वव्यापी मोखी

- 2030 मेरेन सगल्यांक पिवपाचें उदक सार्वत्रीक आनी समप्रमाणांत परवडपा सारकें मेळप.
- सगलीं घरां आनी संस्थांमदीं आनी भौशीक थळांनी बायलां आनी चली भुरगीं हांकां सहजतायेन वापरपा सारकी आंखणी केल्ल्या शौचालयांची पुरवण करप आनी तांचो फावो तसो वापर करप. कोयराचो विलो लावपाचें वेवस्थापन आनी आरोग्यशास्त्राचें शिक्षण दिवप.




- 2030 मेरेन उदकाचो दर्जो वाडोवप. त्या खातीर प्रदूशण उणें करप, कोयराच्यो राशी ना करप आनी जोखमीचीं रसायनां आनी माल अर्दो सोडिल्ल्या, प्रक्रिया करिनाशिल्ल्या, इबाडल्ल्या उदका वरवीं तांचो वैश्वीक पावंड्यार सुरक्षीत पुनर्वापर करप.
- 2030 मेरेन सगल्या क्षेत्रांशांत उदकाच्या फावो तश्या वापराची तांक वाडोवप आनी जाय

तितलें उदक सदांकाळ मेळटलें हाची खात्री करून घेवप. त्या वरवीं उदका पुरवण करून उदकाचो उणाव पैस करप आनी उदकाच्या उणावा पसून बादिकार जातल्या लोकांचो आंकडो उणो करप.

**आतां तुमचे ग्राम पंचायतीन थारायिल्लीं ध्येयां आनी मोखी पळयातः** तुमी विश्वव्यापी ध्येयां आनी मोखी हांचे खातीर योगदान दितात. तो वावर जावन आसा - सगल्यां खातीर सुरक्षीत, परवडपा सारकें, विस्वासाचें, तगावक्षम अशें पिवपाचें उदक आनी नितळावणेची वेवस्था मेळटली हाची खात्री करून घेवप!

तुमचे ग्राम सभेक गतीमान करात. तुमचे पंचायतीच्यो मुखेल अश्यो मोखी थारायात आनी सरकारी/ बिन-सरकारी एजंसीं कडेन समन्वय करात. केंद्र सरकार आनी राज्य सरकाराच्या तरेकवार येवजण्यांतलीं संसाधनां सोदून काडात. थळाव्या समुदायांत ह्यो सोयी-सुविधा पावतल्यो हाची खात्री करून घेयात.

तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां गांठपा खातीर फुडारी जायात!

7 परवडपा सारकी आनी स्वच्छ ऊर्जा

## तगावक्षम विकासाचें ध्येय - 7
## सगल्यां खातीर परवडपा सारके, विस्वासाचे, तगावक्षम अशे आधुनीक ऊर्जेचे उपलब्धतेची निश्चिती

# सगल्यां खातीर तगावक्षम ऊर्जा

### 1. परिचयः आमचे दरेके क्रिये खातीर ऊर्जेची गरज आसता!

आमची जीण नवेकरण जावपी आनी नवेकरण जावंक शकना अशे ऊर्जेच्या वापरा विणें चलूंक शकत काय हें येवजुवप कठीण आसा. आमकां सगल्या तरांची ऊर्जा लागता. आमचे जिणेच्या दरेक खिणाक आमी ऊर्जेचो उपेग करतातः

- आमकां उदक वयर चडोवपाचें आसल्यार आमी खूबश्यो पद्दती वापरतात. हातांनी, जनावरां वरवीं वा विजेचेर/सौर ऊर्जेचेर/वाऱ्याचेर/डिझेलाचेर/केरोसिनाचेर/बायोगॅसाचेर चलपी पंपा वरवीं आमी तें काम करतात.
- रांदपा खातीर आमी लांकडां, केरोसीन, एलजीपी आनी बायो गॅस वापरतात.



- उजवाडा खातीर आमी तेलाचो दिवो, मेणवाती, केरोसिनाचो दिवो, विजेवेलो बल्ब वापरतात.
- थंडाय घेवपा खातीर आयंडो, विजेवेलो पंखो, हवा थंड करपी कुलर्स वा वातानुकूलक वापरतात.
- रांदचे कुडींत आमी मिक्सर आनी ग्रायंडराचो उपेग करतात.
- उद्देगीक वावर आनी येरादारे खातीर तर तरेकवार यंत्रां वापरतात.

**ही सगली ऊर्जा वेगळ्यो तरा, वेगळें रूप आनी वेगळे मार्ग!**

ऊर्जेचे तरेकवार स्रोत आसात - नवेकरण करप शक्य ना अशी/चालंत, आनी नवेकरण शक्य आसा अशी

| नवेकरण करप शक्य ना/चालंत अशी ऊर्जाः | नवेकरण करपाक जाता अशी ऊर्जाः |
|---|---|
| जळव वा इंधन म्हण वापरतात तो कोळसो, सैमीक गॅस हे नवेकरण करप शक्य नाशिल्ले स्रोत. कारण ते वापरल्या उपरांत सासणाचे सोंपतात. हे स्रोत वापरतात तेन्ना व्हडा प्रमाणार कार्बन डाय ऑक्सायड निर्माण जावन ग्लोबल वॉर्मिंगांत भर पडटा. | सूर्य, वारो, उदक आनी वनस्पती-प्राणी हांच्या पसून जाल्लो कोयर (बायोमास) हे ऊर्जेचे स्रोत सोंपनात, म्हण तांकां ऊर्जेच्या नवेकरणाचे स्रोत म्हणटात. ह्या स्रोतांचो चडांत चड वापर करप म्हळ्यार मनीसजातीचो फुडार सुगूर करप. |

**आमच्या गांवांतल्या दरेक घरांत तरेकवार वावरा खातीर ऊर्जेची गरज आसा. ती कार्यक्षम आनी तगावक्षम आसूंक जाय. गांवाचें थळावें प्रशासन ह्या नात्यान ग्राम पंचायतीक हातूंत भूमिका आनी जापसालदारकी आसा अशें तुमकां दिसना?**

## 2. ग्राम पंचायतच कित्याक?

भारताच्या संविधानाचे 73 वे दुरुस्तेंतल्या इकराव्या परिशिश्टा प्रमाण गांवगिऱ्या वाठारांत वीज पावोवप, ते विजेचें वितरण करप आनी चालंत नाशिल्ले ऊर्जेचे स्रोत हे विशय ग्राम पंचायती कडेन दिल्ले आसात.




| ग्राम पंचायतीच्यान फुडें दिल्ल्यो गजाली करप शक्य आसा: | |
|---|---|
| सोपें करप | • गांवांतलीं घरां, वेपारी अस्थापनां, भौशीक इमारती आनी शिंपणावळी खातीर योग्य अशे अधिकारिणी/एजंसी वरवीं विजेच्यो जोडण्यो दिवप. |
| लोकप्रिय करप | • घरां, आंगणवाडी आनी शाळां मदल्यान बायोगॅस उबारप आनी ताचो वापर करप.<br>• सक्षम ऊर्जा - फावो जायत अश्या इमारतींचीं आंखणी, सक्षम ऊर्जेचो रांदपा खातीर वापर करपाची संवय लावप.<br>• ऊर्जा संवर्धन वा ऊर्जा वाटावपा खातीर एलइडी बल्ब आनी तारांकीत साधनां (Starred appliances) हांचो वापर.<br>• शिंपणावळ, ठिबक सिंचन अश्या कामां खातीर सक्षम ऊर्जेचेर चलपी पंप वापरप. |
| सोपें करप | • घरां आनी संस्था हातूंत सौर ऊर्जेचो वापर वाडोवप.<br>• सक्षम ऊर्जेचेर चलपी रान्नी/चुलींची स्थापणूक करप |




**सगल्या घरांनी आनी आस्थापनांनी विजेच्यो जोडण्यो दिवप, ऊर्जेविशींच्यो कार्यावळी, एलइडी बल्बांचो वापर, बायोगॅस टांकयो आनी असले हेर उपाय लोकप्रिय करपाची मोहीम चलोवप.**

### 3. ग्राम पंचायतीच्या सगल्या वाठारांतल्या लोकांक ऊर्जेच्या कार्यावळींनी रिगाव मेळचो म्हण येवजण कशी सुरू करूं येत?

1. ग्राम पंचायतीन प्राधान्य क्रमान थारायिल्ल्या ध्येयां प्रमाण खंयच्या गजालींचेर पयलीं भर दिवपाचो तें थारावप.
2. थारायिल्लीं ध्येयां गांठपा खातीर मोखी थारावप.
3. थारायिल्ल्या वेळा भितर मोखी पुराय करपा खातीर येवजण तयार करप.
4. कृती येवजणेक तेंको मेळपा सारकीं संसाधनां सोदून काडप.
5. हे कृती येवजणेक आदार दिवपाची तांक आशिल्ल्यो व्यक्ती आनी मानव संसाधनां सोदप.




**आमी योग्य असो सक्षम ऊर्जा स्रोत सोदून काडूंक जाय.**

## 3.1. ऊर्जेचो वापर ही येवजण चालीक लायतना आमची ग्राम पंचायत खंयच्या मुद्द्यांचेर भर दिवंक शकता?

- ग्राम पंचायत वाठारांत उजवाड, घरगुती साधनां, रांदप, शिंपणावळ, वेपारी कार्यावळी आनी उद्देगां खातीर सगल्यांक रिगाव मेळटा हाची खात्री करप.
- सगल्या तरांच्या उपकरणां खातीर सक्षम ऊर्जेच्या वापराची खात्री करप.
- असल्या उपकरणांत नवेकरण करपाक शक्य आशिल्ले ऊर्जेचो फावोसो वांटो मेळटलो हाची खात्री करप

**हीं आमचीं ध्येयां आसूंक फावतात!**

## 3.2. हीं ध्येयां गांठपा खातीर आमी मोखी कश्यो थारावंक शकतात?

हीं जर आमचीं ध्येयां आसात, जाल्यार तीं केन्ना मेरेन साध्य करपा खातीर खंयच्या गजालींची निश्चितपणान आंखणी करची पडटली? आमचे ग्राम पंचायतीच्यान मुखार दिल्ली येवजण करूं येत?

| | | |
|---|---|---|
| सक्षम ऊर्जेचे एलइडी बल्ब आनी सौर ऊर्जेवेले दिवे हांचो वापर सगलीं घरां, शाळा, आरोग्य केंद्रां, आंगणवाडी आनी उद्देगीक अस्थापनां हांतल्यान करपा खातीर सगल्यांक विजेच्यो जोडण्यो दिवप | सक्षम ऊर्जेचेर चलपाच्यो रान्नी/चुली आनी तगावक्षम जळव/इंधन सगलीं घरां, शाळा आनी आंगणवाडी हांकां मेळोवन दिवप आनी प्रेशर कुकर, इन्सुलेटेड बॉक्स असल्या उपकरणांचो वापर करपाक लावप. | जळवा खातीर लांकडां वापरपाक फावो अशीं झाडां/रूख सोदप, बायो गॅस टांकयो बांदप आनी सौर ऊर्जे वरवीं उदक तापोवन ऊर्जेची बचत करप. |
| उदक वयर चडोवपा खातीर पंप वापरतना योग्य तरेच्या पंपाची निवड करप आनी त्या वरवीं उदक वयर चडोवप, ठिबक सिंचन करपा खातीर वारो, सौर ऊर्जा हांचेर चलपी पंपाचो वापर आनी बायो गॅसाच्या वापरान डिझेलाचो वापर उणो करप. | ऊर्जेच्या वापराचेर चलपी उपकरणां घेतना तीं ISO मार्क आशिल्लीं आनी स्टार रेटिंग आशिल्लीं घेवपाक लावपाचो उद्देश बाळगून वावर चालीक लावप. | |

**म्हंटगीर हाचेर आदारून आमी आमच्यो मोखी विकसीत करूंक शकतात! मोखी खातीर निश्चित अशी काल मर्यादा थारोवन आमच्यांनी वावर चालीक लावं येता!**

## 3.3. ग्राम पंचायत कितें करपाक शकता? कृती करपाचे मुद्दे

- रांदप, उदक तापोवप, उजवाडा खातीर, शिंपणावळीक, घराघरांतल्या अन्न पदार्थाचेर प्रक्रिया, उद्देग, वेपारी आस्थापनां (माण, दुकानां) हांच्या खातीर लागतले ऊर्जेचो हिशोब करप.
- ही ऊर्जा वीज, सौर ऊर्जा, बायोगॅस, LPG वा हेर कसल्या योग्य स्रोतांतल्यान घेवपाची तें थारावप.
- तुमचे ग्राम पंचायतीचीं ध्येयां आनी तीं गांठपा खातीरच्यो मोखी थारावप, आमी त्यो पयलींच थारायल्यात!
- गरजेचे ऊर्जेचो हिशोब मतींत घेवन समावेशक अशी ऊर्जा येवजण विकसीत करप. (देखी खातीर मुखार दिल्लो मजकूर पळयात)



- सगलीं घरां आनी आस्थापनां ऊर्जा येवजणेंत आसपावन घेवपा खातीर मोहीम सुरू करप. तातूंत सगल्या घरांनी विजेच्यो जोडण्यो दिवप, LED दिव्यांची प्रसिद्धी करप. बायोगॅस टांकयो आनी हेर स्रोतांचो आसपाव करून घेवप.
- ग्राम पंचायतीचे ऊर्जा येवजणेक तेंको दिवपाक शकतात अश्यो राज्य/केंद्र सरकार/राष्ट्रीय/आंतरराष्ट्रीय एजंसी, तांच्यो कार्यावळी आनी येवजण्यो, बिन सरकारी एजंसी आनी कंपन्यो हांचो सोद घेवप.
- तांचे कडेन संपर्क सादप आनी प्रक्रिया सोंपी करप.
- कार्यावळ चालू आसतना आनी उपरांतय देखरेख करप आनी अडचणी पैसावप

## 4. त्या खातीर संसाधनांचो सोद

- **दीन दयाळ उपाध्याय ग्राम ज्योती योजना (DDUGJY)**
- **सौर ऊर्जेवयले पंप, बायो गॅस, वाऱ्याचे ऊर्जेचो वापर असल्या वावराक अनुदान दिवपी राज्य सरकार आनी केंद्र सरकाराच्यो तरेकवार येवजण्यो**



## 5. आमकां तेंको दिवपी लोक

पारंपारीक गवंडे आनी तांचे कामदार, खात्यांचे कर्मचारी, (वीज खातें, नवेकरण ऊर्जा खातें, ग्रामीण विकास खातें), **ITI**, पॉलिटेक्निक, स्वयंसेवी संघटणा (**NGOs**)

## 6. एक उदाहरण

### सगल्या गांवांत वीज पुरवण करपाचें ग्राम पंचायतीन थारायलें जाल्यार फुडें दिल्यांत तशीं पावलां मारप

- ग्राम पंचायत विकास येवजण थारायतना (GPDP), ग्राम पंचायतीन पुराय गांवांत विजेची पुरवण करची हाचेर चर्चा करून तशें थारावप.
- तो थाराव ग्राम सभेक कळोवप.
- त्या थारावाचेर बारीकसाणीन चर्चा करपा खातीर ग्राम सभेकडल्यान एक ल्हान गट स्थापन करप.
- परिस्थितीचें विश्लेशण करतना तातूंत वीज पुरवण हो एक मुद्दो म्हण आसपाव करप.
- बेगोबेग एक सहभागी सर्वेक्षण करप.
    - वीज जोडणी आशिल्ले कितले लोक आसात?
    - कोणाक आनी कसल्या कामां खातीर वीज जोडणी जाय?

- कितले लोक नवेकरण शक्य आशिल्ले सौर ऊर्जा, बायो गॅस असले प्रकार वापरूंक शकतात?
- थोड्या लोकांक कित्याक लागून विजेची जोडणी मेळूंक शकली ना?


*[देखीकः वीज पुरवण करपा खातीर फावो तितलो निधी नासप, तात्पुरतें घर, गरजेचीं कागदपत्रां नाशिल्लीं घरां, पैसुल्ल्या वाठारांत एकच घर आसप, त्या वाठारांत विजेचे खांबे आनी सरयो ओडपाक जाय आशिल्ली मान्यताय आनी हेर तसलीं कारणां..]*

- ITIs, पॉलिटेक्निक असल्यो संस्था वा वीज खात्याचे कर्मचारी, थळावे इंजिनिअर्स अश्या अधिकाऱ्यांचो तेंको घेवन खर्चाचें आदमासपत्रक तयार करप.
- कोणें कितें करपाचें तें थारावप.
- खंयचो वावर केन्ना पुराय करपाचो हाची क्रमवार काल मर्यादा थारावप.
- निधीचो स्रोत थारावपः- दरेका घरा कडल्यान कितलो दुडू मेळटलो, हेर खंयचें अनुदान मेळपाची शक्यताय, राज्यांतले एखादे येवजणेंतल्यान निधी मेळप शक्य आसा काय?
- निधीची गरज नाशिल्लो वावर थारावपः- वीज खात्या कडेन संपर्क सादप, सोलर, बायोगॅस हांच्या खातीर वेगळीं खातीं राज्यांत कार्यरत आसल्यार त्या प्रमाण तांचे कडेन संपर्क सादप. येवजणेची प्रक्रिया मुखार धाडप, सगल्यां मदीं जागृताय करप, लोकांक गरज पटोवन दिवप.
- ह्या सगल्यांचो आसपाव ग्राम पंचायत विकास येवजणेंत (GPDP) करपः- तांचीं ध्येयां, मोखी, कार्यावळी, सुविधा ज्यांकां मेळटली तांची वळेरी, निधी मेळोवपाचे स्रोत आनी काल मर्यादा!
- ह्या वावराक पैशे दिवंक शकनाशिल्लीं घरां आसात हेंवूय मतींत आसूंदी. म्हंटगीर तांच्यो अडचणी पैस करपा खातीरचीं साधनां आनी एजंसी सोदप. DDUGJY हे येवजणेचो खूब जाणांक आदार जावंक पावता. तशी मजत करपी कंपन्यो, स्वयंसेवी संघटणा, धर्मादाय प्रतिष्ठानां, व्यक्ती, स्वयं साहाय्य गट हे एखाद्या विशिश्ट प्रकरणांत मजत करूंक शकतात काय हांचीय पळोवणी करप.
- वीज खातें आनी हेर थारायिल्ल्या एजंसीं कडेन संपर्क सादप.
- दरेका वावराचें ध्येय आनी काल मर्यादा हांचेर नियमीतपणान देखरेख करप

## 7. हो प्रयोग तगावक्षम विकासाच्या ध्येयां कडेन कसो जुळिल्लो आसा?

तगावक्षम विकासाचें ध्येय 7 - सगल्यां खातीर परवडपा सारके, विस्वासाचे, तगावक्षम आनी आधुनीक ऊर्जेचे उपलब्धतायेची निश्चिती.





## 8. विश्वव्यापी मोखी



- 2030 मेरेन परवडपा सारकी, विस्वासाची आनी आधुनीक ऊर्जा-सेवा सार्वत्रिक रितीन मेळप.
- 2030 मेरेन विश्वांतले ऊर्जेंत नवेकरण करपाचे ऊर्जेचो वांटो व्हडा प्रमाणार वाडप.
- 2030 मेरेन सक्षम ऊर्जेचे बाबतींत संवसारीक पावंड्यावेलें प्रमाण वाडोवप

**आतां तुमचे ग्राम पंचायतीन थारायिल्लीं ध्येयां आनी मोखी पळयात** – तुमी विश्वव्यापी ध्येयां आनी मोखी हांच्या खातीर योगदान दितात. तो वावर जावन आसा - सगल्यां खातीर परवडपा सारकी, विस्वासाची, तगावक्षम आनी आधुनीक ऊर्जा मेळोवपाची खात्री करून घेवप!



तुमचे ग्राम सभेक गतीमान करात. तुमचे पंचायतीच्यो मुखेल अश्यो मोखी थारायात. आनी सरकारी, बिन-सरकारी एजंसीं कडेन समन्वय करात. केंद्र सरकार आनी राज्य सरकाराच्या तरेकवार येवजण्यांतल्यान संसाधनां सोदून काडात. समुदायांत ह्यो सेवा-सुविधा पावतल्यो हाची खात्री करून घेयात.

तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां गांठपा खातीर फुडारी जायात!




## तगावक्षम विकासाचें ध्येय - 8
## सगल्यां खातीर सर्वसमावेशक आनी तगावक्षम अर्थीक वाड, पुराय आनी निर्मितीक्षम रोजगार आनी सभ्य स्वरूपाच्या वावराक सतत फाटबळ

# थळावी अर्थीक उदरगत

### 1. परिचयः थळावे अर्थीक उदरगतीची गरज

थळावी अर्थीक उदरगत म्हळ्यार व्यक्तींच्यो मुळाव्यो गरजो भागोवप आनी अर्थीक उदरगत करप न्हय, पूण सगल्यांनी एकठांय येवन तगावक्षम अशी अर्थीक वाड करून सगल्या लोकांचें जीवनमान सुदारप अशें अपेक्षीत आसा. मनशाची भरभराट जावपा खातीर रोजगार आनी उत्पन्न गरजेचें आसता. हाचो उद्देश ग्राम पंचायत वाठारांत चड प्रमाणांत रोजगार निर्माण करप आनी अर्थीक उदरगती खातीर तरेकवार संदी निर्माण करून उद्देजकतायेक प्रोत्साहन दिवप असो अभिप्रेत आसता.

### 1.1. थळावे अर्थीक उदरगती खातीर सैमीक संसाधनांचे क्षमतायेचो अदमास मुखार दिल्ले तरेन घेवपः

- शेत-जमीन, उदकाचे स्रोत, रानां-वनां, पशूपालन हांच्या पसून्ची निर्मिती क्षमताय आनी तांची विविधताय हांची वळेरी करप.
- शिंपणावळ, आधुनीक लागवडीचें तंत्रज्ञान-जशें नेमकेपणान ज्युस्त लागवड करप (प्रिसिजन फार्मिंग), पॉलिहावस, एकठावीत पोशण-मूल्यां (इंटेग्रेटेड, न्यूट्रियंट), जंतू नाशकां आनी उदकाचें वेवस्थापन, कोल्ड स्टोरेज आनी गुदांव हांची क्षमताय वाडोवपा खातीर फावो त्या मुद्द्यांची वळेरी तयार करप.

ह्या मुद्द्यांचो परिणाम चडावत कृषी-उत्पन्न आनी रोजगार निर्मणेंत जावंक शकता. ही वाड संस्थात्मक करपाचे नदरेन शेतकार उत्पादन संघटणा (FPO) आनी कामगार बँक असल्या येवजण्यांक प्रोत्साहन दिवप.

'अमूल' ही संवसारांतली सगल्यांत व्हडली शेतकार उत्पादन संघटना (FPO) जावन आसा. पुराय संवसारांत चडांत चड दूद निर्मातो असो भारत देश ह्या अमूलाक लागून जावंक पावलो. ताचें संघटण गांवांतल्यान जालें. तोच वावर आमी हेर क्षेत्रां खातीर आनी वाठारा खातीर कित्याक करूं नये?

थळावीं उत्पादनां उदारेर मेळपाची वेवस्था




## 1.2. थळावे अर्थीक उदरगती खातीर हेर खूबशा उपायांचेर विचार करूं येताः

अ. निश्चितपणान मेळपाची वीज, उदक, असल्यो सुविधा, सुक्या आणि ओल्या कोयराचेर सुरक्षीत प्रक्रिया करप, प्रतिबंध नाशिल्लो मुक्त वाठार थरावप, आनी ल्हान-ल्हान उद्देगीक पार्कांची स्थापणूक करप.

ब. शाळा आनी भौशीक आरोग्य केंद्रांच्या सहकार्यान गुणवत्ता नियंत्रणाच्या प्रयोगशाळांची सुविधा तयार करप. ताका ग्राम पंचायतीचो वेवसायीक छाप (ब्रँड) मेळोवन दिवप. ह्यो सुविधा इंक्युबेशन सेंटर म्हण वापरूं येतात. त्या खातीर असल्यो सुविधा पॉलिटेक्निक्स, इंजिनिअरिंग कॉलेजां आनी तंत्रज्ञानाच्यो संस्था हांचे कडेन जोडून घेवप.

क. थळाव्या उपभोगाची मागणी थळाव्या उद्देजकां वरवीं आनी तांकां थळाव्या सहकारी बँकांचो आदार मेळोवन दिवन पुराय करप.

ड. शेतकामाचें यांत्रिकीकरण करप आनी थळावे रोजगार निर्मणे खातीर कामगार बँक स्थापन करप.

थळाव्या गरीब अश्या दादल्या-बायलांचे स्वयं साहाय्य गट तयार करून असल्या वावराची भोव बरी सुरवात करूं येत. तशें केल्यार काटकसर, पत, ल्हान प्रमाणावेलें अर्थसाह्य, बँकेंत खातें उगडप, बँके कडेन जुळणूक हांच्या खातीर बरें पोशक वातावरण तयार जावंक पवता. अशे तरेन ल्हान उद्देजकांक उण्या कालावधींत अर्थसाह्य दिवप चड सोपें जातलें.

**गांवांचें थळावें प्रशासन ह्या नात्यान, गांवची अर्थीक उदरगत करपाच्या वावरांत ग्राम पंचायतीची भूमिका आनी जापसालदारकी आसा अशें तुमकां दिसना?**

## 2. ग्राम पंचायतच कित्याक?

भारतीय संविधानाचे 73 वे दुरुस्तेंतल्या इकराव्या परिशिश्टा प्रमाण अन्न प्रक्रिया उद्वेग, खादी ग्रामीण आनी कुटीर उद्वेग, तंत्रीक प्रशिक्षण आनी वेवसायीक शिक्षण, ल्हान प्रमाणावेलें वन उत्पादन, नुस्तेंमारी, पशूपालन, दूद-वेवसाय आनी कुकडपालन, कृषी आनी विस्तारीत कृषी हे सगले लघु उद्वेग ग्राम पंचायतीचे अखत्यारेंत येतात. हाच्या मुखावेलें उद्दिश्ट जें 73 वे घटना दुरुस्तेंत आसपावलां तें आसा थळावी अर्थीक उदरगत.

| थळावी अर्थीक उदरगत करपा खातीर ग्राम पंचायत मुखावेलीं कामां करूंक शकता. | |
|---|---|
| आराखडो/आंखणी करप | • पंचायत वाठारांतले सुक्षीम (मायक्रो), ल्हान आनी मध्यम उद्वेजक.<br>• गांवांत आशिल्ल्यो उद्वेगीक संदी.<br>• तरेकवार गटांतल्या उद्वेजकां खातीर आशिल्ल्यो रोजगाराच्यो संदी आनी अपंगूळपणाचें प्रमाण. |
| सोदप आनी माग दवरप | • उद्वेग स्थापन करपा खातीर सक्षम उमेदवार.<br>• असल्या उमेदवारांची कुशळटाय. |
| सोपें करप | • बाल मजुरेक प्रतिबंध आनी बालमजुरी प्रतिबंधांविशीं जागृताय करप.<br>• मनरेगा खाला रोजगार.<br>• मनरेगाच्या वावराच्या थळावेल्या सुविधांची उपलब्धताय.<br>• मनशां वरवीं घाणसफायेक प्रतिबंध.<br>• घाणसफाय केल्ल्या लोकांचें समाजकल्याण खात्या मार्फत पुनर्वसन आनी तांकां अर्थीक मजत.<br>• धडाडेच्या उद्वेजकांचें उदरगती खातीरचें प्रशिक्षण.<br>• नव्या उद्वेजक उमेदवारांक फावो तसलो तेंको दिवप.<br>• आशिल्ल्यो येवजण्यो एकठावन आनी प्रायोजक मेळोवन रोजगार निर्मणी |
| चालू दवरप | • वावर/कामां आनी रोजगार.<br>• अपंगुळपणाचें स्वरूप आनी प्रमाण हांचेर आदारिल्ली अपंगूळ लोकांची गटवार यादी |
| तयार करप | • समान कामां खातीर दादले आनी बायलां हांकां समान दिसवडो हाचे विशीं जागृताय.<br>• मजुरांचे कायदे, हक्क आनी अधिकार-प्राप्त सवलती सांगपी IEC मजकूर |

## 3. ग्राम पंचायत वाठारांत थळावे अर्थीक उदरगतीची येवजण कशी सुरू करप?




### 3.1. थळावे अर्थीक उदरगतीची येवजण आंखतना आमचे ग्राम पंचायतीचो भर कित्याचेर आसचो?

- कृषी, पशूपालन, मत्स्यपालन हांच्या खातीर बऱ्यांतलें बरें तंत्रज्ञान आपणावन चडांत चड उत्पादन करप आनी त्या वरवीं रोजगाराच्यो संदी वाडोवप.
- कृषी, पशूपालन, मत्स्यपालन, रानांतलें लांकूड सोडून हेर उत्पादन हांचो दर्जो वाडोवन उत्पादन करप.
- गांवांतल्या सगल्या घरां खातीर रोजगाराच्यो संदी मेळपा खातीर खात्री करून घेवप.
- देशांत समान रोजगार आनी वेवसायीक कामा खातीर मेळपी येणावळ गांवांतल्या मजुरांकय मेळटली हाची खात्री करप.
- दादलो आनी बायल कामगाराक समान दिसवडो आनी बालमजुरेक पुरायेन प्रतिबंध .
- अपंगूळ व्यक्तीं खातीर रोजगाराच्यो संदी.

**हीं आमचीं ध्येयां आसूंक फावतात!**

## 3.2. हीं ध्येयां गांठपा खातीर आमी कश्यो मोखी थारावंक शकतात?

हीं जर आमचीं ध्येयां आसात जाल्यार तीं केन्ना मेरेन साध्य करपा खातीर खंयच्या गजालींची निश्चितपणान आंखणी करची पडटली? आमचे ग्राम पंचायतीच्यान मुखार दिल्ली येवजण करूं येत?

| | | |
|---|---|---|
| कामगार बँक, स्वयं सहाय्य गट, शेतकार उत्पादन संघटना (FPO) असल्यो संस्था स्थापन करप. | उद्देजकतायेंत वाड आनी व्यक्ती/गट उद्देजकांक उद्देग सुरू करूंक आदार दिवन येणावळ वाडयत रावप. | उत्तम तंत्रज्ञान, दर्जेदार बियाणीं, ऑर्गेनिक सारें, फावो तीं जंतूनाशकां, उदक आनी पोशण मूल्यांचे वेवस्थापन आपणावन उत्पादन वाडोवप आनी कृषी रोजगारांत वाड करप. |
| थळावें उत्पादन आनी दर्जो वाडयिल्ले थळावे पदार्थ थळाव्या लोकांनी व्हडा प्रमाणार वापरप. | कृषी-उत्पादनाचें यांत्रिकीकरण आनी कृषी उत्पन्नाचो दर्जो वाडोवपा खातीर कृषी उद्देग आनी पशूपालन वेवसायांतल्या कामगारांची कुशळटाय वाडोवपाची खात्री करून घेवप. | थळाव्या लोकांच्यो क्षमतायो वाडिल्ल्यो अश्यो येवजण्यो घट्ट सांदून घेवप. ताका लागून रोजगाराच्यो गरजो थळाव्यां कडल्यान पुराय जातल्यो. |
| | समान कामा खातीर दादलो आनी बायल कामगारांक समान दिसवडो दिवपाची पद्दत घटमूट करप. | |

म्हंटगीर हाचेर आदारून आमी आमच्यो मोखी विकसीत करूंक शकतात! मोखीं खातीर निश्चित काल मर्यादा थारोवन आमच्यांनी वावर चालीक लावं येता!

## 3.3. ग्राम पंचायत कितें करपाक शकता? कृती करपाचे मुद्देः

- ज्यांकां रोजगार ना वा अपेक्षे परस उणो रोजगार मेळटा अश्या सगल्या उत्पादन वयोगटांतले लोक आनी तांची कुशळटाय हांची आंखणी करप.
- गांवांत आशिल्ल्यो तरेकवार उत्पादन क्षमतायो/कामगार क्षमतायो/उद्देजक संदी हांची वळेरी तयार करून आंखणी करप.
- अपंगूळ व्यक्तींच्या अपंगुळपणाचें स्वरूप आनी प्रमाण पळोवन तांच्या खातीर फावो तसल्यो रोजगार संदी थारावप, त्यो आंखून घेवप. चालू आशिल्ल्यो तरेकवार येवजण्यो आनी प्रायोजकता एकठांय करून रोजगाराच्यो संदी निर्माण करप आनी तांकां गांवांतच रोजगार थारावन दिवप.
- एखादो उद्देग वा प्रकल्प चालू करपा खातीर गांवांतल्या उमेदवारांची क्षमताय आनी इत्सूक उमेदवारां कडेन आशिल्ली कुशळटाय सोदून, ताची आंखणी करप.



- ग्राम पंचायत वाठारांत आशिल्ल्या मायक्रो, ल्हान आनी मध्यम उद्देगांचें स्थितीजन्य विश्लेशण करप.
- उद्देजकताय विकास प्रशिक्षण/कुशळटाय प्रशिक्षणाचें आयोजन करप.
- तरेकवार सरकारी खातीं, संविधानी एजंसी, अर्थीक एजंसी, संशोधन आनी विकास संस्था (R&D) आनी शिक्षणीक संस्था हांचे लागीं कायम परिणामकारक संपर्क दवरप आनी सगल्या संसाधनांक एकठावप हाच्या खात्रीर यंत्रणा निर्माण करप.
- नवे उद्देजक/संस्था हांका फावो तो आदार दिवप.

## 4. त्या खातीर संसाधनांचो सोद

- **दीन दयाळ अंत्योदय योजना (DAY), नॅशनल रूरल लायव्हलीहूड मिशन (NRLM) आनी उद्देग विकासा संबंदांतल्यो हेर सरकारी येवजण्यो.**
- **मनरेगा (MGNREGS)**
- **दीन दयाळ उपाध्याय ग्रामीण कौशल्य योजना (DDU- GKY)**
- **मनशां वरवीं घाणसफाय रोजगार प्रतिबंध आनी तांचें पुनर्वसन कायदो 2013**
- **इंटेग्रेटेड चायल्ड प्रॉटेक्शन सर्व्हिसेस (ICPS)**
- **राज्य सरकार प्रायोजीत येवजण्यो, हेर खात्यांच्यो येवजण्यो, युवा कल्याण येवजण्यो.**

## 5. आमकां तेंको दिवपी लोकः

आप-मजत गट, थळावे वेवसायीक, समान वावुरपी, स्वर्णजयंती ग्राम स्वरोजगार येवजणेंतले (**SGSY**) येशस्वी उद्देजक, थळावे येशस्वी उद्देजक, आंगणवाडी वावुरपी, साक्षरताय वावुरपी, शिक्षक, **NRLM, CRPs,** मनरेगाचे वावुरपी (**MGNREGS**), युवा संघटणा, ग्रामीण विकास खातें, समाजीक न्याय खातें.

## 6. एक उदाहरण

### एखादी ग्राम पंचायत थळावे अर्थीक उदरगतीची येवजण कशी आंखूंक शकता?

- एका राज्यांतलें एक प्रकरण (case) पळोवया
- PSC Bank Limited एक ल्हान सहकारी बँक ग्राम पंचायत वाठारांतल्या सुमार 5000 घरांच्यो गरजो भागायता. ही बँक चालंत रितीन शेतकामत्यांक भाताचें पीक घेवपा खातीर, नाल्ल, केळीं, भाजीपालो, पशूपालन, कुकडपालन आनी हेर कामां खातीर दुडू पुरयता. ती बँक ठिबक सिंचन, शिंपणावळी खातीर बांयो, गोठे, बायोगॅस टांकयो हांच्या खातीरय अर्थसहाय्य दिता.
- ही बँक भातपिकाचो वावर, नाल्लांचे पाडे, भाजीपाल्याची लागवड आनी पशूपालन ह्या वावरांचें यांत्रिकीकरण आनी कामगारांचे बँकेक कामां पुराय करपा खातीर आदार करता.



- पूण बाजारांतल्या उतार-चडावाक लागून हे बँकेक आपणाली गतीशक्ती तशीच सांबाळप म्हळ्यार कठीण काम जावन बसलां. पयलीं शेतकामत्यांक थरावीक दिसांक, वेळांत आनी जाग्यार तांच्यो वस्तू विकपाक दिल्ल्यो. मागीर तो जागो सुदारून सुपर मार्केट जालो. म्हटगीर शेतकामत्यांक आपल्यो वस्तू विकपाक हाजीर रावपाची गरज ना जाली. ते जें कितें थंय चड-उणें हाडटाले तें सुपर मार्केट विकतें घेवन थंय सोबीत रितीन विकपाक मांडटालें. गिरायकाक अडचण जावची न्हय म्हण शेतकामत्यांनी हाडिल्ल्या वस्तूंत तो उणाव आसा तो सुपर मार्केट भायल्यान वस्तू हाडून भरून काडटालें.

- थंयच्या वांगडी आशिल्ल्या शेतकामत्यांक थळावें क्रेडीट कार्ड दिवन तांच्या उपभोगाच्यो वस्तू पुरायेन मेळपाची वेवस्था जाली. वस्तुस्थिती अशी जाली, थळावें उत्पादन आसलें तरी तें भायल्या गिरायकांचें आकर्शण थारलें.
- आतां तें सुपर मार्केट दर दिसाक 5 लाखांचें उत्पादन विकता. तांतलो चौथो वांटो थळावें उत्पादन आसता. ताका लागून 5000 घराब्यांक नियमीत आनी थीर येणावळ मेळटा. दर्जो वाडोवपाच्यो नव्यो सवलती येवंक लागल्यात! तांची समाजीक सुरक्षाय बी बँकेन स्वीकारल्या.

## 7. हो प्रयोग तगावक्षम विकासाच्या ध्येयां कडेन कसो जुळिल्लो आसा?

तगावक्षम विकासाचें ध्येय-8- सगल्यां खातीर सर्व समावेशक आनी तगावक्षम अर्थीक वाड, पुराय आनी निर्मितीक्षम रोजगार आनी सभ्य स्वरूपाच्या कामाक सतत फाटबळ.

## 8. विश्वव्यापी मोखी

- उत्पादन कार्यावळी, सभ्य नोकऱ्यांची निर्मणी, नवे उद्देजक, सर्जनशीलताय आनी नवेपण आशिल्लीं विकासाचीं धोरणां पुरस्कृत करून, मायक्रो, मध्यम आनी लघु उद्देग आनी मध्यम स्वरूपाचे उद्देजक हांची घडवण आनी वाड जावपाक प्रोत्साहन दिवप. तांकां अर्थीक सेवां मदीं रिगाव मेळोवन दिवप.
- 2030 मेरेन सगल्यो बायलो आनी दादल्यां खातीर, त्याच प्रमाण अपंगूळ व्यक्तीं खातीर संपूर्ण आनी उत्पादक रोजगार आनी सभ्य काम ही मोख, समान कामां खातीर दादले आनी बायलां हांकां समान पगार हें तत्त्व सांबाळून मोख पुराय करप.
- 2020 मेरेन रोजगार, शिक्षण आनी प्रशिक्षण नाशिल्ल्या तरणाट्यांचें प्रमाण मोठ्या प्रमाणार उणे करप.
- सक्तीन वावर करून घेवप वा नवे तरेची गुलामगिरी, बायल मनशांचो अनैतीक वेपार हें पुरायेन सोंपोवपा खातीर बेगोबेग परिणामकारक उपाय करप. बाल मजुरेचे वायट प्रकार थांबोवन तांतल्या भुरग्यांक राखण दिवप आनी 2025 मेरेन सगल्या तरांची बालमजुरी सोंपोवप.

आतां तुमचे ग्राम पंचायतीन थारायिल्लीं ध्येयां आनी मोखी पळयात - तुमी विश्वव्यापी ध्येयां आनी मोखी हांचे खातीर योगदान दितात. त्यो मोखी जावन आसात - सगल्यां खातीर सर्वसमावेशक आनी तगावक्षम अर्थीक वाड, निर्मितीक्षम रोजगार आनी सभ्य स्वरूपाचें काम!

तुमचे ग्राम सभेक गतीमान करात. तुमचे पंचायतीच्यो मुखेल अश्यो मोखी थारायात. सरकारी आनी बिनसरकारी एजंसीं कडेन समन्वय करात. केंद्र सरकार आनी राज्य सरकाराच्या वेगवेगळ्या येवजण्यांतल्यान संसाधनां सोदून काडात. समुदायांत ह्यो सेवा-सुविधा पावतल्यो हाची खात्री करून घेयात.

तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां गांठपा खातीर फुडारी जायात!

13 हवामाना विशीं कृती

## तगावक्षम विकासाचें ध्येय - 13
## हवामानांतले बदल (क्लायमेट चेंज) आनी तांच्या परिणामांआड झुजपा खातीर बेगोबेग कृती करप

# वारें-उदकाविशीं आनंदी ग्राम पंचायतीचे दिकेन

### 1. परिचय - हवामानातल्या बदलांआड झुजप

हवामान सदांच बदलत आसता! हवामानाचे मुखेल घटक जावन आसातः

1. पर्जन्यमान (पावसाचें प्रमाण)
2. दमट (ह्युमिडिटी)
3. तापमान
4. वारो
5. सूर्य-प्रकाश

थळाव्या हवामानाचेर परिणाम करपी कांय घटक आसात, ते अशेः

- जमनीचो उतार
- मातयेची खोलाय
- मातयेची प्रत/प्रकार
- थळावीं पिकां
- पाणथळ जमीन
- उदकाचे स्रोत/ जागो
- रानां - रूख, झोंपां आनी हेर.

पावस, वारो, सूर्यप्रकाश हांचे नियमीत अशे नमुने आसतात. ते बदल मतींत घेवन मनीस फावो तसलीं शेतां पिकयतात. पूण हे हवामानाचे नमुने जेन्ना सामके तोंकावेले स्थितींत पावतात तेन्ना तांचो काळ आनी प्रमाण बदलूंक शकता. कांय बदल हे क्षुल्लक आनी सर्वसामान्य मनशाचे नदरेक

येवंक पावनात पूण थोडे बदल मुखेल स्वरूपाचे आसतात. अशे मुखेल स्वरूपाचे बदल चड पावस पडप वा पावस ना जावप/पडपच ना, वारो-वादळ हांकां लागून पिकावळ आनी पिवपा उदकाचेर आपत्ती येवंक शकता.

हवामानांतल्या बदलांचीं मुखेल कारणां:

- रानांचो, पाणथळ जमनी आनी न्हंयो हांचो विध्वंस/नाश.
- रुखावळी मारप
- जीवाश्मांचो जळव/इंधन वापरप
- खंयचेय ऊर्जेचो सुमारा भायर उपेग
- प्लास्टिकाचो वापर

**वातावरणांतलो बदल आनी ताच्या परिणामां आड आमचे ग्राम पंचायतीन झुजचें अशें तुमकां दिसना?**

## 2. ग्राम पंचायतच कित्याक?

भारतीय संविधानाचे 73 वे दुरुस्तेंतल्या इकराव्या परिशिश्टा वरवीं वयर सांगिल्ल्या गजालींतल्यो समाजीक वनीकरण, रोपवाटिका, लघु वन-निर्मणी, जमीन सुदारणा, भू-सुधार-नियमन, जमीन दृढीकरण आनी माती संवर्धन, लघु-शिंपणावळ, उदकाचें वेवस्थापन, उदक मेळपाच्या वाठाराचो विकास ह्यो गजाली ग्राम पंचायतीच्या अधिकारांत येतात.

### 2.1. ग्राम पंचायत फुडें दिल्लीं कामा करूंक शकता

| | |
|---|---|
| IECचीं धोरणां वापरप | • हवामान बदलाक कारण जावपी लोकांच्यो तरेकवार पद्दती उण्यो करपा खातीर उपाय म्हण लोकांक ताची जाणविकाय दिवप.<br>• हवामानांतल्या बदला प्रमाण पद्दती बदलपाक फुडाकार घेवप.<br>• हवामानाच्या अदमासाचीं म्हायतीपत्रां थळाव्या लोकां मेरेन पावोवप.<br>• ढगफुटी, हुंवार, दुकळ, पालसणां कोसळप आनी कुडकुड्याची थंडी असल्या वातावरण बदलाच्या परिणामांच्या धोक्यां विशीं लोकां मदीं जागृताय करप.<br>• फाटल्या आनी चालू मोसमांतल्या वातावरण नमुन्याची म्हायती सामान्य लोकां मेरेन पावोवन तांकां त्या विशीं शिक्षीत करप. |

| | |
|---|---|
| तयार करप आनी वावराक लागप | • हवामानातल्या बदलाक फावो जातलें अशें दुसरें पीक घेवप.<br>• पाणथळ जमीन, रानां-वनां, उतारावेली जमीन, दर्या देगांचो वाठार, हुवारांत बुडपी जमीन, न्हंयांच्यो तडी आनी झरी हांचो सांबाळ करपा खातीर आराखडो तयार करप.<br>• उदका संवर्धना खातीर योग्य असो आराखडो.<br>• वातावरण बदलाच्या धोक्यां संबंधान आघातक्षम आशिल्ल्या लोकां खातीर योग्य अशे सुरक्षेचो तजवीज आराखडो. |
| घडोवप/स्थापणूक | • वातावरण बदलाचेर देखरेख करपी थळावी वेवस्था<br>– आपत्तीच्या काळांत वेवस्था करपा खातीर कार्यदळ |

## 2.2. वातावरणांतल्या बदलांच्या परिणामांआड झुजपा खातीरची येवजण चालीक लायतना आमची ग्राम पंचायत खंयच्या मुद्द्यांचेर भर दिवंक शकता?

| | |
|---|---|
| हवामानाचेर देखरेख, तांतल्या बदलांची आनी परिणामांची पूर्व-पारखणी करपाची तांक लोकां मदीं निर्माण करप. | वातावरणांतल्या बदालांक अनुरूप अशीं पर्यायी बियाणां, पिकां, पद्दत हे बदल आपणावपा खातीर कृषी पद्दतींत विकास घडोवन हाडप. |
| अतिरेकी स्वरूपाच्या वातावरणांत आनी तांच्या बदलांच्या काळांत खंबीरपणान तग धरपी आनी स्थितीस्थापक अशी पिवपाच्या उदकाची आनी नितळावणेची वेवस्था विकसीत करप. | आघातक्षम लोकांचो सोद घेवन कठीण काळांत वेवस्था सांबाळपा खातीर आपत्ती वेवस्थापनाची स्थापणूक करप. |

**हीं आमचीं ध्येयां आसूंक फावतात!**

## 3. हीं ध्येयां गांठपा खातीर आमी कश्यो मोखी थारावंक शकतात?

हीं जर आमचीं ध्येयां आसात जाल्यार तीं केन्ना मेरेन साध्य करपा खातीर खंयच्या गजालींची निश्चितपणान आंखणी करची पडटली? आमचे ग्राम पंचायतीच्यान मुखार दिल्ली येवजण करूं येत?

- शिक्षक आनी विद्यार्थ्यांक घेवन थळावी वातावरण बदलांचेर देखरेख करपी वेवस्था करप.
- वातावरणाची नेमान म्हायती दिवपी म्हायतीपत्रकां तयार करून तीं सगल्यां मेरेन वितरीत करपाची वेवस्था स्थापीत करप.
- आपत्ती काळांतल्या वेवस्थापना खातीर कार्यदळ स्थापन करून तांकां साधनां पुरोवप.
- पर्यायी शेतकामाच्यो येवजण्यो तयार करून त्यो चालीक लावप. पाणथळ जमनी, रानां-वनां, उताराची जमीन, दर्या देगांचो वाठार, हुंवाराखाला वचपी जमीन, न्हंयांच्यो देगो आनी झरी आनी उदकाचें संवर्धन करप.
- इमारतींनी हरित शिश्टाचारा प्रमाण (ग्रीन प्रोटोकॉल) नव्यो आनी नवेकरण शक्य आशिल्ली सौर ऊर्जा, बायो गॅस, वारो हांची ऊर्जा पद्दत लागू करून आनी लांकूड जळोवप, वाहनां आनी तसले हेर धुंवराचे स्रोत उणे करून प्रदूशण उणें करपाक वावुरप.

**आतां आमी हाचेर आदारून आमच्यो मोखी विकसीत करूंक शकतात! मोखीं खातीर निश्चित कालमर्यादा थारोवन आमच्यांनी वावर चालीक लावं येता!**

## 4. ग्राम पंचायत कितें करपाक शकता? कृती करपाचे मुद्दे

- ग्राम पंचायत कमिटी आनी हेर समुदायांचे स्वयंसेवक हांकां वातावरणांतले बदल आनी ताचे परिणाम हांची सारी-पुरी म्हायती दिवपा खातीर पावलां उखलप.
- ग्राम सभा, तेच परी विद्यार्थी/शेतकार-शेतकामती/आप-मजत गट हांच्यो बसका घेवन तांकां वातावरणांतल्या बदलाच्या परिणामां विशीं जाणविकाय दिवप.
- वातावरण बदलां विशीं फावो ती कृती करपा खातीर एक गट स्थापन करपाच्या उद्देशान प्रगत शेतकार, इत्सूक विद्यार्थी आनी शिक्षक, आप-मजत गट सोदप



- कृषी खातें, कृषी विद्यापीठां, कृषी विज्ञान केंद्रां, आपत्ती वेवस्थापन खातें, महसूल अधिकारिणी, शिक्षणीक संस्था आनी स्वयंसेवी संघटणा हांच्या आदारान वावुरपी गटाच्या वांगड्यांक प्रशिक्षण दिवप.
- थळाव्यो शिक्षण संस्था, विद्यार्थी आनी शिक्षक हांच्या आदारान पर्जन्यमान (रेनफॉल), वाऱ्याचो वेग, सरभोंवतणचें तापमान, झरींतल्यान व्हांवपी उदकाची पातळी, न्हंयो हांचे वयल्यान हवामानाचेर बारीकसाणीन देखरेख करपाक फुडाकार घेवप.
- वेवस्थापन आनी रूपांतरण ह्या विशींची म्हायती लोकां मेरेन वण्टींर बरोवन (वॉल रायटिंग), तकटे लावन, पत्रकां वांटून, पावोवप.
- चालू मोसमांतलो वातावरण नमुनो कसो आसतलो तें वण्टींचेर बरोवन, तकटे लावन दाखोवपाची वेवस्था करप.
- वातावरणाची तीव्रताय मतींत घेवन ज्या गटांचेर बदलाचो परिणाम जाला तांचे मेरेन, दर दिसा, दर सप्तकांत, म्हयन्यान, तीन म्हयन्यांनी त्या विशीं म्हायती पावोवपाची वेवस्था करप.
- हाचे पयलीं जाल्ल्या अश्या तीव्र वातावरण बदलाच्या काळांत जाण्टेल्या शेतकारांनी आपणायिल्ल्यो पारंपरीक शेती पद्दती समजून घेवपा खातीर प्रगत शेतकामती आनी गांवांतले जाणटे हांचे कडेन सहभागी ग्रामीण मोलांकन (Participatory Rural Appraisal- PRA) कार्यावळ घडोवन हाडप.
- ढगफुटी, दुकळ, पालसणां कोंसळप, थंडीचो कुडकुडो येवप असल्या आपत्ती काळा विशीं ग्राम सभेक फावो तशी जाणविकाय दिवप.
- गुरवार बायलो, आंगार दूद पाजपी आवयो, ल्हान भुरगीं, जाणटीं-म्हातारीं, विशेश क्षमतायेच्यो व्यक्ती, दीर्घ काळाचे पिडेस्त असले आघातक्षम गट सोदून आपत्तींच्या काळांत तांच्या खातीरचें योग्य धोरण आपणावप.
- वातावरण बदलाच्या परिणामांची तीव्रताय उणी करपा खातीर गरजेचे आशिल्ले मुद्दे ऊर्जेचो उणो वापर, जीवाश्म जळवाचो वापर उणो करप, प्लास्टिकाचो वापर करप ना, नवेकरण जायनाशिल्ले ऊर्जेचो वापर उणो करप असले उपाय आनी त्याच वांगडा झाडां रोवप, रानांवनांची राखण करप, ठिबकसिंचन, उदकाचें संवर्धन, पाणथळ जमनीचें संवर्धन असल्या भोव उपेगी कृषी पद्दतींची जाणविकाय ग्राम सभेक दिवन ताचेर चर्चा करून जागृताय करप.

## 5. त्या खातीर संसाधनांचो सोद

- **मनरेगा (MGNREGS)**
- **इंटेग्रेटेड वॉटरशेड मॅनेजमेंट प्रोग्राम (IWMP) आनी हेर जलोत्सारण वेवस्था येवजण्यो - वॉटरशेड प्रोग्राम**
- **ग्रीन इंडियन मिशन**

- **समाजीक वनीकरण**
- **राष्ट्रीय वनरोपण कार्यावळ (नॅशनल अफॉरेस्टेशन प्रोग्राम)**
- **ह्या संबंदांतल्यो राज्य सरकाराच्यो येवजण्यो आनी कार्यावळी**

## 6. आमकां तेंको दिवपी लोक

कृषी खातें, कृषी विज्ञान केंद्रां, महसूल खातें, स्वयंसेवी संघटणा (**NGOs**) आनी शिक्षणीक संस्था.

## 7. एक उदाहरणः

### जर ग्राम पंचायतीन थळाव्या वातावरणाचेर देखरेख करपी वेवस्था करपाचें थारायलें जाल्यार उखलपाचीं पावलांः

- वातावरणाकडेन संबंदीत विशय हाताळपी शाळेंतले शिक्षक सोदून तांचे कडेन भासाभास - संपर्क करप.
- शाळांच्या अभ्यासक्रमांत येवपी वातावरणाकडेन संबंदीत परिमाणां जशीं-पर्जन्यमान, तापमान, दमट, वाऱ्याचो वेग, झरी आनी न्हंयांच्या उदकाची पातळी अश्या मुद्द्यांचो सोद घेवन चर्चा करप.
- थळाव्या वातावरणाकडेन संबंदीत अभ्यास-प्रकल्प करपी इत्सूक विद्यार्थी आनी शिक्षक हांचो गट तयार करप.
- पर्जनमापका सारकीं गरजेचीं साधनां तांच्या खातीर मेळोवप.
- वणटींर बरोवप, तकटे लावप अश्या माध्यमांतल्यान म्हायती मेळोवप, तिची नोंद करप आनी ती दिसान दीस सगल्यां मेरेन पावोवपाचे वेवस्थे खातीर संस्थात्मक उबारणी करप.
- ताचे वांगडाच चालंत, नवी आनी नवेकरण करपाची ऊर्जा वापरून प्रदूशण उणें करपाच्या कार्यावळीं सारक्यो मोहिमो चलोवप

## 8. हो प्रयोग तगावक्षम विकासाच्या ध्येयां कडेन कसो जुळिल्लो आसा?

तगावक्षम विकासाचें ध्येय – **13** - वातावरणांतल्या बदलाक लागून जातल्या परिणामांआड झुजपाक बेगोबेग कृती करप.

## 9. विश्वव्यापी मोखी

- सगल्या देशांनी वातावरणांतले धोके आनी सैमीक आपत्तीच्या काळांत स्थितीस्थापक आनी बदलाक जुळोवन घेवपाची तांक बळिश्ट करप.
- राष्ट्रीय धोरणां, डावपेंच आनी येवजण्यो हातूंत वातावरण बदला संबंदांतले उपाय आसपावन घेवप.
- वातावरण बदलाच्या परिणामांची तीव्रताय उणी करप, तांचे कडेन जुळोवन घेवप, परिणाम उणे जातले अशें पळोवप आनी जाता तितली पयलीं धोक्याची शिटकावणी दिवप हाच्या संबंदान

मानवी आनी संस्थात्मक तांक हातूंत सुदारणा घडोवप आनी जाणविकाय वाडोवप.

- विकसनशील देशांक आपल्यो वातावरण बदलाच्या परिणामांच्यो गरजो भागोवपा खातीर आनी अर्थपूर्ण रितीन उपाय करपा खातीर, UNFCCCच्या घटक देशांचे 2020 मेरेन दरवर्सा तांच्या सगल्या स्रोतां वरवीं 100 बिलीयन डॉलर पुंजावपाचे बांदीलकेक धरून आनी तांचे भितरल्या सुदारिल्ल्या देशांनी ती कार्यावळ चालीक लावपाचें मान्य केलां तेप्रमाण कार्यावळ चालीक लावपांत शक्य तितलें पारदर्शीपण हाडून बेगोबेग ग्रीन क्लायमेट फंडांत भांडवल जमा करून तो पुरायेन चालीक लावप
- बायलां, युवा, थळावे आनी उणे क्षमतायेचे समुदाय हांची वातावरण बदलाच्या परिणामांक तोंड दिवपाची तांक परिणामकारक रितीन वाडोवपा खातीर यंत्रणा उबारप.

**तुमचे ग्राम पंचायतीन थारायिल्लीं ध्येयां आनी मोखी पळयात** – वातावरणांतलो बदल आनी ताच्या परिणामांआड झुजप ह्या ध्येयाखातीर आनी मोखी खातीर तुमी योगदान दितात.

तुमचे ग्राम सभेक गतीमान करात. तुमचे पंचायतीच्यो मुखेल अश्यो मोखी थारायात. सरकारी, बिन सरकारी एजंसीं कडेन समन्वय करात. केंद्र सरकार आनी राज्य सरकाराच्या तरेकवार येवजण्यांतल्यान संसाधनां सोदून काडात. ह्यो सेवा-सुविधा थळाव्या समुदायांत पावतल्यो हाची खात्री करून घेयात.

तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां गांठपा खातीर फुडारी जायात!



15 भूंयेवेली जीण


### तगावक्षम विकासाचें ध्येय - 15

### थळावी जीवसृश्ट राखून दवरप, तिची पुनर्स्थापणूक करप आनी तिचो तगावक्षम वापर करप, रानांचें सतत वेवस्थापन, जमनी वसाड वा रेंवट जावपाआड झुजप आनी जमनी निकस जावपा पसून थांबोवन राखून दवरप आनी जैव विविधतायेची लुकसाणी थांबोवप

# फुडारा खातीर आमचे जीवसृश्टीची पुनर्स्थापना


## 1. परिचयः आमी रावतात ती पृथ्वी

आमच्या खातीर रूख म्हळ्यार कितें? रूख म्हळ्यार फळां, बियो, पानां, ताळे/खांदे, लांकूड आनी तसल्यो हेर वस्तू दिवपी झाड. पूण इतल्यानच जालें? रूख म्हळ्यार:



- रूख सांवळी दिता. सुकण्यांक आलाशिरो दिता.
- कार्बन डायॉक्सायड ओड्न घेता आनी ऑक्सिजन सोडटा.
- सूर्यप्रकाशाचें रूपांतर अन्न आनी ऊर्जेंत करता.
- धुल्ल ओड्न दवरता, आवाजाचें प्रदूशण उणें करता आनी पावसाक दाटून येवपाक मजत करता

सैम/निसर्ग चक्रां वरवीं कसो वावुरता हें पळोवप म्हळ्यार एक मौजः




माती, झाडां आनी उदक ह्यो तीन वस्तू एकमेकांक फावो ते समतोल तरेन घटाय दितात. जर हो समतोल गेलो जाल्यार परिणाम भयानक आपत्तीचे आसतात. म्हण जीवसृश्टींतलो मनशाचो हस्तक्षेप खूब जतनायेन करचो पडटा.

**आमचे जीवसृश्टीचो विध्वंस पयलींच जाला. आमी तिची पुनर्स्थापना करूं नये? आमच्या लोकांची जीण आनी तांच्या पोटापाणयाचीं साधनां हांचेर ह्या विध्वंसाचो वायट परिणाम जावचो ना? ही जीवसृश्टीची पुनर्स्थापणूक आनी वेवस्थापन ह्या वावरांत थळावें प्रशासन ह्या नात्यान ग्राम पंचायतीची भूमीका आनी जापसालदारकी आसा अशें तुमकां दिसना?**

जीवसृश्टीक अनुकूल अशीं झाडां-पेडां आनी जनावरां हांची वाड जाता. झाडां मदीं कांय थळावीं जाल्यार कांय परकी आसतात. आमचे जीवसृश्टी खातीर कितें बरें आसूंक फावता? थंयच्या जनावरांक कसलीय भूमिका/वांटो आसता? जीवसृश्टींतली पुराय जिवावळ एके अन्न -सांखळेन जोडिल्ली आसता. हे अन्न-सांखळेंतल्या एका घटकाचो विध्वंस जालो जाल्यार ताचो परिणाम अन्न-सांखळेंतल्या दुसऱ्या घटकाचेर जाता आनी अशी ही परिणामाची सांखळी चालू उरता. हेंच तत्त्व रानांतले सगले जिवावळीक लागू जाता.





## 2. ग्राम पंचायतच कित्याक?


भारतीय संविधानाचे 73 वे दुरुस्तेंतल्या इकराव्या परिशिश्टा प्रमाण समाजीक वनीकरण आनी रोपवाटिका, लघु वन निर्मणी, भूंय सुदारणांविशींचे कायदे अंमलांत हाडप, भूंय दृढीकरण आनी मातयेचें संवर्धन, लघु शिंपणावळ, उदकाचें वेवस्थापन आनी जलोत्सर्ग विकास हीं कामां ग्राम पंचायतीच्या अधिकारांत दिल्यांत.

| आमचे जीवसृश्टीची पुनर्स्थापणूक करपा खातीर ग्राम पंचायत फुडलीं कामां करूंक शकता: | |
|---|---|
| प्रोत्साहन दिवप | • ल्हान-सान उदका सुवातींचें संवर्धन आनी /वा सैमीक युनीट सोदप.<br>• रानां, उदकाचीं थळां आनी वनरायो असल्या सैमीक संसाधनांचें समुदायांचेर आदारिल्लें वेवस्थापन.<br>• उंचेले उतार आशिल्ल्यो जमनी, पडंग जमनी आनी हेर सामान्य जमनींत थळाव्या सैमाक फावो तसलीं झाडां रोवप.<br>• जर आमी तळ्यांचें पुनरुज्जीवन केलें जाल्यार फावो तितलें उदक आमच्या पुराय गांवांक मेळटलें.<br>• जमनीची धूप आनी थळाव्या झाडा-झोंपांक धोक्याची आशिल्ली रूखावळ वा वनस्पतींचेर नियंत्रण हाडप.<br>• हरीत पट्ट्यांचो विकास आनी पाणलोट वाठाराचें संवर्धन.<br>• पाणथळ जाग्यांचें संवर्धन.<br>• मनरेगा (MGNREGS) येवजणे वरवीं रोपवाटिकांतल्यान थळाव्या झाडांचीं रोंपां तयार करप |
| सुरू करप | • वन-निर्माण आनी तांचे राखणेची मोहीम.<br>• पाणथळ जाग्यांनी रसायन-मुक्त आनी तगावक्षम अशी लागवड करप |
| विकसीत करप | • ग्राम पंचायती खातीर जीवसृश्ट नोंदवही (रजिस्टर) करप.<br>• जनावरांची शिकार, बेकायदेशीरपणान रूख मारप आनी रानांत लागपी उजो हांचेर नियंत्रण हाडपा खातीर समुदायीक देखरेख वेवस्था |

म्हूंटगीर हांचेर आदारून आमी आमच्यो मोखी विकसीत करूंक शकतात! मोखीं खातीर काल मर्यादा गरजेची आसता. त्या खातीर आमी केन्ना मेरेन त्यो मोखी सादतले ती काल मर्यादा निश्चित करात!

| | |
|---|---|
| सोपें करप | • गांवांतलीं तळीं उसपुवप.<br>• पाणलोट वाठारांत नियंत्रणा खातीर बांद आनी ओट्यो बांदप.<br>• थळावे जमनींत फावो तसलीं पिकां घेवप.<br>• ज्या झाडां-पेडांक धोको आसा अश्यांची वळेरी तयार करप..<br>• थळाव्या संसाधनांची (रेंव आनी उदक) तगावक्षम पातळी कितली आसा हाच्या हिशबाचो अदमास घेवप.<br>• पाणथळ जाग्यांवेली लागवड फायदेशीर करपाचे नदरेन शिंपणावळ, वित्तसाह्य आनी कामगार मेळोवप.<br>• सार्वजनीक मालकेची जमीन, चरवाच्यो भौशीक जमनी आनी पालसणां कोसळपा सारके वाठार सोदून दवरप.<br>• सैमीक संसाधनां संबंदांतली कमिटी बदलप वा ती पुनरूज्जीवित करप. तशें करतना दुर्लक्षीत गटांक ते कमिटीचेर प्रतिनिधीत्व मेळ्ळां हाची खात्री करून घेवप. |
| आराखडो तयार करप | • प्रदूशणाचेर देखरेख आनी तें उणें करपाचे उपाय.<br>• संसाधनांची (रेंव आनी उदक) विज्ञानीक नदरेन उदक-वापराचे नमुने मतींत घेवन वांटणी/वितरावणी करप.<br>• संसाधनांचें उत्पादन मेळोवपा खातीर वावराक लायिल्ल्या कामगारांच्या पोटा-पाणयाची पर्यायी वेवस्था.<br>• जीवसृश्टीचे पुनर्स्थापणूक कार्यावळींचें एकत्रीकरण आनी समन्वय. |

## 3. ग्राम पंचायत वाठारांत जीवसृश्ट पुनर्स्थापणूक करूंक आमी कशी येवजण करूं येत?



## 3.1. जीवसृश्टीची पुनर्स्थापणूक आनी तिचें वेवस्थापन ही येवजण चालीक लायतना आमची ग्राम पंचायत खंयच्या मुद्द्यांचेर भर दिवंक शकता?

- गांवांतले उदकाचे जागे, पाणथळ जमनी, रानां-वनां हांचें प्रदूशण, सुमाराभायर वापर आनी अतिक्रमण हांचे पसून राखण जातली हाची खात्री करून घेवप.
- रानांचें संवर्धन, अवकळा आयिल्ल्या रानांचें वनीकरण, उताराची जमीन, पडंग जमीन, भौशीक जमीन, भौशीक संस्था, दुरीग, रस्ते हांची देखभाल आनी संवर्धन.
- जीवसृश्टीची लुकसाणी थांबोवप, दुर्मीळ आनी नामशेश जावपाचे वाटेर आशिल्ल्या झाडां-झोंपांची आनी जिवावळीची राखण.
- सैमीक संसाधनांचें संवर्धन आनी तांचो वापर हाच्या खातीर मानस सूत्र (नॉर्म्स) थारावप.

**हीं आमचीं ध्येयां आसूंक फावतात!**

## 3.2. हीं ध्येयां गांठपा खातीर आमी मोखी कश्यो थारावंक शकतात?

हीं जर आमचीं ध्येयां आसात, जाल्यार तीं केन्ना मेरेन साध्य करपा खातीर खंयच्या गजालींची निश्चितपणान आंखणी करची पडटली? आमचे ग्राम पंचायतीच्यान मुखार दिल्ली येवजण करूं येत?

- घरां आसात ते वाडे, लागवडीचो वाठार आनी भौशीक जमीन हांच्या तळा वयल्यान पाणलोट वचचो ना हाची खात्री करून घेवप.
- रानां आनी पाणथळ जमनी हांतल्यान व्हांवपी व्हाळ मुखावेल्या 10 वर्सांत वर्सयभर स्वच्छ उदकान व्हांवत रावतले अशी खात्री करून घेवप.
- थळावीं झाडां-झोंपां आनी देशी रुखावळ हांचो व्हडा प्रमाणार प्रसार आनी वाड करप आनी तांचो अन्न, चरव, जळव आनी असल्या हेर कामांक उपेग करपाची येवजण करप.
- रानांतल्या उदकांचे जागे मनशांच्या अतिक्रमणा पसून मुक्त दवरपा खातीर तांच्या भोंवतणीं दुरीग, बफर वा कॉरीडॉर उबारप.
- उदकाच्या स्रोतांच्या वाठारांत रावपी, तांचो उपेग करपी लोक समुदायांक उदक वांटून घेवपाच्यो कबलाती करून घेवप.
- ग्राम सभा, शाळा, महाविद्यालयांतल्यान परिसराच्या संवर्धनाची मोहीम चलोवप.
- गांवांतलें दरेक रान, वनराय, उताराची पडंग जमीन, अवकळा आयिल्लें रान, व्हाळ, झरी, न्हंयेचो वाठार, पाणथळ जमीन, उदकाचो स्रोत हांचे खातीर लोकांच्यो समिती स्थापन करपाची वातावरण निर्मिती करप.
- लोकांच्या समित्यांक खातीं, एजंसी हांचे कडेन संपर्क करपाक आदार करप.
- सगले वाडे आनी लागवडीचे जमिनीचे मातयेचें संवर्धन आनी विकास करप.
- जीव सृश्टीचें नोंदणी पुस्तक (रजिस्टर) तयार करप आनी अद्ययावत करत रावप.
- बेकायदेशीर रितीन जावपी शिकारेचेर नदर दवरपाक सामुदायीक रितीची वेवस्था विकसीत करप.

## 4. ग्राम पंचायत कितें करूंक शकता? कृती करपाचे मुद्दे

- ग्राम पंचायत वाठारांतले जमनीचो वापर, उदकाचे स्रोत, जंगलां, उतार, पाणथळ जागे, अवकळेक पाविल्लीं रानां हांचें सहभागी सर्वेक्षण/आराखडो तयार करप.
- येवजण्यो, एजंसी आनी तांकां संबंदीत आशिल्लीं सरकारी खातीं हांची जाय तशी म्हायती दिवन लोकांच्यो समित्यो स्थापन करप आनी तांकां अधिकार दिवप.
- दरेका सैमीक युनिटा संबंदान तर्कीक चौकटींतलें विश्लेशण करून सहभागी प्रक्रियेवरवीं संवर्धन कृती येवजण विकसीत करप.
- विकसीत केल्ले येवजणेचें पुनरिक्षण (Vetting) करपी एजंसी तेच परी निधी दिवप आनी तंत्रीक पालव दिवपी योग्य अश्यो एजंसी सोदप आनी तांचो पालव घेवप.
- ग्राम सभा आनी सहभागी पद्दतीं वरवीं जीवसृश्टीची पुनर्स्थापणूक आनी परिसराचें वेवस्थापन हांच्या संबंदांतलीं योग्य मानस सूत्रां (नॉर्म्स) अद्ययावत करपाचें काम चालू दवरप.
- सार्वजनीक स्वरूपाच्यो जमनी, उदकाच्यो सुवाती आनी रानां-वनां ह्या संसाधनांतल्यो वस्तू - लांकूड सोडून हेर जंगली उत्पादन, रेंव, नुस्तें, उदक हांचो तगावक्षम उपेग करपा खातीर योग्य अशीं मानस सूत्रां विकसीत करप.

## 5. त्या खातीर संसाधनांचो सोद

- **मनरेगा (MGNREGS )**
- **राष्ट्रीय कृषी विकास योजना (RKVS)**
- **इंटेग्रेटेड वॉटरशेड मॅनेजमेंट प्रोग्राम (IWMP)**
- **प्रधान मंत्री कृषी सिंचाई योजना (PMKSY)**
- **ग्रीन इंडिया मिशन**
- **समाजीक वनीकरण योजना**
- **राष्ट्रीय वनीकरण कार्यक्रम**
- **नॅशनल बांबू मिशन**
- **संबंदीत राज्यांच्यो प्रायोजीत येवजण्यो आनी कार्यावळी**

## 6. आमकां तेंको दिवपी लोक

मनरेगा येवजणे खाला जॉबकार्डां दिल्ले वावुरपी, पारंपरीक शेतकामती आनी कामगार, स्वयंसेवी संघटणा (NGOs), संबंदीत सरकारी खात्यांचे कर्मचारी, शिक्षणीक आनी संशोधन संस्था.

## 7. एक उदाहरण

तळ्याचें पुनरुज्जीवन करपाची येवजण

ग्राम पंचायतींत तळ्यांचें पुनरूज्जीवन करपाचें थारायल्यार कशीं पावलां उखलचीं तांची शक्यतायः

- ज्या वाठारांतल्यान तळ्यांनी उदक येता, तळ्यांच्या व्हांवत्या उदकाचो सद्याक वापर करपी, शेतकार, शिंपणावळ करपी, जमातींचे बरें मागपी, चळवळकार हांकां तैनात करप.
- प्रशिक्षीत स्वयंसेवकां वरवीं बसका घडोवप म्हंटगीर फावो तसो तळ्यांचें पुनरुज्जीवन करपाचो निर्णय मुखार घडोवन हाडपाचे बसकेंत जातलो.
- पाणलोट वाठार, समादेश क्षेत्र (कमांड एरिया) आनी हक्कदार व्यक्ती हांची निश्चित म्हायती घेवन आराखडो तयार करप.
- पाणलोट आनी समादेश वाठारांतले मातयेचें संवर्धन, तळ्यांतली गाळ उपसणी, पाणलोट वाठारांतले शिंपणावळी खातीर पाटांची पुनर्बांधणी, पाणलोट वाठारांत उदकाचें उत्सारण, दादले, बायलो आनी जनावरां खातीर वेगवेगळ्या घाटांची/पाण्ट्यांची बांदणी, मत्स्य संवर्धनाची वेवस्था, फावो तीं झाडां-झोंपां तळ्यां भोंवतणच्या धडांनी रोवन तळ्यांक राखण निर्माण करप अशी येवजण विकसीत करप.
- तपशीलवार खर्चाचो आराखडो तयार करून तो चालीक लावपा खातीर शिंपणावळी खातीर जापसालदार आशिल्ल्यो एजंसी, मनरेगा (MGNREGS), IWMP, मत्स्योद्वेग खातें हांचे कडेन संपर्क सादप.
- न्हावपा खातीर आनी मत्स्य संवर्धना खातीर आडायिल्ल्या उदकाची उण्यांत उणी पातळी कितली आसूंक जाय हाची खात्री करप, सद्याच्या उदक वापरप्यांनी पयलींच्या प्रमाणारच उदकाचो वापर करप, पाणलोट वाठारांत उदकाची उपलब्धताय मतींत घेवन पिकां घेवपाची पद्दत विकसीत करप, ती वेवस्था चलोवप आनी तांची देखभाल करपा खातीर येता त्या खर्चाची विभागणी कशी करची हाचें रूपसूत्र (फॉर्म्युला) तयार करप, नुस्तेंमारी करून ताची समुदाया मदीं वांटणी करपाचें रूपसूत्र तयार करप.
- थरावीक काळा उपरांत संबंदीत समितीच्यो नेमान बसका घेवन तांचो अहवाल सुचवणे - फळ्याचेर नेमान प्रसिद्ध करप आनी तो ग्राम सभेक आनी पंचायत समितीक पावोवपाची खात्री करून घेवप.

## 8. हो प्रयोग तगावक्षम विकासाच्या ध्येयां कडेन कसो जुळिल्लो आसा?




**तगावक्षम विकासाचें ध्येय 15 - थळावी जीवसृश्ट राखून दवरप, तिची पुनर्स्थापणूक करप आनी तिचो तगावक्षम वापर करप, रानांचें सतत वेवस्थापन, जमनी वसाड वा रेंवट जावपाआड झुजप आनी जमीन निकस जावपाचें थांबोवन दवरप आनी जैव विविधतायेची लुकसाणी थांबोवप.**

## 9. विश्वव्यापी मोखी

- 2020 मेरेन परिसरांतल्या जमनीवेल्या आनी जमनीपोंदच्या उदकाचें संवर्धन, सांबाळ आनी तगावक्षम वापर आनी तांच्यो सेवा, खासा करून रानां, पाणथळ जमनी, दोंगर आनी सुकतड जमीन हांचें संवर्धन आंतरराष्ट्रीय कबलातीचे लागणुके प्रमाण जातलें हाची खात्री करप.
- सर्वसामान्य स्वरूपाच्या सगल्या जमनींनी वनीकरण करप आनी रानवटी झाडांची लागवड (फार्म फॉरेस्ट्री) आनी थरावीक वेपार करपा सारक्या रुखांची लागवड (अॅग्रो फॉरेस्ट्री) करपाक प्रोत्साहन दिवप.



- सैमीक अधिवासांची (हॅबिटॅट) अवकळा थांबोवप, जैव विविधतायेची लुकसाणी थांबोवप आनी 2020 मेरेन धोकेदायक जाल्ल्या झाडां-जोंपांक नामशेश जावपा पसून राखप जातलें, हाच्या खातीर बेगोबेग अर्थपूर्ण कृती करप.
- संरक्षीत अश्या वनस्पती आनी मोनजातींचो अनैतीक वेव्हार आनी शिकार थांबोवप आनी अभयारण्यांतल्यान जावपी बेकायदेशीर मागण्यो आनी पुरवण थांबोवपाक बेगोबेग कारवाय करप.



- 2020 मेरेन राष्ट्रीय आनी थळाव्या नियोजनांत, विकास प्रक्रियेंत, गरिबी निर्मूलन धोरण आनी लेखा विभागांत (अॅकावंट्स्) जीवसृश्ट आनी जैव विविधताय मूल्यांचो आसपाव करप.
- 2020 मेरेन ग्राम पंचायत पावंड्यार परिसर वेवस्थापनाची चौकट तयार करपाक आरंब करप.
- तगावक्षम रानांचे वेवस्थेक सगल्या पावंड्यांर, सगल्या अर्थपूर्ण स्त्रोतां वरवीं आनी संसाधनां वरवीं तैनात करप. विकसनशील देशांत अत्याधुनीक स्वरूपाच्या रानांचें संवर्धन आनी पुनर्निमाणा खातीर प्रोत्साहन दिवप.

**आतां तुमचे ग्राम पंचायतीन थारायिल्लीं ध्येयां आनी मोखी पळयात -** तुमी थळावी जीवसृश्ट राखून दवरप, तिची पुनर्स्थापणूक करप, आनी तिचो तगावक्षम वापर करप, रानांचें सतत वेवस्थापन करप, जमनी वसाड वा रेंवट जावपाआड झुजप आनी जमनी निकस जावपा पसून थांबोवन दवरप आनी जैव विविधतायेची लुकसाणी थांबोवप ह्या विश्वव्यापी ध्येयां आनी मोखीं खातीर योगदान दितात.

तुमचे ग्राम सभेक गतीमान करात. तुमचे पंचायतीच्यो मुखेल अश्यो मोखी थारायात आनी सरकारी आनी बिनसरकारी एजंसीं कडेन समन्वय करात. केंद्र सरकार आनी राज्य सरकाराच्या वेगवेगळ्या येवजण्यांतल्यान संसाधनां सोदून काडात. ह्यो सोयी सुविधा समुदायांत पावतल्यो हाची खात्री करून घेयात.

तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां गांठपा खातीर फुडारी जायात!

वैश्वीक ध्येयां

# तगावक्षम विकासाचीं वेगळीं ध्येयां- 9,10,11,12,14,16 आनी 17




9. उद्येग, नवसर्जन आनी साधन सुविधा; 10. असमानतायेंत उणाव; 11. तगावक्षम शारां आनी समुदाय 12. जापसालदारकेन उपभोग आनी उत्पादन; 14. उदकांतली जिवावळ; 15. शांती, न्याय आनी बळिश्ट संस्था; 17. ध्येयां खातीर भागीदारी

फाटल्या प्रकरणांतल्यान आमी ग्राम पंचायती तगावक्षम विकासाच्या ध्येयांचे प्राप्ती खातीर कश्यो भूमिका घेवन वावर करूंक शकतात ताचो अभ्यास केलो. आतां मेरेन तांतल्या 17 ध्येयां मदलीं ध्येयां 1 ते 8, ध्येयां 13 आनी 15 हीं तपशीलवार रितीन घेतल्यांत. आतां आमी उरिल्ल्या 9,10,11,12,14,16 आनी 17 क्रमांकाच्या ध्येयां विशीं समजून घेवया.

तीं ध्येयां अशीं जावन आसात. जंय ग्राम पंचायत आपणालो वांटो पुरायेन उखलता, पूण तीं प्रमूख न्हय. मुखावेलो विभाग हांतल्या दरेका ध्येयाचो उद्देश आनी तांचेर कसली कृती ग्राम पंचायतींक करप शक्य आसा म्हूंटगीर ध्येयांची प्राप्ती जावंक पावतली,हें स्पश्ट करतात.

9 उद्वेग, नवसर्जन आनी साधन सुविधा

SDG - 9

# आनंदी, स्थिती स्थापक साधन सुविधा उबारप, समावेशक आनी तगावक्षम उद्देगीकरण आनी नवसर्जनाक उर्बा दिवप

तगावक्षम विकास हो साधन सुविधा आनी उद्वेगीकरणाचेर अवलंबून आसता. त्या सगल्या खातीर नवसर्जन गरजेचें आसता. मनशाचे जिणेचे दरेके अवस्थेक साधन सुविधेची गरज आसता. मागीर ती घरां, रस्ते, रोजगाराच्या संदींची वा सेवा दिवपी आस्थापनां वा संस्थांची आसूं. उद्वेगीकरणा बगर रोजगार मेळप म्हळ्यार कल्पीत गजाल म्हणपाक जाय आनी ताचो वायट परिणाम अर्थीक वाडीचेर जाता. तें समावेशक तर आसूंकच जाय. अर्थीक वाड जाली ना, जाल्यार गरिबी उणी करपाच्या यत्नांक यश मेळचें ना. आनी अर्थीक वाड त्याच प्रमाण साधन सुविधा हांच्या खातीर नेटान यत्न करतलो जाल्यार ताका नवसर्जनाची, कल्पकताय आनी कृतीची गरज आसता.

## तगावक्षम विकासाचें ध्येय-9- विश्वव्यापी मोखी

9.1 प्रादेशीक आनी दोन देशांच्या शिमांचेर आशिल्ली साधनसुविधा दर्जेदार, विस्वासू, तगावक्षम आनी आनंदी-स्थितीस्थापक तरेन विकसीत करप. ताचो आदार अर्थीक उदरगत आनी मनशांच्या कल्याणाक जातलो. ताचो भर सगल्यांक परवडपा सारको आनी सार्वत्रीक रिगाव मेळपा सारको आसचो.

9.2 समावेशक आनी तगावक्षम उद्वेगीकरणाक प्रोत्साहन दिवप आनी 2030 मेरेन अर्थपूर्ण रितीन रोजगाराचो वांटो वाडोवप आनी राष्ट्रीय परिस्थिती प्रमाण निव्वळ देशी उत्पादन वाडोवप, आनी अविकसीत देशां खातीर दुप्पट वांटो पावोवप.

9.3 लघु उद्वेगांनीआनी हेर आस्थापनांनी खासा करून विकसनशील देशांनी, वित्तीय सेवेंत, रिगाव वाडोवप, खासा करून परवडपा सारकें रीण आनी तांची मूल्य - सांखळी आनी बाजारपेठ हांतली अखंडताय वाडोवप

9.4 2030 मेरेन, जे देश आपणाले तांकी प्रमाण कारवाय करून साधन सुविधांचें स्तर -उंचावण करतात, आपणाल्या उद्देगांक तगावक्षम करपा खातीर जाय आशिल्लीं नवीं उपकरणां पुरयतात (रेट्रोफिट), चडावत संसाधनांचो उपेग करून कार्यक्षमताय आपणायतात, आनी स्वच्छ आनी पर्यावरणाचे नदरेन समर्पक आनी उद्देगीक प्रक्रिया आपणायतात तांचो दर्जो वाडोवप.

9.5 सगल्या देशांतलें विज्ञानीक संशोधन वाडोवप, उद्देग विभागांच्यो तंत्रीक तांकी वाडोवप, खासा करून विकसनशील देशांनी हें गरजेचें. 2030 मेरेन विकसनशील देशां भितर, नवनिर्मणेक प्रोत्साहन दिवप आनी दर धा लाखांफाटल्यान खाजगी संशोधना कार्यकर्त्यांचो आंकडो भोव बरो वाडोवप तेचभशेन सार्वजनीक आनी खाजगी विकास खर्च वाडोवप.

9.ए. आफ्रिकन देश, अविकसीत देश, सैमीक रितीन भूपरिवेश्टीत अशे विकसनशील देश आनी ल्हान जुंव्यांनी भरिल्लीं राज्यां हांकां वाढीव अश्या अर्थीक, तंत्रीक आनी तंत्रज्ञानाच्या समर्थना वरवीं विकसनशील देशांनी तगावक्षम आनी लवचीक (स्थितीस्थापक) पायाभूत साधनसुविधांचे उदरगतीची सुविधा मेळूंक सोपें करप.

9.बी. विकसनशील देशांत देशांतर्गत तंत्रज्ञानाचो विकास, संशोधन आनी नवसर्जन, हेर गजालीं वांगडाच उद्देगीक विविधीकरण आनी तांचें मोल वाडोवपा खातीर फावो तशें धोरणाचें वातावरण भोव बरे रितीन निश्चित करून ताका तेंको दिवप.

9.सी. म्हायती आनी केळोवपाच्या तंत्रज्ञानाचो रिगाव मोठ्या प्रमाणार वाडोवप आनी 2020 मेरेन कमी विकास जाल्ल्या देशांनी इंटरनेटाचो आनी परवडपा सारको रिगाव जावचो म्हण यत्न करप.

## तगावक्षम विकासाचें ध्येय-9 सादूंक ग्राम पंचायतीची भूमीका

वयर सांगिल्लीं चडशीं उद्दिश्टां थळाव्या पावंड्यार साध्य करप शक्य नासलीं तरी कांय कार्यावळी ग्राम पंचायती करूंक शकतात

- भौशीक इमारती (शाळा, आरोग्य केंद्रां, बी) हांच्या खातीर तगावक्षम साधन-सुविधा - जशे दर्जेदार रस्ते - विकसीत करप.
- लघु उद्देग आनी उद्देजक हांकां गांवांत आपोवन/सोयी दिवन प्रोत्साहन दिवप.
- गांवांनी वा गांवां भायर रोजगार मेळोवपा खातीर उपलब्ध आशिल्ल्यो नव्यो कुशळटायेच्यो संदी आनी त्यो आपणावपाची गरज हांची म्हायती गांवच्या लोकांक दिवप.
- ज्या गजालींचेर/प्रस्नांचेर नाविन्यपूर्ण अशे उपाय गरजेचे आसात ते सोदप/समजून घेवप आनी योग्य अश्यो संस्था/एजंसी हांकां नवसर्जनताय वापरून उपाय करपाक सोंपेपणां दिवप. (देखीक उदक तुंबतल्या वाठारांत शौचालयां उबारपा खातीर नवसर्जन तंत्रज्ञानाचो वापर करप.)
- स्वदेशी तंत्रज्ञान आनी पद्दतीं मदली नवसर्जनताय/नव्यो कल्पना हांकां प्रोत्साहन दिवप आनी त्यो पद्दती आनी तंत्रज्ञान सुदारपा खातीर तांकां तंत्रीक पालव मेळोवपा खातीर म्हायती दिवप)

10 असमानताय उणी करप

SDG - 10

# आमच्या देशांतली आनी हेर देशां मदली असमानताय उणी करप

हें उद्दिश्ट सगल्या तरांची असमानताय उणी करपाचें जावन आसा. अश्यो असमानतायो येणावळीच्या/उत्पन्नाच्या बाबतींत आसूंक शकतात. त्याच प्रमाण पिराय, लिंग, अपंगूळपण, जात, वंश, मुळावें थळ/मूळ, धर्म वा देशां भितरलें वा संसवसारांतलें अर्थकारण हाचेर आदारिल्ल्यो आसूंक शकतात. अशे तरेन त्यो स्थळांतर, वेपार आनी हेर विकासा संबंदींचे प्रस्न सुटावे करूंक शकतात.

## तगावक्षम विकासाचें ध्येय-10 विश्वव्यापी मोखीः

10.1 तळाच्या 40 टक्के लोक संख्येच्या उत्पन्नांत 2030 मेरेन राष्ट्रीय सरासरी परस चड वाड सतत करत रावप आनी ती तिगोवन धरप.

10.2 2030 मेरेन वय, लिंग, अपंगूळपण, वंश, जात, मूळ, धर्म वा अर्थीक स्थिती वा हेर प्रस्नांचेर समाजीक, अर्थीक आनी राजकी नदरेन सर्वसमावेशक पद्दतीन प्रोत्साहन दिवप आनी तांचें सबळीकरण करप.

10.3 समान संदी सुनिश्चित करप आनी भेदाभेद करपी कायदे, धोरणां आनी चाली रिती काड्न उडोवप आनी हे नदरेन योग्य कायदे, धोरणां आनी कृतींक प्रोत्साहन दिवन परिणामांची असमानताय उणी करप.

10.4 धोरणां थारावप, खासा करून वित्तीय, दिसवडो आनी समाजीक सुरक्षेचें धोरण आनी दिसान दीस अदीक समानताय सादप

10.5 जागतीक वित्तीय बाजाराचें नियमन आनी निरिक्षण सुदारप आनी संस्था तेच परी अश्या नेमांची अंमलबजावणी बळीश्ट करप.

10.6 चड प्रभावी, विस्वासू, जापसालदार आनी कायदेशीर संस्थांनी जागतीक, आंतरराष्ट्रीय अर्थीक आनी वित्तीय बाबतींत निर्णय घेवपांत विकसनशील देशांचें प्रतिनिधीत्व वाडोवप आनी म्हणणें/आवाज सुनिश्चित करप.

10.7. नियोजीत आनी सुव्यवस्थित स्थळांतर धोरणांचे अंमलबजावणेवरवीं लोकांचें सुव्यवस्थित, सुरक्षीत, नियमीत आनी जबाबदार स्थळांतर करप.

10.ए. जागतीक वेपार संघटनेचे कबलाती प्रमाण विकसनशील देश आनी विशेशतः उणे विकसीत देश हांच्या खातीर खासा आनी वेगळे वागणुकेचें तत्त्व लागू करप.

10. बी. ज्या देशांनी सगल्यांत चड गरज आसा अश्या देसांक, खासा करून अशे देश जंय थेट अशी परदेशी गुंतवणूक आसा. उणे विकसीत देश, आफ्रिकन देश, ल्हान जुंवे, भूंय परिवेश्टित विकसनशील देश हांकां तांच्या राष्ट्रीय येवजण्यां आनी कार्यावळीं प्रमाण अधिकृत उदरगतीचें साह्य आनी अर्थीक प्रवाहांक प्रोत्साहन दिवप.

10. सी. 2030 मेरेन, स्थळांतरीत रेमिटन्सांचें वेव्हार मोल 3 टक्क्यां परस उणें करप आनी 5 टक्क्यां परस चड मोल आशिल्लें रेमिटन्स काडून उडोवप.

## तगावक्षम विकासाचें ध्येय-10 सादूंक ग्राम पंचायतींची भूमीका

हें उद्दिश्ट देश पावंड्यार गांठपाचें आशिल्ल्यान ग्राम पंचायतींनी असमानताय उणी करपा फाटलें तत्व समजून घेवंक जाय. गांवांतल्या तरेकवार कार्यावळींचें नियोजन करतना ग्राम पंचायतीन हें तत्व आपणावन तें ज्ञान गांवभर पावोवप म्हत्वाचें जावन आसा.

11 तगावक्षम शारां आनी समुदाय

SDG - 11

# शारां, मनशांच्यो वसाहती सर्वसमावेशक, सुरक्षीत, लवचीक आनी तगावक्षम करप

2030 मेरेन 60 टक्क्यां परस चड लोक शारांत आसतले असो अदमास आसा. ताका लागून सुरक्षीतताय, बदल आपणावंक शकप ना आनी सीमांतीकरण (मार्जिनलायझेशन) असले खूबशे प्रस्न निर्माण जातात. तगावक्षम विकासा खातीर अश्या समस्यांची/प्रस्नांची सोडणूक करप म्हत्वाचें थारता.

## तगावक्षम विकासाचें ध्येय-11 : विश्वव्यापी मोखी

11.1 2030 मेरेन सगल्यां खातीर फावो तितलीं सुरक्षीत, परवडपा सारकीं घरां आनी मुळाव्यो सेवा हांचो रिगाव आनी झोंपडपट्ट्यांचो विकास करप (अपग्रेड).

11.2 2030 मेरेन सगल्यां खातीर सुरक्षीत, परवडपा सारकी, सोंपी आनी तगावक्षम येरादारेची वेवस्था करप, रस्त्यांची सुरक्षा सुदारप, खासा करून भौशीक येरादारी वाडोवन असुरक्षीत परिस्थितींत आशिल्ल्यो बायलो, भुरगीं, अपंगूळ व्यक्ती आनी म्हातारे लोक हांच्या गरजां कडेन खासा लक्ष दिवप.

11.3 2030 मेरेन सगल्या देशांनी सर्वसमावेशक आनी तगावक्षम शारीकरण आनी सहभागी, एकात्मीक आनी तागावक्षम मनीस वस्त्यांचें नियोजन आनी तांक वाडोवपाचें वेवस्थापन करप.

11.4 जगाच्या सांस्कृतीक आनी सैमीक दायजाची राखण करपाचे यत्न बळिश्ट करप

11.5 2030 मेरेन मृत्यूंचो आंकडो आनी पिडेस्त लोकांचो आंकडो व्हडा प्रमाणार उणो करप आनी संवसारीक तुळेंत थेट अर्थीक लुकसाणी व्हडा प्रमाणांत उणी करप. आपत्तींक लागून जावपी देशां भितरलें समेस्त उत्पादन, उदका कडेन संबंदीत आपत्तीं सयत, गरीब आनी सुरक्षीत स्थितींत आशिल्ल्या लोकांची राखण करपाचेर भर दिवप.

11.6 2030 मेरेन, हवेचे गुणवत्तेचेर आनी नगरपालिका आनी हेर कोयर वेवस्थापन हांचेर खासा लक्ष दिवन शारांचो प्रति व्यक्ती पर्यावरणाचो प्रतीकूल परिणाम उणो करप.

11.7 2030 मेरेन सुरक्षीत, सर्वसमावेशक आनी रिगाव करपाक योग्य अश्या पांचव्याचार, भौशीक थळांचेर खासा करून महिला आनी भुरगीं, अपंगूळ आनी म्हातार्‍यो व्यक्ती हांकां सार्वत्रीक प्रवेश मेळोवन दिवप.

11. ए. राष्ट्रीय आनी प्रादेशीक विकास नियोजन घटमूट करून शारी, शारांच्या लागींच्या आनी गांवगिर्‍या वाठारांतल्या सकारात्मक - अर्थीक, समाजीक आनी पर्यावरणाच्या संबंधांक तेंको दिवप

11. बी. 2020 मेरेन आपत्ती जोखीम उणी करपा खातीर सेंडाय फ्रेमवर्क 2015-2030 प्रमाण सर्वसमावेशक धोरणां आनी येवजण्यो अंमलांत हाडप, संसाधनांची तांक उणे करप आनी वातावरण बदला कडेन जुळोवन घेवप, आपत्तींक स्थिती स्थापक करप आनी तांची अंमलबजावणी करप.

11. सी. थळाव्या वस्तूंचो वापर करून तगावक्षम आनी लवचीक इमारती बांदपा खातीर अर्थीक आनी तंत्रीक पालवा वरवी उणे विकसीत देशांक तेंको दिवप

## तगावक्षम विकासाचें ध्येय 11 सादूंक पंचायतींची भूमिका

हें उद्दिश्ट खासा शारी वाठारां खातीर आसा. तरीकय हातूंत ग्राम पंचायतींची भूमीका आसपावता. रोजगाराच्यो संदी, सेवा, शिक्षण, आरोग्य सेवा, मुळाव्यो सुविधा, हांच्या सारकें योग्य वातावरण तयार करून ग्राम पंचायतींच्यान शारी वाठारांत जावपी स्थळांतर उणें करपाचो यत्न मुजरत करूं येता.

12 जापसालदारकेन उपभोग आनी उत्पादन

SDG - 12

# तगावक्षम उपभोग आनी उत्पादनाचे नमुने सुनिश्चित करप

तगावक्षम विकासाचें उद्दिश्ट - 12 संसाधनांचो (उदक, ऊर्जा, अन्न हांचो) इबाड, पर्यावरणाचो नाश, आनी प्रदूशण उणें करप, सैमीक संसाधनां आनी ऊर्जा कार्यक्षमतायेक उठाव दिवपाचेर भर दिवप हें आसा. संवसारभर सैमीक संसाधनांची मागणी सतत वाडत आसा. जर संसाधनां जापसालदारकेन वापरलीं नात, तर आमी आमच्या पर्यावरणाची उपाट लुकसाणी करतले, जी केन्नाच भरून काडप शक्य जावचें ना. आनी ताचो सभावीक परिणाम मनशाचे जिणेचेर जातलो.

## तगावक्षम विकासाचें ध्येय-12 : विश्वव्यापी मोखीः

12.1 विकसनशील देशांचो विकास आनी तांची तांक मतींत घेवन तगावक्षम उपभोग आनी उत्पादन हांच्या खातीर 10 वर्सांची चौकट लागून करप. त्या खातीर सगळ्या देशांनी कृती करप आनी त्या वावरांत विकसीत देशांनी फुडाकार घेवप.

12.2 2030 मेरेन तगावक्षम वेवस्थापन आनी सैमीक संसाधनांचो कार्यक्षम वापर साध्य करप.

12.3 2030 मेरेन किरकोळ आनी गिरायकाच्या पावंड्यार जागतीक अन्नाचो प्रति व्यक्ती जाता तो इबाड अर्दार हाडप आनी उत्पादन आनी पुरवण सांखळे सयत अन्नाची लुकसाणी उणी करप.

12.4 2020 मेरेन रसायनां आनी सगळ्या तरांच्या कोयराचें, मानून घेतिल्ले आंतरराष्ट्रीय चौकटी प्रमाण लोकांच्या जिणे-चक्रांत पर्यावरणाचे नदरेन योग्य अशें वेवस्थापन पुराय करप. आनी मनशांचे भलायकेचेर आनी पर्यावरणाचेर जावपी प्रतिकूल परिणाम उणे करपा खातीर तीं हवा, उदक आनी मातयेंत सोडपाच्या प्रमाणांत व्हडा प्रमाणार उणाव हाडप.

12.5 2030 मेरेन, प्रतिबंध, उणाव हाडप, पुनर्प्रक्रिया आनी पुनर्वापर हांचे वरवीं कोयराची जातली निर्मणी व्हडा प्रमाणार उणी करप.

12.6 कंपन्यांक, मोठ्या आनी आंतरराष्ट्रीय कंपन्यांक तगावक्षम पद्दती वापरून आनी तांची म्हायती त्या कंपन्यांच्या नियमीत अहवालांत एकठांय करून नेमान दिवपाक प्रोत्साहन दिवप

12.7 राष्ट्रीय धोरणां आनी प्राधान्यक्रमां प्रमाण तगावक्षम रूपाचे सार्वजनीक खरेदी पद्दतीक प्रोत्साहन दिवप.

12.8 2030 मेरेन, सगल्या कडच्या लोकांक तगावक्षम विकास आनी सैमा कडेन सुसंगत अशे जीवनशैले खातीरची म्हायती आनी जाणविकाय आशिल्ल्याची खात्री करून घेवप

12.ए. उपभोग आनी उत्पादन हांचे भोव तगावक्षम नमुने आपणावपा खातीर विकसनशील देशांक तांची विज्ञानीक आनी तंत्रीक तांक वाडोवपाक तेंको दिवप.

12.बी. जे वरवीं रोजगार निर्मणी जाता आनी थळावे संस्कृतीक प्रोत्साहन मेळटा अशीं साधनां आनी उत्पादनां तगावक्षम पर्यटन आनी तगावक्षम विकासाचे परिणाम हांचे खातीर विकसीत करप.

12.सी. गरीब आनी वायट परिणाम जाल्ल्या समुदायांचे राखणे खातीर विनाकारण जावपी असो इंधनाचो वापर टाळप आनी अकार्यक्षम जीवाश्म इंधनावेल्यो सब्सिडी तर्कसंगत करप. त्या खातीर राष्ट्रीय परिस्थिती प्रमाण करांचे आकारणेची पुनर्ररचणूक करून आनी चालंत आशिल्ल्यो लुकसाणेच्यो सब्सिडी टप्प्याटप्प्यान बंद करप. तांचे पर्यावरणीय परिणाम दिसपा खातीर खाशेल्यो गरजो पुरायेन मतींत घेवन आनी विकसनशील देशांची परिस्थिती आनी तांच्या विकासाच्या प्रतीकूल परिणामांचो संभव उणो करप.

## तगावक्षम विकासाचें ध्येय-12 : ग्राम पंचायतींची भूमीका

भारतीय संविधानाच्या इकराव्या परिशिश्टा प्रमाण उदक आनी पाणलोट वेवस्थापन, मातयेचें संवर्धन आनी समाजीक वनीकरण हे विशय थळाव्या स्वराज्य संस्थां कडेन हस्तांतरीत करपाचे आसात. जरी तगावक्षम विकासाचें ध्येय-12 हें थेट ग्राम पंचायतींक संबंदीत नासलें तरी थळाव्या अर्थीक विकासाक जापसालदार ह्या नात्यान ग्राम पंचायती तगावक्षम विकासाचें ध्येय 12 खातीर ते दिकेन पावलां मारपाक आपणाली भूमिका बजावपाक शकतात. तांतलीं कांय पावलां मुखार दिल्ल्या प्रमाण आसपाक शकतातः

1. कोयर/इबाड उणो करप, तगावक्षम उत्पादन वाडोवप आनी ताचो वापर कितलो करचो तें थारावप आनी ते वरवीं पर्यावरणावेलो प्रतिकूल परिणाम उणो करपा विशीं नागरिकां मदीं जागृताय निर्माण करप.
2. ग्राम पंचायत वाठारांत प्लास्टिकाचो वापर उणो करप हाचे सारक्या प्रदूशण उणे करपाच्या उपायांक ग्राम पंचायती कडल्यान प्रोत्साहन दिवप.
3. रोजगार निर्मणी, थळावे संस्कृतीक उर्बा, थळावें उत्पादन, हांकां प्रोत्साहन मेळपा खातीर तगावक्षम अश्या थळाव्या पर्यटनाक प्रोत्साहन दिवप

14 उदकांतली जिवावळ

SDG - 14

# तगावक्षम विकासा खातीर महासागर, समुद्र आनी सागरी संसाधनांचो तगावक्षम तरेन सांबाळ आनी वापर

तगावक्षम विकासाचें ध्येय-14 चें उद्दिश्ट हें महासागर, समुद्र आनी उदकांतले जिवावळीचें वेवस्थापन आनी संवर्धन अशें आसा. हें उद्दिश्ट अन्न आनी जैव-इंधन हांचे सयत सैमीक स्रोतांची जतनाय करपाचे नदरेन भोव म्हत्वाचें आसा. दर्यावेळ वाठारांतली जीवसृश्ट लेगीत हवामान बदलाचो परिणाम उणो करपाक मदत करता. दर्यावेळ वाठारांत रावपी लोकांच्या पोटा पाण्याचो प्रस्न ही जीवसृश्ट सोडयता. पूण पर्यावरणांत उणाव आयल्यार ह्या सगल्या गजालींचेर वायट परिणाम जाता.

### तगावक्षम विकासाचें ध्येय-14 : विश्वव्यापी मोखी

14.1 2025 मेरेन, सगल्या तरांच्या सागरी प्रदूशणाक आळाबंद हाडप. खासा करून जमनीचेर जावपी वावराक लागून जावपी, दर्यांत कोयराराशी ओतप आनी पोशण मूल्यांचें प्रदूशण हें व्हडा प्रमाणार उणें करप.

14.2 2020 मेरेन, व्हडा प्रमाणावेले प्रतिकूल परिणाम टाळपा खातीर सागरी आनी किनारी जीवसृश्टीचें वेवस्थापन आनी राखण तगावक्षम करप. तातूंत तांची स्थिती-स्थापकताय/लवचीकसाण बळिश्ट करप जे वरवीं निरोगी आनी उत्पादकपूर्ण महासागराची पुनर्स्थापणूक जातली.

14.3 सगल्या पावंड्यांर विज्ञानीक सहकार्य वाडोवन महासागरांतलो आम्लीकरणाचो (ॲसिडिफिकेशन) परिणाम उमो करप आनी आळाबंदाक हाडप.

14.4 2020 मेरेन, नुस्तेमारीचें प्रभावी रितीन नियमन करप आनी अतिरेकी नुस्तेमारी थांबोवप, बेकायदेशीर, नांव-नोंदणी जाल्ल्यो नाशिल्ल्यो अनियंत्रीत आनी विनाशकारी नुस्तेंमारी पद्दती थांबोवप. विज्ञानाचेर आदिरिल्ल्यो वेवस्थापन येवजण्यो चालीक लावप. नुस्त्यांच्या जैवीक वैशिश्ट्यां वरवीं निर्धारीत केल्ल्या प्रमाण उण्यांत उणे पातळेचेर चडांत चड तगावक्षम उत्पादन दिवंक शकतल्या विज्ञानीक पद्दतींचें वेवस्था पन करफ्नुस्त्याची पैदास उण्यात उण्या वेळांत पयलीं सारकी जातली अशें वेवस्थापन चालीक लावप.

14.5 2020 मेरेन, राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय कायद्याची जाणविकाय दवरून आनी उपलब्ध आशिल्ले चड बरे म्हायतीचेर आदारून उण्यांत उण्यो10 टक्के दर्यावेळो आनी सागरी वाठार हांची राखण करप.

14.6 2020 मेरेन तांकी परस चड नुस्तेंमारी करपाक संद दिवपी अशीं कांय अनुदानां आनी सबसिडी बंद करप. बेकायदेशीर आनी अहवाल दिना आशिल्ल्या आनी बेसुमार नुस्तेमारेक कारण थरपी सबसिडी काडून उडोवप. विकसनशील आनी कमी विकास जाल्ल्या देशां खातीर योग्य आनी परिणामकारक खासा आनी वेगळेपणाचे वागणुकीची गरज वळखून असलीं नवीं अनुदानां चालू करपा पासून तांकां परावृत्त करप, हो जागतीक वेपारी संघटनेच्या नुस्तें-पैदास अनुदाना विशींच्या वाटाघाटींचो कुशीक दवरपाक जायना असो समावेशक वांटो आसप.

14.7 2030 मेरेन, नुस्तें पैदास, सागरी संस्कृताय आनी पर्यटन हांच्या तिगावक्षम वेवस्थापना वरवीं सागरी संसाधनांच्या तगावक्षम वापरांतल्यान ल्हान जुंवे, विकसनशील देशांक अर्थीक लाब वाडोवप.

14.ए. आंतर-सरकार समुद्र विज्ञान कमिशनाच्यो सागरी तंत्रज्ञानाचें हस्तांतर करपा विशीच्यो मार्गदर्शी सुचवण्यो मतींत घेवन सागरी आरोग्य सुदारपा खातीर आनी सागरी जैव विविधतायेचे उदरगती खातीर योगदान वाडोवपाचे नदरेन विज्ञानीक ज्ञान वाडोवप, संशोधनाचे क्षमतेंत सुदारणा करप आनी सागरी तंत्रज्ञान हस्तांतरीत करप. हें सगलें विकसनशील देश, आनी कमी विकसीत देश आनी जुंवे हांचे उदरगती खातीर करप.

14.बी. सागरी संसाधनां आनी बाजारपेठांनी ल्हान-ल्हान नुस्तेमार-कारागिरांक रिगाव मेळोवन दिवप.

14.सी. UNCLOS हें महासागर आनी तांच्या संसाधनांचें संरक्षण आनी तगावक्षम वापरा खातीर कायद्याची चौकट सांगता. त्या प्रमाण आनी 'द फ्युचर वुई वॉंट'च्या 158 व्या परिच्छेदांत दिसता त्या प्रमाण आंतरराष्ट्रीय कायद्याची अंमलबजावणी करप.

## तगावक्षम विकासाचें ध्येय-14 सादूंक पंचायतींची भूमीका

तगावक्षम विकासाचें ध्येय-14 खातीर दर्यावेळ वाठारांतल्यो ग्राम पंचायती मुखार दिल्लो वावर करूंक शकतात

1. न्हंयो आनी समुद्रांनी कोयर आनी वाहीत म्हेळ (सिवेज) हांचो विलो लावपाच्यो करण्यो उण्यो करप.
2. दर्यावेळ वाठारांतले जीवसृश्टीचें संवर्धन आनी राखण करपा खातीर सामूहीक मानस सूत्रां (नॉर्म्स) थारावप.
3. संसाधनांचो अतिरेकी वापर उणो करपा खातीर नुस्तेंमारी आनी तिका संबंदीत वापरा खातीर सामूहीक मानस सूत्रां थारावप.
4. दर्यावेळ वाठारांतल्या इमारत बांदकामांचेर आळाबंद हाडपा खातीर येवजण राबोवन तिका आपणावपाक प्रोत्साहन दिवप. ते नदरेन इमारतींच्या बांधकाम नेमांक पाळो दिवपाची खात्री करून घेवपा खातीर योग्य प्राधिकरणा कडेन संपर्क सादप.
5. वयले सगले मुद्दे मतींत घेवन दर्यावेळ वाठार कृती येवजण थळाव्या पावंड्यार करप.

16 शांती, न्याय आनी बळिश्ट संस्था

SDG - 16

# तगावक्षम विकासा खातीर शांतीकायेच्या आनी सर्वसमावेशक समाजाक प्रोत्साहन दिवप, सगल्यांक न्याय मेळपा खातीर रिगाव मेळोवन दिवप आनी सगल्या पावंड्यांर परिणामकारक, जापसालदार आनी सर्वसमावेशक संस्थांची उबारणी कर

## तगावक्षम विकासाचें ध्येय-16 : विश्वव्यापी मोखी

16.1 सगल्या कडांनी जावपी सगल्या तरांचो हिंसाचार आनी त्या वरवीं जावपी मृत्यू हांचो आंकडो व्हडा प्रमाणार उणो करप.

16.2 भुरग्यांवेले अत्याचार, शोशण आनी अनैतीक वेपार आनी तांचेर जातलो सगल्या तरांचो हिंसाचार सोंपोवप.

16.3 राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय पावंड्यांर कायद्याच्या शासनाचो पुरस्कार करप आनी सगल्यां खातीर समान न्याय मेळोवपाक रिगाव उपलब्ध करप.

16.4 2030 मेरेन, बेकायदेशीर अर्थीक आनी शस्त्रास्त्रांचो प्रवाह मोठ्या प्रमाणार उणो करप. चोरयेक गेल्ली मालमत्ता सोदून काडून ती परत मेळोवन दिवप आनी संघटीत गुन्यांवकारेआड झुजप.

16.5 सगल्या तरांचो भ्रश्टाचार आनी लांचखोरी सामकी उणी करप.

16.6 सगल्या पावंड्यांर परिणामकारक, जापसालदार आनी पारदर्शी समाजाची निर्मणी करप.

16.7 सगल्या पावंड्यांर प्रतिसाद दिवपी, सर्वसमावेशक, सहभागी जावपी आनी प्रातिनिधीक निर्णय घेवपाची वेवस्था जाल्या हाची खात्री करप.

16.8 जागतीक प्रशासन संस्थांनी विकसनशील देशांचो सहभाग वाडोवप आनी तो बळिश्ट करप.

16.9 2030 मेरेन, समेस्तांक जल्म नोंदणे वरवीं कायदेशीर वळख मेळोवन दिवप.

16.10 राष्ट्रीय कायदे आनी आंतरराष्ट्रीय कबलाती प्रमाण माहितीक रिगाव मेळोवन दिवप आनी मूलभूत स्वातंत्र्याची राखण करप.

16.ए. सगल्या पावंड्यांर क्षमताय वाडोवपा खातीर संबंदीत राष्ट्रीय संस्थांक बळिश्ट करप. खासा करून विकसनशील देशांतल्या हिंसाचाराक आळाबंद हाडपा खातीर त्याच प्रमाण आतंकवाद आनी गुन्यांवां आड झुजपा खातीर आंतरराष्ट्रीय सहकार्यान वावुरप.

16.बी. तगावक्षम विकासा खातीर भेदभाव करिनाशिल्ले कायदे आनी धोरणांक प्रोत्साहन दिवन तीं चालीक लावप.

## तगावक्षम विकासाचें ध्येय-16 : ग्राम पंचायतींची भूमीका

- समुदायांचे शांतिकायेचे जिणेक उर्बा दिवपा खातीर आनी सगल्या तरांचो हिंसाचार आळाबंदाक हाडपा खातीर वळखीच्या लोकांचो गट स्थापन करप.
- लोकांचे दक्षताय गट आनी मोहिमो तयार करून IEC वरवीं भुरग्यांवेले अत्याचार, तांचें शोशण, तस्करी, आनी सगल्या तरांची हिंसा आनी छळ सोंपोवपा खातीर फुडाकार घेवप.
- गांवांतली ग्राम पंचायत भ्रश्टाचार मुक्त करपा खातीर नागरीक सनद (सिटीझन चार्टर), समाजीक लेखा परीक्षण (सोशल ऑडिट), ग्राम सभा असलीं व्यासपिठां तयार करून प्राशसन आनी सेवांचें वितरण हांचेर देखरेख करप आनी पारदर्शीपण राखपा खातीर उपाय करप.
- सगल्या पावंड्यांचेर प्रतिसाद आशिल्ले, सर्वसमावेशक, सहभागी आनी प्रातिनिधीक निर्णय घेवपाची खात्री करपा खातीर ग्राम सभा बळिश्ट करप.
- सगल्यांची जल्म-नोंदणी पुराय जाल्या हाची खात्री करून घेवप.
- ग्राम पंचायतीच्या सगल्या कार्यालयांतले म्हायतीचें सक्रीय प्रकटीकरण सुरू करून म्हायती अधिकार कायद्याची अंमल बजावणी करून तिका प्रोत्साहन दिवप आनी देखरेख करप

17 ध्येयां खातीर भागीदारी

SDG - 17

# तगावक्षम विकासा खातीर जागतिक भागीदारेचें पुनरुज्जीवन करून अंमलबजावणेचीं साधनां बळिश्ट करप

2030 चे कार्यावळ वळेरेंतल्यो मोखी साध्य करपा खातीर सरकारां, नागरी समाज, खासगत क्षेत्र, राष्ट्र संघाची यंत्रणा आनी हेर वांटेकार घटक हांकां एकठांय हाडपाची गरज आसा.

### तगावक्षम विकासाचें ध्येय-17 : विश्वव्यापी मोखी

## वित्त

17.1 कर आनी हेर महसूल एकठांय करपा खातीर, देशां भितरली तांक वाडोवपा खातीर, विकसनशील देशांक आंतरराष्ट्रीय तेंक्या सयत देशां भितरल्या संसाधनांची जमवाजमव बळिश्ट करप.

17.2 विकसीत देशांनी तांच्या अधिकृत उदरगत साह्या खातीर दिल्ल्या उतराची पुरायेन अंमलबजावणी करप. तातूंत विकसनशील देशांक ODA/GNI च्या 0.7 टक्के आनी कमी विकास जाल्ल्या देशांनी 0.15 ते 0.20 टक्के ODA/GNI ही मोख गांठपा खातीर खूबश्या विकसीत देशांनी दिल्ल्या उतरांचो आसपाव आसा. ODA दिवप्यांक मोख थारावपाक उर्बा दितात. उण्यात उण्या विकसीत देशांक 0.20 टक्के ODA/GNI दिवप

17.3 चडावत संसाधनां एकठावन विसनशील देशां खातीर चडावत अर्थीक स्रोत तैनात करप.

17.4 विकसनशील देशांक दीर्घ काळाची रिणाची स्थिरताय मेळपा खातीर सहकार्याच्या धोरणा वरवीं रीण दिवप, रिणांतल्यान मेकळो जावपा खातीर आनी परत रिणाची वेवस्था करपा खातीर योग्य ती मदत करप. सामके रिणांत बुडिल्ल्या गरीब देशांचो रिणांचो त्रास उणो करपा खातीर तांच्या भायल्या रिणांची सोडणूक करप.

17.5 कमी विकसीत देशां खातीर भांडवल गुंतवणुके संबंदांतल्या उद्दिश्टांची अंमलबजावणी करप

## तंत्रज्ञान

17.6 सध्याच्या यंत्रणां मदल्या सुदारीत समन्वया वरवीं जागतीक तंत्रज्ञान आनी सुविधा यंत्रणा हांतल्यान उत्तर-दक्षिण, दक्षिण-दक्षिण आनी त्रिकोणीय आंतरराष्ट्रीय सहयोग वाडोवप आनी विज्ञान आनी तंत्रज्ञान हातूंत रिगाव मेळोवप आनी दोगांनीय मानून घेतिल्ल्या अटीं प्रमाण ज्ञानाचें दिवप-घेवप वाडोवप. चड करून हें संयुक्त राष्ट्रांच्या पावंड्यार घडोवन हाडप.

17.7 विकसनशील देशांनी फावोश्या अटींचेर सवलतींच्या आनी प्राधान्य आशिल्ल्या अटींचेर दोगांयचे मान्यताये प्रमाण पर्यावरणाचे नदरेन योग्य अश्या तंत्रज्ञानाचो विकास, हस्तांतरण, प्रसारण आनी फैलाव हांका प्रोत्साहन दिवप.

17.8 2017 मेरेन, कमी विकसीत देशां खातीर तंत्रज्ञान बँक पुराय तांकीन चालीक लावप, विज्ञान तंत्रज्ञान आनी नवसर्जन क्षमताय निर्मणेची यंत्रणा तेच परी सक्षम तंत्रज्ञानाचो वापर वाडोवप

## क्षमताय निर्मणी

17.9 उत्तर-दक्षिण, दक्षिण-दक्षिण आनी त्रिकोणीय सहयोगा खातीर तगावक्षम विकासाच्या उद्दिश्टांचे अंमलबजावणे खातीर, राष्ट्रीय येवजण्यांक तेंको दिवपा खातीर विकसनशील देशांनी परिणामकारक आनी थारायिल्ले मोखी प्रमाण तांक वाडोवप

## वेपार

17.10 जागतीक वेपार संघटने वरवीं दोहा विकास एजेंडा खाला जाल्ल्या वाटाघाटींच्या निर्णया प्रमाण सार्वत्रीक, नेमाची बांदावळ आशिल्ले, मुक्त, भेदभावाविणे आनी न्यायाचेर आदारिल्ले भोव पक्षीय वेपार प्रणालीचो प्रसार करप.

17.11 2020 मेरेन, कमी विकसीत देशांचो निर्गतींतलो वांटो दुप्पट करपाचे नदरेन विशेशतः विकसनशील देशांचे निर्यातींत व्हडा प्रमाणार वाड करप.

17.12 जागतीक वेपार संघटनेच्या निर्णया प्रमाण सगल्या कमी विकसीत देशां खातीर कायम स्वरूपाचे करमुक्त आनी कोटा मुक्त बाजारपेठेंत रिगाव मेळपा खातीर फावो त्या वेळार अंमलबजावणी करप. तातूंत कमी विकसीत देशां मदल्यान लागू जावपाचे प्राधान्य-नेम पारदर्शी आनी सोंपे आसात हाची खात्री करून घेवप आनी बाजारपेठेंत रिगाव सोंपेपणान मेळपा खातीर योगदान दिवप.

## पद्धतशीर प्रस्न/समस्या

*धोरण आनी संस्थात्मक सुसंगती*

17.13 धोरणांतलो समन्वय आनी सुसंगती सादून जागतीक पावंड्यार व्यापक स्वरूपांत अर्थीक स्थैर्य वाडोवप.

17.14 दरेका देशाचो धोरण थारापाचो आंवाठ आनी तांच्या फुडाऱ्यांचो मान राखप आनी गरिबी निर्मूलना खातीर आनी तगावक्षम विकासा खातीर धोरणां अंमलांत हाडप.

17.15 तगावक्षम विकासा खातीर सगल्या देशांची विशेशतः विकसनशील देशांची भागीदारी वाडोवप. खासा करून सगल्या देशांचीं तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां साध्य करपा खातीर ज्ञान, कुशळटाय, तंत्रज्ञान आनी अर्थीक संसाधनां भोव-हकदार भागीदारे वरवीं पूरक करप.

17.16 परिणामकारक अशी सार्वजनीक, सार्वजनीक-खाजगी आनी नागरी समाज हांची भागीदारी वाडोवपाक उर्बा दिवप आनी भागीदारेच्या अणभवाचेर आदारून संसाधनां विशींचीं धोरणां तयार करप.

17.17 2020 मेरेन, अविकसीत देश, ल्हान जुंवे, विकसनशील देश हांची क्षमताय वाडोवपाक तेंको दिवप उंचेली गुणवत्ता, उत्पन्न/येणावळ, लिंग, वय, वंश, जात स्थळांतर, अपंगूळपण, भुगोलीक वाठार आनी हेर मुद्दे हांचे वरवीं एकठांय केल्लो विस्वासाचो तपशील वेळार मेळोवन दिवन त्या देशांची तांक भोव बरी वाडोवप.

17.18 2030 मेरेन, देशां भितरल्या उत्पादनाक तेंको आशिल्ल्या तगावक्षम विकासाचे प्रगतीचें मेजमाप विकसीत करपा खातीर सध्या आशिल्ले उपक्रम उबे करप आनी विकसनशील देशांत सांख्यकीय क्षमता निर्मणेक तेंको दिवप

17.19 2030 मेरेन, देशां भितरल्या उत्पादनाक तेंको आशिल्ल्या तगावक्षम विकासाचे प्रगतीचें मेजमाप विकसीत करपा खातीर सध्या आशिल्ले उपक्रम उबे करप आनी विकसनशील देशांत सांख्यकीय क्षमता निर्मणेक तेंको दिवप

# तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां आनी मोखी हांचेर देखरेख दवरप

आमच्या वावराचेर देखरेखणी करपाचे तरेकवार मार्ग आसात.

- कार्यावळीं खातीर निश्चित असो कालावधी थारोवप
- वित्तीय मुद्दे
- मोखी
- उद्दिश्टां

हांतलो दरेक मुद्दो म्हत्वाचो आसलो तरी आमचो भर हो आमच्या ग्राम पंचायतींत हीं तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां आनी तांच्या मोखींचेर देखरेखणी कशी करप हाचेर आसा.

1. आमी गांवां खातीर ध्येयां आनी मोखी थारायिल्ल्यो आसात. आमच्या मोखीं खातीर आमी निश्चित असो कालावधी थारायला हाची खात्री करून घेयात. हीं उद्दिश्टां जर टप्प्या टप्प्यान गांठपाचीं आसात जाल्यार दरेका टप्प्या खातीर मोख थारायात. देखीक-आमची मोख आसा सगल्या 100 टक्के घरांत शौचालयां आसपाची. येवजणे प्रमाण ह्या वावरा खातीर आमी तीन वर्सांचो कालावधी थारायला. पयल्या वर्सा 25 टक्के काम पुराय जातलें अशी आमची अपेक्षा आसा. तशे रितीन फुडलो वावर थारावप. ना जाल्यार दरेके तिमाही खातीर मोख थारावंक येता.

**दरेका उद्दिश्टा खातीर ताची मोख आनी थारायिल्लो कालावधी आनी वावराचे टप्पे थारायिल्लो तकटो तयार करप.**

2. दर तीन म्हयन्यांनी आमी आमचीं उद्दिश्टां आनी मोखी हांच्या कितल्या लागीं पावल्यात ताचो नियाळ घेवप.

**जर थारायिल्ल्या कालावधी प्रमाण वावर मुखार वचना जाल्यार नियाळ घेवन त्या वावरांत कसलीं आडमेळीं आसात तें पळोवन त्या विशीं कृती करप.**

3. आमी ध्येयां आनी मोखी हांचोच नियाळ घेवंक सोदतात, सगल्या वावरांचो न्हय हें मतींत आसूं दी.

4. वेगवेगळ्या हकदार गटां कडल्यान वेगवेगळ्या पावंड्यांवेली देखरेखणी आसूंक शकताः:

- **ग्राम पंचायत** - ही लोक नियुक्त समिती आपल्या बसकांच्या वेळार सगलो वावर तांचीं उद्दिश्टां आनी मोखी हांची देखरेखणी आपणाल्या अधिकाऱ्यांनी दिल्ल्या स्थिती दर्शक अहवाला वरवीं घेता.
- **समुदायांच्या मुखेलपणा खाला देखरेखणी** - नागरिकांक वांगडी म्हण घेवन देखरेखणी समिती घडोवप. ती पुराय तगावक्षम विकासाच्या ध्येयां खातीर वा ग्राम पंचायत विकास येवजणे संबंदान वा दरेका उद्दिश्टा खातीर वेगळी समिती आसपाक शकता. तांकां दरेक कार्यावळ, उद्दिश्टां आनी मोखी हांच्या संबंदान म्हायती दितात वा ते आपूण ती एकठांय करतात. हांगा परत दरेक तीन म्हयन्यांनी, स म्हयन्यांनी वा वर्सान देखरेखणी जावंक शकता.
- **ग्राम सभा** - दरेके ग्राम सभेंत ग्राम पंचायतीचे समितीन स्थिती दर्शक अहवाल दवरप आनी ताचेर ग्राम सभा आपणालो अभिप्राय दिवंक शकता. खूबश्या प्रकरणांत तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां साध्य करपा खातीर नागरिकांक व्हड भूमिका करची पडटा. म्हण हे प्रक्रियें वरवीं ग्राम सभेचे मालकेची खात्री जावंक पावता. वा समुदाय देखरेखणी समित्यो तांचे अहवाल ग्राम सभेंत दवरूंक शकतात आनी ताचेर ग्राम सभेंत भासाभास जावंक शकता.

तुमचे ग्राम सभेक गतीमान करात. तुमचे पंचायतीच्यो निश्चित अश्यो मोखी थारायात. सरकारी आनी बिनसरकारी एजंसीं कडेन समन्वय करात. केंद्र सरकार आनी राज्य सरकार हांच्या तरेकवार येवजण्यांतल्यान संसाधनां सोदून काडात. समुदायांत ह्यो सेवा सुविधा पावतल्यो हाची खात्री करून घेयात.

तगावक्षम विकासाचीं ध्येयां गांठपा खातीर फुडारी जायात!

# ग्राम पंचायतीचे सर्वांगीण विकास येवजणेचे दिकेन

तगावक्षम विकासाचीं उद्दिश्टां साध्य करपा खातीर येवजण तयार करप म्हळ्यार ग्राम पंचायतीच्या तरेकवार कार्यावळींक समांतर अश्या दुसऱ्या कार्यावळींचो संच न्हय. खरें म्हळ्यार ती कार्यावळ, ग्राम पंचायत प्रक्रियेचो वेगळावंक जायना असो वांटो जावन आसा. त्यो कार्यावळी ग्राम पंचायत विकास येवजणेंत (GPDP) एकात्मीक केल्ल्यो आसतात. अशे तरेन हीं उद्दिश्टां दीर्घ काळाचे नदरेन आनी धोरणां सयत समग्र पंचायत विकास आराखड्या विशीं आसात.

आमी हें कशें करप?

आतां दरेका राज्यांत आपणाली ग्राम पंचायत विकास येवजण/आराखडो (GPDP) तयार केला. तातूंत सारकेपण वा वेगळेपण आसूंक शकता. पूण त्या सगल्यांचे दृश्टिकोन समसारके आसात. त्या दृश्टिकोनांचेर आदारिल्ल्यो कांय सुचवण्यो मुखार दिल्यात

- ग्राम पंचायत विकास येवजणेंत (GPDP) पयली प्रक्रिया म्हण स्थिती दर्शक विश्लेशण आसता (जरी तें नासलें तरी ग्राम पंचायती खातीर स्थिती दाखोवपी विश्लेशण करून घेवप ही बरी गजाल.) हें करतना आमी आतां मेरेन चर्चा केल्लीं सगलीं तगावक्षम विकासाचीं उद्दिश्टां/ध्येयांचो (SDGs) विचार करात. अशे तरेन ग्राम पंचायत दरेका उद्दिश्टा खातीर एक आदारभूत स्थिती निर्माण करूंक शकता.
- GPDP चे तयारेच्या मार्गदर्शक तत्वांत ग्राम सभे विशीं उल्लेख आसा. SDGs आनी सगल्यो येवजण्यो/कल्पना ग्राम सभेंत दवरात. ग्राम सभेंत ह्या मुद्द्यांचेर विचार, चर्चा जातली हाची खात्री करात.
- ग्राम सभेंत गटवार चर्चा जायत जाल्यार भोव बरी गजाल. खरें म्हळ्यार दरेके कल्पने/येवजणे विशीं गट (थिमॅटिक ग्रुप) आसल्यार बरें जाता.
- हाच्या पयलीं चर्चा केल्ले प्रमाण दरेके गट ग्राम पंचायतीचें थरावीक उद्दिश्ट आनी मोख घेवन चर्चेक येवंक शकता.
- वा ज्या राज्यांत GPDP प्रक्रियेंत थरावीक विशया संबंदान वावर करपी गटांचो उल्लेख आसा/येवजण्यो तयार करपा खातीर टास्क फोर्स आसात, हे गट SDGs कल्पने प्रमाण उद्दिश्टां आनी तांच्यो मोखी सुचोवंक शकतात.
- येवजण्यो तयार करतना ते उपक्रम/प्रकल्पांत SDGs मदलीं उद्दिश्टां आनी मोखी कश्यो आसपावन घेवंक शकतात तें पळोवचें
- SDGs मदल्या खूबश्या कृतीं खातीर निधीची गरज ना वा सामको उणो निधी लागतलो हें लक्षांत घेवंक जाय.
- SDGs कडेन जुळोवन घेवपाचे नदरेन हेर कार्यावळी आनी येवजण्यो हातासपाक/एकठावणी करपाक/पूरक करपाक शक्य आसात काय तें पळोवप.
- हेर संस्थात्मक, येवजण्यांच्यो, खात्यांच्यो, स्वयंसेवी, थळाव्यो कार्यावळी हांचो मेळ संसाधनां आनी कार्यावळी हांचे कडेन सादप शक्य आसा काय तें पळोवप.
- ग्राम पंचायत विकास आराखडो (GPDP) अशे तरेन एक सर्वांगीण येवजण आसा जी निमाणे SDGs खातीर मुळावो वावर करता आनी परिणाम घडोवन हाडटा. अशे तरेन थळावो ते जागतीक वावर

परिशिश्ट-1

# Abbreviations

| | |
|---|---|
| ANM | Auxiliary Nurse Midwives |
| ARWSP | Accelerated Rural Water Supply Programme |
| DDUGJY | Deen Dayal Upadhayaya Gram Jyoti Yojana |
| FPO | Farmers Producer Organisation |
| ICDS | Integrated Child Development Scheme |
| ICPS | Integrated Child Protection Services |
| IEC | Information, Education and Communication |
| IWMP | Integrated Watershed Management Programme |
| JSY | Janani Suraksha Yojana |
| MGNREGS | Mahatma Gandhi National Rural Employment Guarantee Scheme |
| NCD | Non-Communicable Diseases |
| NHM | National Health Mission |
| NMEW | National Mission for Empowerment of Women |
| NMSA | National Mission for Soil and Agriculture |
| NSDP | National Skill Development Programme |
| NSSK | Navjat Shisu Suraksha Karyakram |
| PDS | Public Distribution System |
| PMKSY | Pradhan Mantri Krishi Sinchayee Yojana |
| RKS | Rogi Kalyan Samiti |
| RKVY | Rashtriya Krishi Vikas Yojana |
| RTE | Right to Education |
| SDGs | Sustainable Development Goals |
| SGSY | Swarnajayanti Gram Swarojgar Yojana |
| SHGs | Self Help Groups |
| SMC | School Management Committee |
| SSA | Sarva Shiksha Abhiyan |
| UN | United Nations |
| VHSNC | Village Health Sanitation and Nutrition Committee |
| WHO | World Health Organisation |

परिशिश्ट 2

# कांय संभाव्य येवजण्यो

## 1. गतीमान ग्रामीण उदका पुरवण कार्यावळ (ARWSP)

गावांत गतीमान ग्रामीण उदका पुरवणेची येवजण (ARWSP) चालीक लावपा खातीर राज्यां आनी केंद्र शासीत प्रदेशांक 100 टक्के अनुदान दिवन केंद्र सरकारान 1972-73 वर्सा ही कार्यावळ सुरू केल्ली. हो उपक्रम 1973-74 मेरेन चल्लो. पूण पांचवेपंचवार्षिक येवजणेंत (1974-75 वर्सा सावन) किमान गरजो कार्यावळ (MNP) सुरू केल्ल्यान ती फाटी घेतली. पूण 1977-78 वर्सा जेन्ना सुरक्षीत पिवपाच्या उदकाचे पुरवणेचे कार्यावळीची प्रगती समाधानकारक ना अशें लक्षांत आयलें तेन्ना ती परत सुरू केली.

## 2. बेटी बचाओ बेटी पढाओ (BBBP)

0-6 वर्सां वयोगटांतल्या 1000 चल्यां फाटल्यान चलयांची संख्या म्हण परिभाशीत केल्ल्या अनुपातांतली (गुणोत्तर, रेशो) (CSR) घसरण जावपाची प्रवृत्ती 1961 पसून सतत चालू आशिल्ल्याचें दिसलां. 1991 वर्सा हो अनुपात 995 आशिल्लो तो 2001 वर्सा 927 आनी ताच्याय फुडे 918 मेरेन उणो जालो. 2011 वर्सा ही परिस्थिती हुस्को करपा सारकी जाली. CSR मदलो उणाव हो महिलांच्या असक्षमीकरणाचो एक मुखेल संकेतक (इंडिकेटर). पूर्वग्राही लिंग-निवडी वरवीं प्रकट जाल्लो आनी जल्मा उपरांतचो चलयां आड जावपी भेदभाव हे CSRत पडबिंबीत जाल्ले दिसतात. एके वटेन चलयां कडेन समाजीक भेदभाव करपी समाज रचना, सहजतायेची उपलब्धता, परवडपा सारकी अवस्था आनी दुसरे वटेन पूर्व-निदान करपाच्या साधनांचो गैरवापर ह्यो गजाली चलयांचें लिंग निवडी वरवीं निर्मूलन वाडपाचें गंभीर कारण जावन आसा. ताका लागून भुरग्यांचो लिंग अनुपात उणो जाता.

चलयांचें अस्तित्व, तांची राखण आनी सबळीकरण हांची खात्री करपा खातीर समन्वीत आनी एकत्रीत यत्नांची गरज आशिल्ल्यान सरकारान बेटी बचाओ बटी पढाओ (BBBP) उपक्रम जाहीर केला. बेटी बचाओ बेटी पढाओ (BBBP) येवजण ऑक्टोबर 2014 वर्सा बाल लिंग अनुपाताच्या उणावाची समस्या पैस करपा खातीर सुरू केल्या.

ही येवजण 22 जानेवारी 2015 दिसा हरियाणांतल्या पानीपत हांगा सुरू केली. हो उपक्रम तीन मंत्रालयां महिला आनी बाल - विकास मंत्रालय, आरोग्य आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय आनी मानव संसाधन विकास मंत्रालय हांचो संयुक्त उपक्रम जावन आसा.

## 3. दीन-दयाळ अंत्योदय योजना (DAY)

कुशळटाय विकासा वरवीं तगावक्षम उपजिवीकेच्यो संदी वाडोवन नागरी वाठारांतल्या गरीब समुदायांची उदरगत करपाच्या उद्देशान दीनदयाळ अंत्योदय योजना (DAY) सुरू केल्या. समाजीक, अर्थीक उदरगती खातीर कुशळटाय विकास गरजेचो आसा हो मेक इन इंडियाचो उद्देश हाच्या फाटल्यान आसा. दीनदयाळ अंत्योदय योजना घरबांदणी आनी नागरी दारिद्र्य निवारण (HUPA) मंत्रालया वरवीं सुरू केल्ली. हे येवजणे खातीर भारत सरकारान 500 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या.

ही येवजण राष्ट्रीय नागरी उपजीविका अभियान (NULM) आनी राष्ट्रीय ग्रामीण उपजीविका अभियान (NRLM) हांचें एकत्रीकरण जावन आसा.

राष्ट्रीय नागरी उपजीविका अभियान (NULM)चें नांव बदलून तें दीनदयाळ अंत्योदय योजना (DAY NULM) आनी हिंदींत राष्ट्रीय शहरी आजिविका मिशन अशें केलां. हे येवजणे खाला सगलीं 4041 सूचीत शारां आनी नगरां आसपावल्यांत. ते वरवीं सगल्या शारांतल्या लोकांचो आसपाव हे येवजणेंत जाला. सद्याक नागरी गरिबी निवारण कार्यावळ फक्त 790 शारां आनी नगरांनी चालू आसा.

## 4. दीन दयाळ उपाध्याय ग्राम ज्योती योजना (DDUGJY)

पुराय गांवगिऱ्या भारताक अखंड विजेची पुरवण करपाचे नदरेन दीन दयाळ उपाध्याय ग्राम ज्योती योजना (DDUGJY) आंखल्या. नोव्हेंबर 2014क ही येवजण प्राधनमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या मुखेलपणाखाला सुरू केल्या. त्या वेळार 1 मे 2018 मेरेन जीं 18,452 वीज पुरवण जायनाशिल्लीं गांवां आसात तांकां 1000 दिसां भितर विजेची पुरवण करपाचें सरकारान थारायलां अशें जाहीर केल्लें. हो भारत सरकाराच्या मुखेल उपक्रमां मदलो एक जावन आसा आनी वीज मंत्रालयाची एक म्हत्वाची कार्यावळ जावन आसा. देशाची अर्थीक वाड आनी उदरगती खातीर वीज ही भोव म्हत्वाची जावन आसा. DDUGJYक लागून ग्रामीण वाठारांतल्या घराब्यांक व्हड फायदो जावंक शकता.

ही येवजण आतांचे राजीव गांधी ग्रामीण विद्युतीकरण योजनेची (RGGVY) सुवात घेतली. RGGVYची वैशिश्ट्यां DDUGJYचे नवीन कार्यावळींत आसपावन घेतल्यांत आनी DDUGJY चो जो निधी खर्च जायनासतना उरला तो निधी DDUGJY कडेन वतलो. ही येवजण वीज मंत्रालयाच्या (MoP) मुखेल कार्यावळीं मदली एक जावन आसा आनी तिचे वरवीं 24X7 अशी वीज पुरवण जातली.

## 5. दीन दयाळ उपाध्याय ग्रामीण कौशल्य योजना

ग्रामीण विकास मंत्रालयान (MoRD) 25 सप्टेंबर 2014 दिसा 'अंत्योदय दिवसा' निमतान दीनदयाळ उपाध्याय ग्रामीण कौशल्य योजना (DDU-GKY) जाहीर केली.

DDU-GKY ही राष्ट्रीय ग्रामीण उपजीविका अभियानाचो (NRLM)चो एक वांटो जावन आसा. तिचो वावर दुहेरी उद्दिश्टांचो आसा. गांवगिऱ्या वाठारांतल्या गरीब घराब्यांच्या उत्पन्नांत विविधताय हाडप आनी थंयच्या तरणाट्यांच्यो जीविका-अपेक्षा पूर्ण करप.

DDU-GKY गरीब घराब्यांतल्या 15-30 वर्सां वयोगटांतल्या ग्रामीण वाठारांतल्या तरणाट्यांचेर खासा लक्ष दिता. स्कील इंडिया हे मोहिमेचो एक वांटो म्हण मेक इन इंडिया, डिजिटल इंडिया, स्मार्ट सिटीज, तेच परी स्टार्ट अप इंडिया, स्टँड अप इंडिया मोहिमां सारक्या सरकाराच्या समाजीक आनी अर्थीक कार्यावळींक तेंको दिवपाचे नदरेन ही म्हत्वाची भूमिका करता. 18-34 वर्सां वयोगटांतल्या देशांतल्या पिरॅमिडाचो विचार केल्यार तळाच्या तरणाट्यांक एक तर रोजगार ना आनी आसल्यार सामको उणो आसा.

असल्यांचो आंकडो सुमार 55 दशलक्ष आसा.

## 6. ग्रीन इंडिया मिशन (GIM)

हरित भारता खातीर राष्ट्रीय मिशन वा सर्वसामान्यपणान ग्रीन इंडिया मिशन (GIM)अशें हे कार्यावळीक नांव दिलां. हें हवामान बदलाच्या आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर भारताच्या कृती आराखड्यांत वर्णन केल्लीं जीं आठ मिशनां आसात तांतलें एक जावन आसा. हीं मिशनां हवामान बदला वेले राष्ट्रीय कृती येवजणे (NAPCC) खाला एकठावीत केल्यांत. फेब्रुवारी 2014 त GIM सुरू जालें. ताचो उद्देश भारताच्या उणीं जायत आशिल्ल्या जंगलांची राखण आनी पुनर्संवर्धन, तेच परी हवामान बदला विशींच्यो सुचोवण्यो आपणावन आनी ते उणे करपाचे उपाय चालीक लावन प्रतिसाद दिवप.

ह्या मिशनांत जंगलांचो विस्तार करप आनी झाडांची/रुखांची संख्या वाडोवन जंगलांचो 5 मिलियन हेक्टर इतलो विस्तार करप, त्याच प्रमाण सद्याच्या जंगलांची गुणवत्ता वाडोवप आनी फुडल्या 10 वर्सांनी आनीक 5 दशलक्ष हेक्टर रानां-वनां आनी हेर वाठार व्यापून उडोवपाचें उद्दिश्ट आसा. ह्या मिशनाचो उद्देश सर्वांगीण हरितीकरण असो आसा. तें फक्त कार्बन वेगळावणेच्या मोखींपुरतो मर्यादीत ना. पूण वेगवेगळ्यो जीवसृश्टी सेवा, खासा करून जैव विविधताय, बायोमास आनी तांच्या वांगडा इंधन, चरव, इमारतीचें लांकूड आनी हेर जंगली उत्पादनां अश्या जंगलां संबंदांतल्या घटकां खातीर आसा. हें मिशन ज्या वाठारांत चालीक लायतले, त्या दोंगरी वाठारांत रावपी लोकांच्या/घराब्यांच्या जंगलांचेर आदारिल्ले उपजिविकेचे पर्याय वाडयतले.

## 7. एकात्मिक बाल विकास योजना (ICDS)

एकात्मिक बाल विकास सेवा (ICDS) येवजण फक्त भारतांतच न्हय तर पुराय जगार आवय आनी भुरग्यांचें आरोग्य आनी पोशण हांकां उर्बा दिवपी सगल्यां परस व्हड कार्यावळ जावन आसा. ही येवजण 1975 वर्सा भुरग्यां खातीरच्या राष्ट्रीय धोरणाच्या संबंदान सुरू केल्ली. फाटल्या सत्तावीस वर्सांनी हे येवजणेचो 33 प्रकल्पांतल्यान 5171 ब्लॉक्सां मेरेन विस्तार जाला. ICDS ही बहु-क्षेत्रीय कार्यावळ जावन आसा आनी तातूंत खूबशीं सरकारी खातीं सहभागी जातात. हांतल्या कार्यावळींच्यो सेवा गांव, ब्लॉक, जिल्हो, राज्य आनी केंद्र सरकार हांच्या पावंड्यार समन्वीत जातात. कार्यावळीचे अंमलबजावणेची प्राथमिक जबाबदारी समाज कल्याण खातें, ग्रामीण विकास, जनजाती कल्याण वा आरोग्य खातें वा स्वतंत्र खातें हाची आसता. हाचे लाभार्थी 6 वर्सां सकयलीं बाळकां, गुरवार बायलो, भुरग्यांक आंगार दुदाक धरपी आवयो, आनी 15 ते 44 वर्सां वयोगटांतल्यो बायलो हीं आसात. ICDS चे लाभार्थी चड प्रमाणार माता आनी बाल आरोग्य कार्यावळीखाला आशिल्ल्या लाभार्थी सारकेच आसात. ही कार्यावळ सुदारीत बाल-जतनाय, बेगीन उद्दीपन आनी शिक्षण, आरोग्य आनी पोशण, उदकाची आनी पर्यावरणीय निवळसाण, हांच्या खातीर सगल्या मुळाव्या सेवांचें एकात्मीकरण करपा खातीर एकात्मीक नदर दिता. ताचो उद्देश ल्हान भुरगीं, गुरवार बायलां, भुरग्यांक आंगार दुदाक धरपी आवयो आनी किशोरवयांतल्यो चलयो हांच्या समुदायां खातीर ही ICDS कार्यावळ आसा. लोकसंख्येच्या वंचीत घटकांचें पोशण आनी आरोग्याची स्थिती परिणामकारक रितीन सुदारपा खातीर भारत सरकारान घेतिल्ल्या कश्टांचें तें पडबींब जावन आसा. हे कार्यावळी वरवीं पूरक पोशणा सयत 27.6 दशलक्ष लाभार्थी आसपावन घेता. 1975 वर्सा सावन हे कार्यावळींच्यो सेवा आनी तांचे लाभार्थी सदांकाळ तेच जावन रावल्यात. हालींच हे कार्यावळींच्यो भारत सरकारान प्रायोजीत केल्ले नियाळ प्रक्रियेंत ICDS कार्यावळीची अंमलबजावणी आनी कार्यक्षमताय सुदारपा खातीर आरोग्य आनी पोशण घटकांत कांय बदल सुचयल्यात.

## 8. जननी सुरक्षा योजना (JSY)

जननी सुरक्षा योजना (JSY) ही राष्ट्रीय आरोग्य अभियाना (NHM) खाला सुरक्षीत मातृत्व हातूंत हस्तक्षेप आसा. गरीब गुरवार बायलांमदीं संस्थात्मक बाळंतपणाक उर्बा दिवन आवय नवजात बाळकांचो मृत्यू दर उणो करपाच्या उद्देशान ह्या अभियानाची अंमलबजावणी करतात. उणो परिणाम दाखोवपी राज्यांचेर (LPS) भर दिवपा वांगडाच ही येवजण सगलीं राज्यां आनी केंद्र शासीत प्रदेशांनी (UTs) चालीक लायल्या.

जननी सुरक्षा योजना(JSY) ही एप्रिल 2005 त राष्ट्रीय मातृत्व लाब येवजणेंत (NMBS) बदल करून सुरु केल्या. राष्ट्रीय समाजीक सहाय्य कार्यावळी खाला (NSAP) NMBS कार्यावळ 1995 ऑगस्टा सावन चालीक लायिल्ली. 2001-02 वर्सा ही येवजण ग्रामीण विकास मंत्रालया कडल्यान आरोग्य आनी कुटुंब कल्याण खात्या कडेन हस्तांतरीत केली. NMBS दळिद्र रेशे सकयल्या घराब्यांतले 19 वर्सां पुराय जाल्ले गुरवार महिलेक दोन जित्या बाळकांच्या जल्मा खातीर दर जल्मा फाटल्यान 500 रुपया अर्थीक मजत गुरवार बायलांक मेळटाली ती लाभार्थी ग्रामीण/शारी वाठारांतली आसा काय ना हाचेर आदारून मजतीचे स्रेणीबद्ध मेजणे पद्दतींत बदलली. संस्थात्मक वितरण दराच्या आदाराचेर राज्यांचें, उणो वावर करपी राज्यां आनी उंचेल्या पावंड्याचो वावर करपी राज्यां अशें वर्गीकरण केलें. म्हळ्यार 25 % वा उणो वावर करपी राज्यांक उणो वावर करपी राज्यां (LPS) आनी ज्यांचो संस्थात्मक वितरण दर 25 % परस चड आसा तांकां उंचेलो वावर करपी राज्यां म्हण मान्यताय दिली. त्या प्रमाण उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड, छत्तीसगड, मध्य प्रदेश, बिहार, झारखंड, राजस्थान, ओडिशा, आसाम, जम्मू आनी काश्मीर हीं राज्यां उणो वावर करपी म्हण वर्गीकृत जालीं आनी उरिल्ल्या सगल्या राज्यांक उंचेलो वावर करपी म्हण मान्यताय मेळ्ळी.

## 9. नॅशनल बांबू मिशन

बांबू म्हळ्यार भोवमुखी गटाची वनस्पती. ती लोकांक पर्यावरणी, अर्थीक आनी उपजिविकेची राखण दिवपाक सक्षम आसता. हाली मेरेन बांबू जंगलां पुरतोच मर्यादीत उरला (जंगलाच्या 12.8%). तातूंत वाडपी सांठो आसा तांतलो दोन तृतियांश ईशान्ये कडल्या राज्यांत आसा. उद्देगीक आनी घरगुती वापरा खातीर कच्च्या मालाचो स्रोत म्हण त्या पिकाचें म्हत्व देशांत वाडिल्ले मागणेक लागून वाडलां. म्हण सगल्या मेकळ्या जमनींचेरयय ताची लागवड करप गरजेचें जालां. बांबूच्या पिकाची क्षमताय वाडोवपाचे नदरेन कृषी सहकार खातें (DAC), कृषी मंत्रालय, मिशन फॉर इंटेग्रेटेड डेव्हलपमेंट ऑफ हॉर्टिकल्चर (MIDH) नांवाची 100% केंद्रान प्रायोजीत केल्ली येवजण राबयतात. तातूंत राष्ट्रीय बांबू मिशन (NBM) एक उप-येवजण म्हण राबयतात.

बांबू क्षेत्राचे सर्वांगीण वाडीक चालना दिवपा खातीरच्या मिशनांत वाठाराचेर आदारिल्ल्या वाठारा प्रमाण वेगवेगळीं धोरणां आपणावप आनी बांबू लागवडीचें क्षेत्र वाडोवप आनी ताचें विपणन करप, हो वावर आसपावता. ताच्या खाला नवीन रोप वाटिका निर्माण करपाक तेंको दिवन दर्जेदार लागवड सामग्रेची उपलब्धताय वाडोवपा खातीर पावलां मारतात. ताका फुडल्या पावंड्यांकडेन जोडून घेवंक बांबूचीं उत्पादनां, खासा करून हस्तकला वस्तूंचें विपणन  करपा खातीर पावलां उखलतात.

## 10. राष्ट्रीय डिजिटल साक्षरताय मिशन (NDLM)

राष्ट्रीय डिजिटल साक्षरताय अभियान (NDLM) कार्यावळ म्हळ्यार डिजिटल साक्षरतायेविशीं जागृताय, शिक्षण आनी क्षमताय कार्यावळीचें एक गतीमान आनी एकात्मीक व्यासपीठ जावन आसा. हें व्यासपीठ ग्रामीण समुदायांक जागतीक पावंड्यावेले डिजिटल अर्थ वेवस्थेंत मुखार वचपाक मजत करतलें आनी तांकां स्पर्धात्मक स्वरूप तिगोवन दवरपाक मजत करतलें. तांतल्यान तंत्रीक नदरेन एक बळिश्ट समाजय बी रूपकाराक येतलो. NDLM हो राष्ट्रीय ऑप्टिक फायबर नॅटवर्क (NOFN) येवजणेचीं उद्दिश्टां फळदीक करपाक दरेका घरांतल्या एकल्याक डिजिटल-साक्षर करपाचो यत्न आसा. NDLM खाला आमी भारतांतल्या 147 दशलक्ष ग्रामीण घराब्यांतल्या उण्यांत उणे एके तरी व्यक्तीक डिजिटल साक्षर करपा खातीर भोव-हकदरां वांगडा वावर करपाचें उतर दितात.

DLM ही डिजिटल साक्षरतायेविशींची जाणविकाय, शिक्षण आनी प्रशिक्षणाची एक परिसंस्था जावन आसा. ती भारताक जागतीक पावंड्यार डिजिटल अर्थवेवस्थेंत फुडाकार घेवपाक आनी आमकां स्पर्धात्मक स्वरूप तिगोवन दवरपाक मजत करता. ते वरवीं तंत्रज्ञानाचे नदरेन सक्षम समाजाक रूपकार दिता. DLM ही ग्रामीण नागरिकांक डिजिटल साक्षर करून सक्षम करपा खातीर NOFN उद्दिश्टांचो विस्तार करपाचो यत्न जावन आसा.

## 11. राष्ट्रीय आरोग्य अभियान (NHM)

राष्ट्रीय आरोग्य अभियानांत (NHM) दोन उप-अभियानांचो आसपाव आसा. राष्ट्रीय ग्रामीण आरोग्य अभियान (NRHM) आनी नवें सुरू केल्लें राष्ट्रीय शहरी आरोग्य अभियान (NUHM). मुखेल प्रोग्रामॅटीक घटकांत ग्रामीण आनी शारी वाठारांत प्रजनन-माता-नवजात बाळक-भुरगीं आनी पौगंडावस्थेंतलें आरोग्य (RMNCH + A) आनी संसर्गजन्य आनी असंसर्गजन्य रोगां संबंदांतली आरोग्य-प्रणाली बळिश्ट करपाचो आसपाव आसा. NHM लोकांच्या गरजांक जापसालदारकेन प्रतिसाद दिवपी न्याय्य, परवडपाच्या आनी दर्जेदार आरोग्य-सेवांभितर सगल्यांक सहजतायेन रिगाव मेळपाची येवजण करता.

NRHM ही 12 एप्रिल 2005 ह्या दिसा देशांतल्या 18 राज्यांचेर खासा लक्ष केंद्रीत करून सुरू केल्या. हातूंत आठ सबळीकरण केल्ले कृती गट (EAG) राज्यां, इशान्ये कडलीं राज्यां, जम्मू आनी काश्मीर आनी हिमाचल प्रदेश हांचो आसपाव आसा.

केंद्रीय मंत्रिमंडळान 1 मे 2013 दिसा घेतिल्ल्या निर्णया वरवीं राष्ट्रीय शहरी हेल्थ मिशन (NUHM) हें विशाळ अश्या राष्ट्रीय आरोग्य अभियानाचें (NHM) एक उप मिशन म्हण सुरू करपाक मान्यताय दिल्या. राष्ट्रीय ग्रामीण आरोग्य अभियान (NRHM) हें राष्ट्रीय आरोग्य अभियानाचें आनीक एक उप-मिशन जावन आसा.

## 12. महिला सबळीकरणा खातीर राष्ट्रीय अभियान (NMEW)

महिला सबळीकरणा खातीर राष्ट्रीय अभियान (NMEW) 2011-12 ह्या अर्थीक वर्सांत एप्रिल 2011त केंद्र सरकाराची येवजण म्हण चालीक लायलें. वेगवेगळ्या मंत्रालयांचो आंतर-क्षेत्रीय समन्वय घडोवन समान कार्यावळींच्या माध्यमांतल्यान एकत्रीत यत्न करून मोख सादप हो उद्देश आसा. त्या खातीर केंद्रक अभिकरण (नोडल एजंसी) म्हण महिला आनी बाल विकास मंत्रालयाक (MWCD) जापसालदारकी दिल्या आनी ते वरवीं सगल्या कार्यावळींचें समन्वीत संचालन जातलें अशी वेवस्था केल्या.

12 वे येवजणेच्या काळांत केंद्रीय प्रायोजीत येवजण (CSS) चे पुनर्रचणुके उपरांत NMEWक महिलांची राखण आनी विकासा खातीर जी व्हड छत्र येवजण (अंब्रेला स्कीम) आसा तिची उप-येवजण म्हण फुडें चालू दवरपाक मान्यताय दिल्या. सुदारिल्ले NMEW येवजणेचो उद्देश भारत सरकाराचीं वेगवेगळीं मंत्रालयां/विभाग/खातीं तेच परी राज्य सरकारांच्यो येवजण्यो/कार्यावळी हांच्या एकत्रीकरणा वरवीं महिलांचें सर्वांगीण सबळीकरण साध्य करप हो जावन आसा. सुदारीत येवजणे खाला बेटी बचाओ-बेटी पढाओ (BBBP) येवजण, वन स्टॉप सेंटर्स, महिला हेल्प लायन, हांच्या सारक्या मंत्रालयाच्या नव्या उपक्रमांचे अंमलबजावणी आनी देखरेख

करपी डोमेन तज्ञ व्यक्तीं वरवीं महिला आनी बाल विकास मंत्रालयाक (MWCD) तंत्रीक साह्य दितात आनी महिलांचेर लक्ष केंद्रीत करून वेगवेगळीं मंत्रालयां/खातीं/येवजण्यो/कार्यावळी हांचे अभिकरण सोंपें केलां.

## 13. तगावक्षम कृषी खातीर राष्ट्रीय अभियान (NMSA)

नॅशनल मिशन फॉर सस्टेनेबल ॲग्रीकल्चर (NMSA) हें हवामान बदलावेल्या राष्ट्रीय कृती आराखड्या (NAPCC) खाला ज्यो आठ मोहिमो आसात तांतली एक मोहीम जावन आसा. हें अभियान/मिशन, फावो तशें अनुकूलन तयार करून आनी हवामान बदलाकडेन संबंदीत जोखमींच्या संदर्भांत तगावक्षम कृषीलागीं संबंदीत अन्न सुरक्षा निश्चित करप, उपजीविकेच्यो संदी वाडोवप आनी राष्ट्रीय पावंड्यार अर्थीक स्थिरतायेक पालव दिवन समस्यांची तीव्रताय उणी करून तांचें निराकरण करपाचो यत्न करता.

हवामानांतल्या बदलांक लागून भारतीय कृषी मळार निर्माण जावपी धोके ह्या अभियानान मान्य केल्यात आनी पीक वा पशूधन, कृषी वा पीक-प्रणाली आनी अन्न-प्रणाली हांचे सयत खूबश्या पावंड्यांर भर दितले. शेतीच्या बाबतींत योग्य अनुकूलन आनी समस्यांची तीव्रताय उणी करपाचे उपाय केले नात जाल्यार कृषी उत्पादनाचेर प्रतिकूल परिणाम जावन गंभीर परिस्थिती जावंक शकता. अन्नधान्याचो उणाव, आनी तांची दरवाढ हे धोके उबे रावल्यार आमच्या देशाची अन्नधान्य आनी पशूधन वेवस्था अडचणींत येवंक शकता. म्हणून आमच्या देशाक उपजीविकेची सुरक्षा भोव म्हत्वाची जावन आसा.

देखुनूच हें मिशन भारतीय शेती, पीक आनी पशू पालन हवामान बदलाक फावो तशें स्थित्यंतर आपणावन आनी बदलाची तीव्रताय उणी करून लवचीक उत्पादन प्रणाली आपणावपाचो यत्न करता.

## 14. राष्ट्रीय ग्रामीण पेयजल कार्यक्रम (NRDWP)

राष्ट्रीय ग्रामीण पेयजल कार्यक्रम (NRDWP) चें उद्दिश्ट म्हळ्यार, गांवगिऱ्या वाठारांतल्या व्यक्तींक पियपा खातीर, रांदपा खातीर आनी हेर मुळाव्या गरजां खातीर लागता तितलें सुरक्षीत उदक, तगावक्षम आदाराचेर, उदकाचे गुणवत्तेच्या मानकां सयत, सगल्या वेळार आनी सगळ्या परिस्थितींनी गांवांत उपलब्ध आसचें. हें उद्दिश्ट साध्य करप ही एक निरंतर प्रक्रिया जावन आसा.

12 वे पंचवार्षीक येवजणेंत, NRDWP खाला मंत्रालय गांवगिऱ्या वाठारांतल्या वस्त्यां मदीं नळा वरवीं उदका पुरवण करपाचेर भर दिता. राज्यांक स्टॅंड पोस्ट वा घरगुती उदकाच्या कनेक्शना वरवीं नळाचें उदक सगल्या वस्त्यां मेरेन पावोवपाची येवजण करपाक सांगिल्लें आसा. ताका लागून उदक हडपा/सांठोवपा खातीर लागपी वेळ आनी त्रास उणे जातले. त्याच वांगडा पियपाच्या उदकाच्या प्रस्नान बेजारिल्ल्या वस्त्यांनी उदकाचे गुणवत्तेची समस्या पैसावपाक मदत जातली. ताच्या भायर ज्या राज्यांनी अश्या उण्या वस्त्यांनी उदक पावलां अश्या ग्रामीण वाठारांनी नळाचें उदक पावोवपाची यंत्रणा उबारपा खातीर मंत्रालयान आसाम, बिहार, झारखंड आनी उत्तर प्रदेश ह्या राज्यांच्या कांय वाठारांनी जागतीक बँकेचे मजतीन एक प्रकल्प थारायला. त्या वरवीं पायपांतल्यान उदका पुरवण करपाचे प्रणालीचेर लक्ष केंद्रीत केलां.

## 15. राष्ट्रीय समाजीक साहाय्य कार्यक्रम (NSAP)

ग्रामीण विकास मंत्रालयान चालीक लायिल्ली, राष्ट्रीय समाजीक साहाय्य कार्यक्रम (NSAP) ही एक कल्याणकारी कार्यावळ जावन आसा. ही कार्यावळ ग्रामीण आनी शारी वाठारांत राबयतात. NSAP म्हळ्यार भारतीय संविधानांत आसपाव केल्ल्या राज्यांच्या धोरणांच्या मार्गदर्शक तत्वांचे पूर्ततायेचे नदरेन उखलिल्लें एक म्हत्वाचें पावल जावन आसा. हें तत्व राज्यांक लोक कल्याणाच्यो खूबश्या येवजण्यो आनी उपाय घेवंक सांगता. नागरिकांचे उपजीविकेची पुर्तताय जावपी सुरक्षितताय पळोवप, सार्वजनीक आरोग्य सुदारप, भुरग्यांक फुकट आनी सक्तेचें शिक्षण दिवप हीं कामां करप हो वावर ह्या धोरणांत अभिप्रेत आसा. भारतीय राज्य घटने 41 वें कलम सार्वजनीक साह्य दिवपाचो राज्यांक निर्देश दिता. तातूंत बेरोजगारी, म्हातारपण, पिडेस्त नागरीक, आनी अपंगूळपण आनी राज्यांच्या अर्थीक विकासाचे मर्यादेंत बसतात तसल्यो अपात्र गरजो हांचो आसपाव आसता. ह्या उदात्त तत्वां प्रमाण भारत सरकारान 15 ऑगस्ट 1995 दिसा 1995-1996 च्या केंद्रीय अर्थसंकल्पांत राष्ट्रीय समाजीक सहाय्य येवजणेचो आसपाव केला. 28 जुलै 1995 ह्या दिसा देशाक उद्देशून केल्ल्या भाशणांत ही कार्यावळ 15 ऑगस्ट 1995 ह्या दिसा सावन लागू जातली अशें जाहीर केलां. त्या प्रमाण ह्या तत्वांचे पूर्तताये खातीर 15 ऑगस्ट 1995 सावन भारत सरकारान NSAP ही येवजण चालीक लायल्या.

## 16. नवजात शिशू सुरक्षा कार्यक्रम (NSSK)

आरोग्य आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान नवजात शिशू सुरक्षा कार्यक्रम (NSSK) चालीक लायला. हे कार्यावळी खातीर मुलभूत नवजात बाळकाची जतनाय आनी पुनरुत्थान ह्या विशीं एक व्यापक प्रशिक्षण मॉड्यूल विकसीत केलां. ही कार्यावळ नवजात बाळकांचें आरोग्य सुदारपा खातीर पुराव्याचेर आदिरिल्लें ज्ञान मेळोवन दिता.

## 17. प्रधान मंत्री कृषी सिंचाई योजना (PMKSY)

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हांचे अध्यक्षतेखाला आशिल्ले अर्थीक घडामोडींचे मंत्रिमंडळ समितीन (CCEA) 'प्रधान मंत्री कृषी सिंचाई योजना' (PMKSY) हे नवीन येवजणेक मान्यताय दिल्या. त्या खातीर पांच वर्सांच्या कालावधी खातीर (2015-16 ते 2019-20) रु. 50,000 कोटींची तजवीज केल्या. चालू अर्थीक वर्सा खातीर 5,300 कोटी रुपयांच्या वांटपाक मान्यताय दिल्या.

PMKSY चो मुखेल उद्देश जावन आसा - क्षेत्रीय पावंड्यार शिंपणावळींत केल्ले गुंतवणुकीचें एकत्रीकरण करून शिंपणावळीखाला लागवड करपा सारके जमनीचो विस्तार करप, (हर खेत को पानी), उदकाचो इबाड उणो करपा खातीर शेतांतल्या उदकाच्या वापराची कार्यक्षमताय सुदारप आनी नेमकेपणान उदकाचो वापर करप. त्याच बराबर उदक वांचोवपाचें तंत्रज्ञान (दर थेंबाक चड पीक), उदकांच्या सांठ्यांचें पुनर्भरण वाडोवप, आनी शारांलागसारचे शेती खातीर नगरपालिका वाठारांतल्या वापरिल्ल्या उदकाचो पुनर्वापर करपाचे वेवहार्यतेचो सोद घेवन तगावक्षम जलसंधारण/उदकाचें संवर्धन करपाच्यो पद्दती आपणावप आनी अश्या अचूक शिंपणावळ प्रणालींनी चडांत चड खाजगी गुंतवणूक करप्यांक आकर्शीत करप हांचो आसपाव आसा. उदकाची निर्मणी/वापरप/पुनर्वापर/संभाव्य अश्या साधनां वरवीं पुनर्वापर मतींत घेवन घरगुती, शेती आनी उद्देग ह्या सगल्या क्षेत्रांक गरजेच्या उदकाचें अदमासपत्रक तयार करपा खातीर ह्या वावरांत आसपाविल्लीं मंत्रालयां/खातीं/एजंसी/संशोधन आनी अर्थीक संस्थांक एका समान व्यासपीठाचेर हाडून 'जलचक्रा'चो सर्वसमावेशक आनी सर्वांगीण दृश्टिकोन विकसीत करप.

## 18. सार्वजनीक वितरण प्रणाली (PDS)

पब्लिक डिस्ट्रिब्यूशन सिस्टम (PDS) आवटलेट्स आनी रेशन दुकानांच्या नेटवर्का वरवीं गिरायकांक तांदूळ, गंव, साकर, तेल आनी केरोसीन असल्या गरजेच्या वस्तूंची खात्री दिता. सद्याक देशभर 4.61 लाख रिटेल आवटलेट्सांचें नेटवर्क आसा.

PDS केंद्र आनी राज्यां हांचे जोड जापसालदारकेखाला चलता. अनुदानीत मोलान अन्नधान्य, तांदूळ, गंव हांची खरेदी, सांठवण, येरादारी आनी व्हडा प्रमाणार वांटप करपाची जापसालदारकी केंद्र सरकार घेता आनी FPPS वरवीं गिरायकांक विकपाची वेवस्था राज्य सरकारांची आसता.

## 19. किशोरवयीन चलयांच्या सबळीकरणा खातीर राजीव गांधी योजना (RESEAG) - SABLA

हे येवजणे प्रमाण 11 ते 18 वर्सां वयोगटांतल्यो ज्यो चलयो शाळांनी वचनात तांच्या खातीर आसा. एका थरावीक दिसा आंगणवाडी केंद्रांत तांणीं जमप. थरावीक दिसांनी अशें नेमान मेळप. हेर चलयो म्हळ्यार शाळेंत वचपी चलयो आंगणवाडी केंद्रांत म्हयन्याक उण्यांत उणें दोनदां वा सुटयेच्या काळांत दर सप्तकांत एकदां मेळटात. हांगा तांकां जिणेच्या कुशळटायांचें शिक्षण, पोशण आनी आरोग्य शिक्षण, समाजीक, कायदेशीर प्रस्नां विशींची जाणविकाय असलें ज्ञान मेळटा. ताका लागून शाळेंत वचपी आनी वचनाशिल्ल्या चयलां मदीं भरसण जावन तांच्या विचारांची आंतर-प्रक्रिया सुरू जाता. तांतल्यान शाळेंत वचनाशिल्ल्यांक प्रेरणा मेळून तीं शाळांनी वचूंक प्रेरीत जातात. तांच्या कडल्यान शाळेंत वचपी चलयांक जिणेच्या कुशळटायांचें शिक्षण मेळटा. किशोर वयीन चलयांचो साक्षरताय दर आनी कामांतलो सहभाग वाडोवन शाळा-गळटेचें प्रमाण उणें करप हो हे येवजणेचो मुखेल उद्देश जावन आसा.

## 20. राष्ट्रीय बाल स्वास्थ्य कार्यक्रम (RBSK)

राष्ट्रीय बाल स्वास्थ्य कार्यक्रम (RBSK) हो एक म्हत्वाचो उपक्रम जावन आसा. जल्मापसून 18 वर्सां वयोगटांतल्या भुरग्यांमदीं चार तरांचे दोश ना मू? हाची खात्री करून घेवपा खातीर हस्तक्षेप करप. त्या चार दोशांक 4D म्हणटात. ते जावन आसात जल्मदोश (जल्मा पसून आशिल्ले दोश) (डिफॉल्टर), उणेपण (डेफिसियन्सी), रोग (डिसीज) आनी अपंगूळपणा (डिजॅबिलिटी). म्हत्वाचें म्हळ्यार 0-6 वर्सां वयोगटांतल्यांचे परिस्थितीचें वेवस्थापन जिल्हो प्रारंभीक हस्तक्षेप केंद्र (DEIC) पावड्यार जाता आनी 6-18 वयोगटा खातीरचें वेवस्थापन उपलब्ध आशिल्ल्या सरकारी सार्वजनीक आरोग्य सुविधां वरवीं करप जाता.

DEIC हें दोनय वयोगटां खातीर 'रेफरल लिंकेज' म्हण काम करता. थंयचो वैजकी अधिकारी, परिचारिका आनी ANM वरवीं बाळंटेरावेळार पयल्या पावड्यावेली तपासणी करतात. 48 तासां उपरांत 6 सप्तकां मेरेन नवजात बाळकाचें स्क्रिनिंग ASHA मार्फत होम बेज्ड न्यू-बॉर्न केअर (HBNC) पॅकेजीचो एक वांटो म्हण घराच करतले.

6 सप्तकां ते 6 वर्सां वयोगटांतल्यां खातीर आंगणवाडी केंद्रांचेर आनी 6 ते 18 वर्सां वयोगटांतल्या भुरग्यां खातीर ह्याच वावरा खातीर दवरिल्ल्या भोंवत्या भलायके दळा वरवीं आवटरीच स्क्रिनिंग जातलें.

## 21. राष्ट्रीय कृषी विकास योजना (RKVY)

XI वे येवजणेच्या काळांत कृषी आनी ताका संबंदीत मळांच्या (नुस्तेंमारी खातें, फळांचें उत्पादन खातें, पशूपालन खातें आनी हेर) सर्वांगीण विकासाची खात्री करून घेवन, कृषी क्षेत्रांत 4% वर्सुकी वाड साध्य करपाचें RKVY चें उद्दिश्ट आसा. हे येवजणेचीं मुखेल उद्दिश्टां म्हळ्यार - (I) कृषी आनी संबंदीत क्षेत्रांत सार्वजनीक गुंतवणूक वाडोवपा खातीर राज्यांक उर्बा दिवप. (II) कृषी आनी संलग्न क्षेत्रांतल्या येवजण्यांचें नियोजन आनी अंमलबजावणी करपाचे प्रक्रियेंत राज्यांक लवचीकताय आनी स्वायत्तताय दिवप. (III) कृषी हवामान स्थिती, तंत्रज्ञान आनी सैमीक संसाधनांची उपलब्धताय हांचेर आदारिल्ली जिल्हो आनी राज्यां खातीर कृषी येवजण तयार करपाची खात्री करून घेवप. (IV) राज्यांच्या कृषी येवजण्यां मदीं थळाव्यो गरजो/पिकां/प्राधान्यक्रम भोव बरे रितीन पडबिंबीत जातात हाची खात्री करून घेवप. (V) म्हत्वाच्या पिकांच्या उत्पन्नांतलो उणाव उणो करपाचें उद्दिश्ट गांठपा खातीर हस्तक्षेपाचेर भर दिवप. (VI) कृषी आनी संबंदीत क्षेत्रांतल्या शेतकामत्यांक चडांत चड मोबदलो मेळोवन दिवप. (VII) कृषी आनी संबंदीत क्षेत्रांतल्या वेगवेगळ्या घटकांच्या उत्पादनांत आनी उत्पादकतायेंत सर्वांगीण तरेन यत्न करून परिणामकारक बदल घडोवन हाडप. RKVY खाला एकात्मीक विकासाखाला लक्ष केंद्रीत करपाचीं क्षेत्रां म्हळ्यार - भरड दाणो गोटो, किरकोळ बाजारी दाणो गोटो, कृषी यांत्रिकीकरण, मातयेचें आरोग्य, आनी उत्पादकताय हांचे सयत पावसाचेर आदारिल्ले शेती प्रणालीची उदरगत, IPM, बाजाराच्यो मुळाव्यो साधन-सुविधा, फलोत्पादन, AH (पशूपालन), दूद-वेवसाय, नुस्तें उत्पादन वेवसाय, कृषी आनी फलोत्पादनाक उर्बा दिवपी संस्थांक पालव, सेंद्रीय आनी जैव स्वरूपाचीं सारीं, नाविन्यपूर्ण येवजण्यो अशे निश्चित कालमर्यादा आशिल्ले प्रकल्प पुराय करपाची संकल्पना हीं जावन आसात.

## 22. राष्ट्रीय स्वास्थ्य बिमा योजना (RSBY)

आरोग्य विमो हो गरीब घराब्यांक आरोग्या विशींच्या खर्चाचे जोखमी पसून आनी गरिबे पसून संरक्षण दिवपाचो एक मार्ग जावन आसा. हें स्पश्टपणान समजून घेतलां. गरीब लोक आरोग्य विमो घेवपाक शकनात वा तयार नासतात. कारण ताचें मोल वा मुखावेले फायदे तांकां खबर नासतात. आरोग्य विम्याचें आयोजन वा प्रशासन करप आनी तें लेगीत गांवगिऱ्या वाठारांत हो एक कठीण वावर जावन आसा. हांगाच्या कामगारांक समाजीक सुरक्षा मेळोवन दिवपाची गरज मतींत घेवन केंद्र सरकारान राष्ट्रीय स्वास्थ्य बिमा योजना (RSBY) सुरू केली. 25 मार्च 2013 मेरेन हे येवजणेखाला 3,42,85,737 स्मार्ट कार्डां केल्यांत आनी 50,97,128 कामगार हॉस्पिटलांत उपचार घेवंक पावल्यात. RSBY ही येवजण, दळिद्र रेशे सकयल्या (BPL) घराब्यां खातीर आरोग्य विम्याची राखण दिवपाक भारत सरकाराच्या मजूर आनी रोजगार मंत्रालयान चालीक लायल्या.

RSBY चें उद्दिश्ट म्हळ्यार दळिद्र रेशे सकयल्या (BPL) घराब्यांक हॉस्पिटलांत घालपाच्या अर्थीक आघाता पसून निर्माण जातल्या अर्थीक गरजां पसून राखण दिवपाची वेवस्था जावन आसा.

हे येवजणे खाला कामगारांक सार्वजनीक, त्याच प्रमाण खाजगी हॉस्पिटलांनी घालून कॅशलेस उपचार करपाची तजवीज आसा. ही येवजण 1 एप्रिल 2008 दिसा सुरू जाली आनी भारतांतल्या 25 राज्यांत ती लागू केल्या. फेब्रुवारी-2011 मेरेन वट्ट 23 दशलक्ष घराब्यांची हे येवजणे खाला नोंदणी जाल्या.

RSBY तात्काळ कॅशलेस हॉस्पिटलायझेशन आनी मेडिकल क्लेमाची बेगोबेग फारकाय (आपूर्ती) करता. म्हण आमी आमच्या गिरायकाक आरोग्या खातीर सगल्यो सुविधा दिवपा खातीर आनी काळजी घेवपा खातीर पुरायेन तयार आसतात.

## 23. सर्व शिक्षा अभियान (SSA)

सर्व शिक्षा अभियान (SSA) हो शाळांचे वेवस्थेचो समुदायीक मालकेवरवीं, प्राथमीक शिक्षणाचें सार्वत्रिकीकरण करपाचो यत्न जावन आसा. देशांतल्या शिक्षणाची गुणवत्ता सुदारपा खातीर सध्याची शाळा-प्रणाली बदलप हो ताचो उद्देश आसा. SSA कार्यावळ म्हळ्यार समुदायाचे मालकेचे दर्जेदार शिक्षण वेवस्थे वरवीं भुरग्यांक ज्ञान आनी कुशळटाय विकसीत करपाची समान संदी मेळोवन दिवपाचो एक यत्न जावन आसा. ही कार्यावळ मुळाव्या शिक्षणा वरवीं समाजीक न्यायाचो प्रसार करपाची ही एक संद जावन आसा. प्राथमीक शाळांच्या प्रशासनांत पंचायती राज संस्था, शाळांच्यो वेवस्थापन संस्था, गांव आनी शारी झोंपडपट्टी पावंड्यावेल्यो शिक्षण समित्यो, पालक शिक्षक संघटणा, माता शिक्षक संघटणा, आदिवासी स्वायत्त परिशद आनी हेर थळाव्या पावंड्यावेल्या संस्थांक यशस्वी रितीन सहभागी करून घेवप हें SSA चें उद्दिश्ट आसा.

SSA 2000-2001 पसून कार्यान्वीत जालां. ताका लागून प्राथमीक शिक्षणांतलो सार्वत्रीक रिगाव (प्रवेश) आनी तिगाव त्याच प्रमाण लिंग आनी समाजीक श्रेणींतलो तफावत भरून काडपा खातीर आनी शिक्षणाची गुणवत्ता सुदारपा खातीर तरेकवार हस्तक्षेपांची तजवीज SSAत केल्या. ह्या हस्तक्षेपां मदीं हेर गजालीं वांगडाच नव्यो शाळा उगडप आनी पर्यायी शालेय शिक्षणाची वेवस्था हांचो आसपाव जाता. त्याच बराबर नवीन शाळांचें बांधकाम, चडावत वर्गां खातीर चडावत सुवात बांदप, शौचालयां आनी पिवपाच्या उदकाची सोय, शिक्षकां खातीर तजवीज, सेवा प्रशिक्षणांतले नियमीत शिक्षक आनी शैक्षणीक संसाधनाचो तेंको, फुकट पाठ्यपुस्तकां आनी गणवेश आनी शिक्षणाचो उपलब्ध दर्जो आनी अपेक्षीत परिणाम सादपा खातीर तेंको दिवप हांचो आसपाव आसा. शिक्षण हक्काचो (RTE अॅक्ट) कायदो संमत जातगीर SSAचो दृश्टिकोन, धोरणां आनी मानस सूत्रां मदीं फावो तशे बदल आसपावन घेतल्यात.

## 24. समाजीक वनीकरण (सोशल फॉरेस्ट्री)

भारत सरकाराच्या राष्ट्रीय कृषी आयोगान 1976 वर्सा समाजीक वनीकरण ह्या उतराचे प्रयोग प्रयोग पयले फावट केलो. पयलींच्या तेंपार दुर्लक्ष केल्ल्यो - जळवाचें लांकूड, चरव आनी हेर - गांवगिऱ्यो गरजो पुराय करपा खातीर समाजीक वनीकरण कार्यावळीची शिफारस राष्ट्रीय कृषी आयोगान केल्ली. आयोगाच्या अहवाला उपरांत खूबश्या राज्यांनी आंतरराष्ट्रीय पावंड्यावेल्यो रीण दिवपी एजंसी आनी जागतीक बँके कडल्यान घसघशीत रिणां घेवन आपणाल्यो महत्वाकांक्षी समाजीक वनीकरणाच्यो कार्यावळी सुरू केल्यात

सत्यमेव जयते

**Ministry of Panchayati Raj**

Government of India

U N D P

Panchayati Raj

GIPARD

GOA INSTITUTE OF PUBLIC ADMINISTRATION & RURAL DEVELOPMENT

Ella Farm, Old Goa 403 402 0832-2953985/86/87 gird.goa@nic.in gipard.gov.in